# “शीला कोळंबकार हांच्या कथांचो चिकित्सक अभ्यास”

प्रबंधाचो अहवाल

पाठ्यक्रम कोड आनी पाठ्यक्रम माथाळो : KKD-421 सोद प्रकल्प

क्रॅडीट्स: 08

कोंकणी विशयांत
पदव्युत्तर पदवी पुराय करपा खातीर सादर केला

सोद वावर करपी

**दिव्या धनंजय गोवेकार**

हजेरी क्रमांक: 21PO18021

मार्गदर्शक

**प्रा. सोनिया सिताराम गडकार**

शणै गोंयबाब भाशा आनी साहित्य महाशाला
कोंकणी अध्ययन शाखा

**गोंय विद्यापीठ**

**एप्रील 2023**

Shenoi Goembab School of
Languages & Literature
Goa University

तपासणी करपी:

# DECLARATION BY STUDENT

I hereby declare that the data presented in this Dissertation entitled, "शीला कोळंबकार हांच्या कथांचो चिकित्सक अभ्यास (A Critical study of Sheela Kolambkar's Short Stories)" is based on the results of investigations carried out by me in the Discipline of Konkani at the Shenoi Goembab School of Languages and Literature, Goa University under the Supervision of Asst. Prof. Soniya Sitaram Gadkar and the same has not been submitted elsewhere for the award of a degree or diploma by me. Further, I understand that Goa University or its authorities will be not be responsible for the correctness of observations / experimental or other findings given the dissertation.

I hereby authorize the University authorities to upload this dissertation on the dissertation repository or anywhere else as the UGC regulations demand and make it available to any one as needed.

Date: 04/05/2023


Divya Dhanajay Govekar
Roll Number: 21P018021
Konkani Discipline
Shenoi Goembab School of Languages and Literature


Place: Goa University

# COMPLETION CERTIFICATE

This is to certify that the dissertation "शीला कोळंबकार हांच्या कथांचो चिकित्सक अभ्यास (A Critical study of Sheela Kolambkar's Short Stories) " is a bonafide work carried out by Miss Divya Dhananjay Govekar under my supervision/mentorship in partial fulfilment of the requirements for the award of the degree of Master of Arts in the Discipline Konkani at the Shenoi Goembab School of Languages and Literature, Goa University.

Ms. Soniya Sitaram Gadkar
Konkani Discipline, SGSLL

Date: /04/2023

Prof. Anuradha Wagle
Dean, Shenoi Goembab School of Languages and Literature

Date: /04/2023
Place: Goa University

Shenoi Goembab School
Languages & Literature
Goa University
School Stamp

# “शीला कोळंबकार हांच्या कथांचोचिकित्सक अभ्यास”

प्रबंधाचो अहवाल

पाठ्यक्रम कोड आनी पाठ्यक्रम माथाळो :KKD-421 सोद प्रकल्प

क्रॅडीट्स: 08

कोंकणी विशयांत
पदव्युत्तर पदवी पुराय करपा खातीर सादर केला


सोदवावरकरपी

**दिव्याधनंजयगोवेकार**

हजेरी क्रमांक: 21PO18021

मार्गदर्शक

**प्रा. सोनिया सिताराम गडकार**

शणै गोंयबाब भाशा आनी साहित्य महाशाला
कोंकणी अध्ययनशाखा


**गोंय विद्यापीठ**

**एप्रील 2023**

तपासणी करपी:

## DECLARATION BY STUDENT

I hereby declare that the data presented in this Dissertation entitled, "शीलाकोळंबकारहांच्याकथांचो चिकित्सकअभ्यास(A Critical study of Sheela Kolambkar'sShort Stories)" is based on the results of investigations carried out by me in the Discipline of Konkani at the ShenoiGoembab School of Languages and Literature, Goa University under the Supervision of Asst. Prof. Soniya Sitaram Gadkar and the same has not been submitted elsewhere for the award of a degree or diploma by me. Further, I understand that Goa University or its authorities will be not be responsible for the correctness of observations / experimental or other findings given the dissertation.

I hereby authorize the University authorities to upload this dissertation on the dissertation repository or anywhere else as the UGC

Divya DhanajayGovekar
Roll Number: 21P018021
Konkani Discipline
ShenoiGoembab School of Languages
and Literature

regulations demand and make it available to any one as needed.

Date: /04/2023

Place: Goa University

# COMPLETION CERTIFICATE

This is to certify that the dissertation "शीलाकोळंबकारहांच्याकथांचो चिकित्सकअभ्यास(A Critical study of Sheela Kolambkar'sShort Stories) "is a bonafide work carried out by Miss Divya Dhananjay Govekar under my supervision/mentorship in partial fulfilment of the requirements for the award of the degree of Master of Arts in the DisciplineKonkani at the ShenoiGoembab School of Languages and Literature, Goa University.

Ms. Soniya Sitaram Gadkar
Konkani Discipline,
SGSLL

Date: /04/2023

Prof. Anuradha Wagle
Dean, ShenoiGoembab School of Languages and Literature

Date:     /04/2023

Place: Goa University                                                School Stamp

## उपकारआटयतना...

कोंकणीविशयांतएम. ए. पदवीखातीरशिक्षणघेवपाकगोंयविद्यापीठांतजेन्नाआयलें, तेन्नाचवथ्यासत्राकस्वताएकविशयघेवनअभ्यासकरपाचीमेकळीकआसाहेकळ्ळें. ताच्यासंदर्भांतआनीकम्हायतीजाणून घेतल्या उपरांत, सोदवावरकरपाचीइत्साआनीउमेदजागृतजाली. तिसरेंसत्रसोपत्यारप्रा. नरेशनायकहांणींसोदवावरकरपाचीकोणाकइत्साआसाकायविचारलेंतेन्नाम्हजोहातवयरआय लो. पूणवास्तवांतजेन्नासोदवावरा खातीरइत्सूकविद्यार्थांचीनांवादिवपाकसांगलेंतेन्नाम्हज्याकडेनहोसोदप्रबंधपुरायजातलोकायना ? ह्यादुबावाननांवदिवपाकफाटींफुडेंजालें. पूणह्यावेळारप्रा. नरेशनायकहांणीम्हाकाआत्मविश्वासआनीप्रोत्साहनदिवन हांवहोसोदवावरकरपाकफुडेंसरलें. ताचे खातीर हांव तांचेंउपकारी.सोदप्रबंधकरपाकहांवइत्सूकआसाआनीम्हाकामार्गदर्शनकरपाककोंकणी अध्ययन शाखेची सहाय्यक प्रा. सोनियागडकरतयारआसाकायना? हेंविचारपाकजेन्नाहांवतिचे कडेनगेलेंतेन्नातिणेंम्हज्यानिर्णयाकपुरायपणानतेंकोदिवनम्हाकामार्गदर्शनदिवपाकस्वीकारलें. तशेंचम्हजेक्षमताआनीआवडीप्रमाणतिणेंयोग्यअसोविशयसुचयलोम्हूणहांवतिचेंउपकारआटय ता.फुडेंहांवसोदवावरकरपाकइत्सूकआसाहेंसांगपाककोंकणीअध्ययनशाखेचेसंचालक, डॉ. हनुमंतचोपडेकारहांचेकडेनगेलेंतेन्नातांणीम्हज्यासोदवावराच्याविशयाचीम्हायतीघेवनम्हाका सोदवावराकमान्यतायदिली.

वांगडासोदवावरकसोकितेंकरचोहाच्यासंदर्भांतम्हायतीदिवनतांणी योग्यवाटदाखयल्याखातीरतांचेंउपकारी.

हांवहॉस्टॅलांतरावतां. म्हाकारातचोअभ्यासकरपाचीसंवयदेखूनसोदवावराचेंकामहांवसदांचरातचेंघेवनबसतालें. अभ्यासा खातीरलायटीचालूदवरच्योपडटाल्योवाआवाजजातालोह्याखातीरवांगडारावपीभुमिजाच्यारी हाणेंम्हज्यारातच्याअभ्यासाककेन्नाचआनीकसलीचआडखळहाडलीना. तशेंचअभ्यासखंयपावलांहाचीतेंसदांचचवकशीकरतालें. ह्याताच्यासहकार्याकहांव ताकाकाळजांतल्यानदिनवासता.

प्रा. सोनियागडकरहांच्यामार्गदर्शनाखालाअभ्यासकरपाकदोनविद्यार्थीइत्सूकआसलींपूणतिणेंम्हा कास्विकारलें. तशेंचसोदवावरकरतानाम्हाकाजायत्योगजालीकळनाशिल्ल्योवामदींचवावरआडखळटालोते न्नाटिचरीनयोग्यत्योसुचवण्योदिवन,प्रबंधांतगरजेंचें ना तेंकाडूनम्हाका अभ्यासाची येग्य तीवाटदाखयली. ह्यापुरायप्रक्रियेंततिणेंआपलोजेवणाचोआनीकामाचोवेळम्हज्योअडीअडचणीसुदारपाकदिलो. मार्गदर्शनकरतानाकेन्नाचतीबेजारलीनावाम्हज्याकडेनजावचेंनाअशीयवागलीना. तिणेंआपलोमोलादीकवेळआनीमार्गदर्शनदिवनम्हाकाघडयलेंदेखूनहांवतिच्यारिणांतसदांकाळ रावतां.हांवें अभ्यासपाक घेतिल्ली कोंकणी मळावयली लेखिका शीला कोळंबकार हांच्यांनी

आपलो मोलादीक वेळ दिवन, म्हज्यो अडीअडचणी सुटाव्यो केल्यो तशेंच सोद वावर करपाक उर्बा जागयली ताचे खातीर हांव तांकां देव बरें करूं म्हणटा.

बऱ्याकामाकआडखळयेताच. आनीम्हाकायहोसोदवावरकरतानाजायत्योआडचणीआयल्यो. जेन्ना म्हजेसोदवावराचेरकामसुरळीतचलतालेंतेन्नाचम्हाजोलॅपटॉपमोडलो. अश्यावेळारम्हज्याएकाचउल्यारम्हज्योदोनूयइश्टीणीम्हाकापावली. प्रांजलचणेकारआनीलक्षदासावंतहांच्यानीमातूयफाटींफुडेंकरिनासतनादोंगायनीम्हाकाआपलो लॅपटॉपम्हाकाम्हजोप्रबंदपुरायकरपाकदिलो. सोदप्रबंधाखातीरम्हायतीएकठांयकरतानाम्हाकाआदारजालोतोग्रंथालयांचोआनीथंयसरलेमद तीकपावपीकर्मचाऱ्यांचो. हेम्हणल्यारगोंयविद्यापीठाचेंग्रंथालय, कृष्णदासश्यामागोंयराज्यग्रंथालयपणजी, दिवचलआनीसांखळेचेंतालुकाग्रंथालयतशेंचसरकारीकला, आदलींनेमाळींम्हाकामेळ्ळीतींसरकारीमहाविद्यालयसांखळेच्याग्रंथालयांत. हीसगळींनेमाळींबरेतरेनसांबाळूनदवरल्याखातीरमहाविद्यालयाचीआदलींकोंकणीविभागमुखे लीआनीम्हजीगुरूप्रा. सुनिताकाणेकारहांकांहांवदिनवासता.

तशेंचम्हज्याअभ्यासाचीसातत्यानवासपूसकरून, म्हाकाप्रोत्साहनदिवन, म्हाज्योअडीअडचणीसोडोवपीम्हाज्याइश्टीणींचें, खासकरूनम्हजी इश्टीण प्रजिता पागीहाचेंहांवउपकार आटयता. म्हज्यावांगडाम्हजो सगळ्यांत व्हडआदारम्हज्या वांगडा उबोरावपीम्हज्याव्हांवतीगांवचोजाग्याकारश्रीनिरंकारीवांगडाम्हजींआवय-बापूयआनीभावहांचेंहांवउपकारी.

शीलाकोळंबकारहांच्याकथांचोचिकित्सकअभ्यासहोसोदवावरपुरायकरतानासुरवाततेशेवटमेरे नह्यामहाज्यासोदप्रबंधाकनकळतखूबजाणांचोहातभारलागला. तांचेंदरएकट्याचेंहांव उपकारी. कोणाच्यामदतीचोउल्लेखजावंकनाजाल्यारहांवमुजरतमाफीमागता.

तुमीसगळयांनीआपलोभांगराळोवेळ, मार्गदर्शन दिवनतशेंचवेळारमदतीकधांवूनआयिल्ल्याम्हज्याबऱ्यामागप्यांचेहांवमनाकाळजांतसावनदेवब रेंकरूम्हणटा.

तुमचेंमार्गदर्शनहेंफकतइतल्याचपुरतीमर्यादीतनासूनताचोम्हाकाम्हज्यापुरायआयुश्यभरफायदो जातलो आनी तुमचो आदार म्हाका असोच फुडें लाबतलो अशीं आस्त बाळगितां.

दिव्या धनंजय गोवेकार

अभ्यासक

## प्रस्तावना

कोंकणी कथेचे मळ पळयत जाल्यार कोंकणी कथेक सुरवातेकच्यान बरोवप्यानी आनी वाचकांनी बरीच उखलून घेतिल्ली दिसता. दर एका लेखकान आपल्या तरेन तिका

सारें घालून फुलयल्या आनी फुडल्या पिळगेमेरेन पावयल्या. कोंकणी कथेच्या मळार दर एका लेखकान दिल्ले आपले आगळे-वेगळे योगदान पळोवन म्हाका कोंकणी कथेची आवड लागली. कोंकणींतल्योजायत्योकथाहांवेंवाचल्यात आनी तातूंतली एक म्हज्या मनांत घर करून रावली ती शीला कोळंबकार. शीलाकोळंबकारहांचो 'भूंयचाफी'होकथाझेलोजेन्नाहांवेंवाचलोतेन्नातोहेरकथा झेल्यापरसवेगळोदिसलोकारणतातूंततिणेंचडपांत्रांचेरभरदिला. दरएकपात्रआपल्यातरेनपरिपूर्णजाला. आशा, मोगा, रोशन, केरबा, मंदाहींकांयतातूंतलीव्यक्तिरेखाजींचडप्रभावीजाल्यात. उपरांतजेन्नाहांवेंतिचो 'गॅर्र'आनी 'कथाशील'हेकथाझेले वाचलेतेन्नाम्हाका शीलाबायचीकथेचीशैलीखूबभावली.

चवथ्यासत्राकसोदवावरकरपाच्यासंदर्भांतप्रा. सोनियागडकारहांचेकडेनजेन्नाउलयलेंतेन्नासोदवावरखंयच्याखंयच्याविशयाचेरकरूंयेताहाचेर चर्चाकरूनम्हज्याआवडीप्रमाणशीलाकोळंबकारहांच्याकथांचेरसोदवावरकरपाचेंथारायलें. म्हज्या अभ्यासाचो हेतू फक्त शीलाबायच्यो कथा आशिल्ल्यान मार्गदर्शकाकडेन उलोवन आमी शीलाबायचे 'ओलीसांज', 'गॅर्र'आनी 'कथाशील'ह्यातीनकथाझेल्यांनी आस्पाविल्ल्या कथांपुरतीम्हजोअभ्यासमर्यादीतदवरपाचोथारायलो. थारायल्या प्रमाणखंयच्याएकाचनदरेनतिच्यासाहित्याकडेनपळयनासतनाएकंदरतिच्याकथांचो अभ्यासचिकित्सकनदरेनअभ्यासपाचेंथारायलें. पूणचिकित्सकनदरेनअभ्यासतनासुध्दांतिच्योजायत्योकथाहांवेंवेगवेगळेनिकशलावन, समजूनघेवन, तांचेरचिंतनआनीमननकरूनहोम्हजोसुपुल्लोअभ्यासशीलाकोळंबकारहांच्याकथांचो चिकित्सकअभ्यासह्यामाथाळ्याखालातुमच्यामुखारसादरकरता.

शीलाकोळंबकारहांच्याकथांचो चिकित्सकअभ्यासहोसोदप्रबंधहांवेंसप्रकरणांनीविभागलां. पयल्याप्रकरणांतशीलाकोळंबकारहांच्याजिणेंविशींजाणूनघेतला. तिचे भुरगेंपण, साहित्याच्यामळारपावलघालतनातांचेप्रेरणास्थानकोणथारले, उपरांत तिणें कोंकणी साहित्याक दिल्ले वेगवेगळे तरेन योगदानांची म्हायती मेळोवनतिणें आयज मेरेनरचिल्ल्यासाहित्याचीवळखकरूनदिलां.

म्हज्या अभ्यासाचे लक्ष कथा ह्या साहित्यप्रकारचेर आशिल्ल्यान कथाम्हणल्यारकितेंहेंसमजूनघेवपाचोप्रयत्नदुसऱ्याप्रकरणांत केलां. हातूंतकथेचीव्याख्या, संकल्पना, स्वरूपकथेचेमुखेलघटकआनीप्रकारहेअभ्यासपूर्णरितीनमांडलां.आयजमेरेन आमचेकडेन जी कोंकणी कथा पावल्यात तिका सुरवात कशीं मेळ्ळी, खंयच्या खंयच्या लेखकांनी आपल्या लेखनांतल्यान तिका फुलयली, तशेंच कोंकणी कथेचे उजवाडाक आयिल्ले कथा संग्रह ह्या पुराय कोंकणीकथेच्याइतिहासाच्या वाटचालीचोनियाळ तिसऱ्या प्रकरणांत घेतलां. हें अभ्यासतनावेगवेगळेसंदर्भवापरल्यांत.

शीलाबायच्या कथांचो चिकित्सक अभ्यास हो म्हज्या सोद प्रबंधाचो उद्देश जाल्यान सगळ्यांत पयली शीलाबायच्या तिनूय कथा झेल्यांतल्या कथांनी आयिल्ल्या आशय-विशयांचो अभ्यास करून तांच्या कथांनी दिसपी नाविन्य चवथ्या प्रकरणांत मांडलां. हातूंततिणेंकथेंतहाताळिल्लेंसामाजीकविशयतशेंचतांच्याकथेंतलोसंघर्शदाखयला.

पांचव्या प्रकरणांतशीलाबायच्याकथेंतजींपात्रां आयल्याततत्यापात्रांक वेगवेगळेनिकशलावनअभ्यासकेला. हेंप्रकरणमुखेलपणांत,

तांच्याकथेंतलीअस्तुरीआनीदुसऱ्याभागांततिच्याकथेंतलोपुरूष अशींदोनतरेचीविभागणीकरून वेगवेगळया वृत्ती मनशां कशीं तांच्या कथांनी दिसता हे दाखयलां.

शीलाबायच्याकथेचेखाशेलपणम्हणल्यारतिची लेखनशैली जी तिका हेरांपासून वेगळीं करता. ह्यातिच्यालेखनशैलीचोअभ्याससव्या प्रकरणांतमांडलां. तातूंततिचीनिवेदनपद्दत, कथेंतलेसंवाद, कथेंतवापरिल्ल्योम्हणी, ओपारीतशेंचहेरउतरावळीचोह्याप्रकरणांतआस्पावकेलां. शीलाबायचीकथावाचल्याउपरांतएकंदरीतम्हकातिच्याकथेसंदर्भांतजें कितेंजाणवलेंतेंसातव्याप्रकरणांतनिश्कर्शरुपानमांडूनशेवटाकहोअभ्यासकरपाकज्यापुस्तकांचो , नेमाळयांचो, प्रपत्रांचोहांवेंआदारघेतलांतांचीआदारावळ शेवटाक दिल्या.

## मांडावळ


| प्रकरण | माथाळो | पा. क्र. |
|---|---|---|
| ▪ | **TITLE PAGE OF THE DISSERTATION** | **I** |
| ▪ | **DECLARATION BY STUDENT** | **II** |
| ▪ | **COMPLETION CERTIFICATE** | **III** |
| ▪ | **उपकार आटयतना** | **IV-VI** |
| ▪ | **प्रस्तावना** | **VII-IX** |
| ▪ | **मांडावळ** | **X-XI** |
| | | |
| **प्रकरण 1.** | **शीला  कोळंबकार हांचेंव्यक्तित्व आनी कर्तुत्व**<br>1.1 शीला कोळंबकार हांचो जल्म आनी भुरगेंपण<br>1.2 शीला कोळंबकार हांचो साहित्यीक प्रवास<br>1.2.1 शीला कोळंबकार हांका लाबिल्लो मान-भौवमान | 1-12<br>1-2<br>2-9<br>10-11 |
| | | |
| **प्रकरण 2.** | **कथेची व्याख्या, संकल्पना, आनी  स्वरूप**<br>2.1 कथेची व्याख्या<br>2.2 कथेची संकल्पना<br>2.3 कथेचें स्वरूप<br>2.4 कथेचे घटक<br>2.5 कथेचे प्रकार | 13-32<br>13-16<br>17-17<br>17-19<br>19-25<br>26-31 |
| **प्रकरण 3.** | **कोंकणी कथेचो इतिहासीक नियाळ** | 34-44 |

| | | |
|---|---|---|
| | | |
| **प्रकरण 4.** | **शीला कोळंबकार हांच्या कथांतले आशय-विशय**<br>4.1 शीला कोळंबकार हांच्या कथांतले समाजीक विशय<br>4.2 शीला कोळंबकार हांच्या कथांतलो संघर्श<br>4.3 शीला कोळंबकार हांच्या कथांतलें नाविन्य | 45-60<br>45-52<br>53-56<br>56-59 |
| | | |
| **प्रकरण 5.** | **शीला कोळंबकार हांच्या कथांतल्योव्यक्तिरेखा**<br>5.1 शीला कोळंबकार हांच्या कथांतली अस्तुरी<br>5.2 शीला कोळंबकार हांच्या कथांतलो पुरूष | 61-82<br>62-73<br>74-81 |
| | | |
| **प्रकरण 6.** | **शीला कोळंबकार हांच्या कथांतली लेखनशैली**<br>6.1 निवेदन शैली<br>6.2 संवाद लेखन<br>6.3 वातावरण निर्मिती<br>6.4 म्हणी आनी वाक्यप्रचार | 83-98<br>84-88<br>88-91<br>91-93<br>94-97 |
| | | |
| **प्रकरण 7.** | **निश्कर्श** | 99-104 |
| | | |
| ▪ | **आदारावळ** | 105-106 |

## प्रकरण –1

# शीला कोळंबकार हांचेंव्यक्तित्व आनी कर्तुत्व

दर एक साहित्य निर्माण जावपाफाटल्यान कांय कारणां आसतात. आनी हीं कारणां लेखकाच्या भोंवतणचीं आसतात. लेखकाच्या भोंवतणी जें कितें घडटा ते ताका सतायतात आनी हेच प्रस्न, भावना, उमाळे तो लेखनाचो आदार घेवन साहित्याच्या रुपान समाजामुखार मांडटा. जें साहित्य आमी वाचतात वा अभ्यासतात तेंजर बरें तरेन आमकां समजतलें जाल्यारते साहित्य जल्माक घालपी, म्हणल्यार लेखकाक जाणून घेवप म्हत्वाचें. मनशाच्या सरभोंवतणी जें घडटा, ताचे वयल्यान ताची मानसिकता घडटा. तो कितें पळयता, सोंसता ताचेंच पडबिंब आमकां ताच्या साहित्यांत दिसता. देखून लेखकाक जाणून घेतल्यार ताचें साहित्य बरेंतरेन समजतलें.

## 1.1 : शीला कोंळबकार हांचो जल्म आनी भुरगेंपण

विसाव्या शेंकड्यांतली कोंकणी कथा बरोवप्यां मदली एक स्त्री-कथाकार म्हणल्यारशीला नायक. आतांची शांतालक्ष्मी तुकाराम कोळंबकार लग्नापयलींचे नांव शीला मर्तो नायक. ‘मात बापूय तांका मोगान ‘खांप्री’ म्हणटालो. शीलाबाय आपलें साहित्यीक नांव शीला कोळंबकार अशेंचआपणायला. आवयचें नांव रुक्मीणी आनी बापायचें मर्तो

नायक. सांत भावंडा मदली ही पांचवी चली.'[1] शीला नायक हांचो जल्म ११ मार्च १९४५ दिसा पणजे तिसवाडी तालुक्यांत जालो.

शीलाबायचेंमुळावें चवथे मेरेनचे शिकप सरकारी प्राथमीक रामदास शाळा, सांतीनेझ, पणजी - गोंय ह्या शाळेंत मराठींतल्यान जालें. मागीर ११वी मेरेनचे कस्तुबा मातोश्री हायस्कूल, पणजी- गोंय ह्या मराठी शाळेंत पुराय केलें. इकरावी पास जाल्या उपरांत लेखिकेन स्वता खोशयेन बी.ए.च्या शिक्षणाखातीर मिरामारच्याधेम्पेमहाविद्यालयांत दाखलो घेतलो. लेखिकेचे मूळ शिकप मराठींतल्यान जाल्ल्यान ह्या कॉलेजींतले इंग्लीशिंतलें शिक्षण तांका कठीण वयतालें. तरीय आसतना तिणें शिक्षण पुराय केलें. 'लेखिकेन इंग्लीश, हिन्दी आनी मराठी विशय घेवन1965वर्सा मुंबय विद्यापीठांतल्यान बी. ए. हॉनर्सची पदवी जोडली. फुडें सेण्ट लॉरेन्स हायस्कुलांत नोकरी करतना1968वर्सा गोमंतक राष्ट्रभाषा सभेची हिंदी पडींत ही परिक्षा पास करून ती पुराय गोंयांत पयली आयली.१९६६-१९६९ वर्सांमेरेन सेण्ट लॉरेंस हायस्कूल आगशी गोंय हांगासर सहाय्यक अध्यापिकेचे आनी उपरांत १९६९-१९७२ सान्तारक्रूज हायस्कूल- गोंय हांगा मराठी आनी हिन्दी हे दोन विशय शिकोवन विद्यादानाचे पवित्र काम केलां.'[2]

1973 वर्सा तिचें लग्न, कोडीबा, कारवारचो तुकाराम बुदो कोळंबकार हांच्या वांगडा जालें. घरकाराच्या कामा निमतान ती कारवारच्यान मुलुंड, मुंबय पावली. लग्ना उपरांत तिणें नोकरी सोडली मात आपल्या लेखनाक खंड पडपाक दिलो ना.

## 1.2 : शीला कोळंबकारहांचो साहित्यीक प्रवास

आपले तरेन वेगवेगळीं व्यक्तिरेखा आनी खाशेली शैली कोंकणी कथेंत हाडून कोंकणी कथेची उंचाय वाडोवपी अशी एक लेखिका म्हणल्यार शीला कोळंबकार. खास करून पात्रचित्रणांचेर भर दिवपी लेखिका म्हणटा, "जिणेक काय अर्थ ना. हे निरर्थक जिणेक अर्थ हाडपाक आपल्याक खंयचे तरी कलेचो आदार घेवचो पडटा. भावताप विसरून खंयचे तरी कलेंत बुडोवन घेवन आपली जीण अर्थपूर्ण करपाची आसता."[3]जिणे वांगडा साहित्याक अशें तरेन ती फुडें घेवन वयता.

शीला कोळंबकार हांचो लेखन प्रवास कवितेंतल्यान सुरू जालो. सुरवातेक तिणें जायत्यो कविता बरयल्यो पूण कांय काळांत तें लेखन बंद पडलें आनी ती आपउलोवपां बरोवपाक लागली. अशें म्हणटात जिवितांत घडिल्यो घडणुको आमकां बरोवपाक प्रवृत्त करता वा आमच्या भितर आशिल्ली ती लेखकाची प्रतिभा जागयता. आनी लेखिकेच्या बाबतींत अशेंच घडिल्लें दिसता. ती ल्हान आसतना पणजे म्हालक्ष्मीच्या देवळांत नाटकां खूब पळयताली. 'विद्याहरण' नाटकांत कच आनी देवयानीचें लग्न जायना हें तिका खटकतालें. लेखिका आपल्या लेखनांतल्यानतें बदलून,तांचे लग्न करून दिवपाचे चित्ताली. अशें तरेनतिच्या लेखनाक सारें पडलें तें फकत घडणूकांचेंच न्हय तर तिच्या वाचनांचें आनी कांय म्हत्वाच्या व्यक्तींचें लेगीत तितलेंच योगदान आसा. दिवाळेक जे तिका पयशे मेळटाले तातूंतल्यान ती दिवाळी अंक हाडून वाचताली, शाळेंत हिन्दीच्यो परिक्षा दिताना तिणें बंगाली लेखक शंकर हांचे 'चौरंगी' सारकें पुस्तक वाचलें.कॉलेजींत प्रॉ. एस. एस नाटकर्णी सर मेळळे तांणी तिका पुस्तकांत, दोन वळींचे मजगती जें लिपिल्लें आसता तें कशें वाचप हें शिकयलें. अभिजात साहित्य म्हळयार कितें?तें कशें आसता तें सांगलें. चिरंतन साहित्याचे

निकश किर्तें? कित्याक लागून एक साहित्य वयल्या पांवड्यार पावताअश्या साबार सुत्रांची वळख आनी सामाजीक जाणविकाय करून दिली. नेमाडे, चिं. त्र्यं. खानोलकर वाचून घेतलेंतशेंच हिंदी शिकताना जयशंकर प्रसाद, महादेवी वर्मा, सुमित्रानंदन पंत, दिनकर ह्या कवींचो अभ्यास केलो. प्रेमचंद्र ते शतरचंद्र मुक्तीबोध वाचलो. मण्टो, कृष्णचंदर, इस्मत चुगताय, अमृता प्रीतम, मन्नु भंडारी, मोहन राकेश असल्या लेखकांच्या दर्जेदार साहित्याचो अभ्यास जालो. आनी हे वाचन तिच्या लेखनाक प्रेरणाकारक थारलें.

बी. ए.शिकतना नाडकर्णीसरानकॉलेजमॅगझिनाखातीरलेखिकेकडेन साहित्य मागलें आनी तेन्ना तिणें 'छाया' नांवांची पयली कथा मराठींतल्यान बरयली. ह्या कथेकनाडकर्णीसराकडल्यान लेखिकेक खूबकौतूक आनी लेखनाखातीर प्रोत्साहन मेळ्ळें.लेखिकेचो बापूय 'टायम्सऑफइंडिया' होपेपर,'इलस्ट्रेटेडव्हीकली','टायमस्मॅगझिन' हाडटालो आनी जितलें ताका वाचपाक येता तितलें तो आपल्या भुरग्यांकवाचूनदाखयतालो. 'टायम्स ऑफ इंडिया' हाचेर येवपी 'यु सेड इट बाय लक्षम्ण'हें कार्टुन तो समजावन सांगतालो. आनी अश्या तरेन व्यंगचित्रां हीं कितल्या थोड्या रेखांनी कितलीं अर्थपूर्ण आसता हाचो दिश्टावो लेखिकेक जालो.

“साहित्यकृतींत अल्पाक्षरत्वाचें कितलें महत्त्व आसता, त्याचबरोबर सूचकपणान, विनोदाचें रुपडें दिवन कितल्योशोच गजाली दाखोवंक मेळटा हाचेर म्हजें चिंतन सुरू जालें. म्हाज्याबरपांत केन्नाय किदें विनोदी, मिस्कील, मार्मीक बरप आयलां तें बाबान दाखयल्या ह्या व्यंगचित्रांच्या संस्काराक लागून”[4] अशें तरेन लेखिका आपल्या लेखनांत आपल्या बापायचें योगदान मानता.

लेखिकेन पयली कोंकणींत कथा बरयली ती 'गॅरे'. ही कथा तिणें मराठींत बरोवपाक सुरवात केल्ली पूण,'आयतार फुलयता' ह्या उतराक मराठी उतर मेळना जालें. आनी तेन्ना ती म्हणटा, "मागीर हांवें चितलें.हांव कोंकणीत येवजितां आनी बरयता मराठींत. 'आयतार फुलोवप' ह्या उतरांक जो कोंकणींत सुंदर अर्थ आसा तो दुसरे खंयचेच भाशेंत ना. कोंकणींतल्या उतरांक जी सोबितकाय आसा ती दुसरे भाशेंतल्या उतरांक ना."[5]हांगां लेखिकेक कोंकणी भाशेचो दिश्टावो जाल्लो दिसता.

ओपिनियनपोला उपरांत'राष्ट्रमतान' आयोजीत केल्याकथास्पर्धेंत तिच्या'गॅरे' ह्या कथेक पयलेंइनामफावोजालें. ह्या कथेन तिका पयलो वाचक दिलो तो रत्नाकांतपावसकर. उपरांत प्रो. प्रकाशथळीआनीश्री. सांतानरॉड्रिगजहांणी 'गॅरे'कथेचोइंग्लीशींतअणकारकेलो. फुडें ती फॅमिना ह्या नेमाळ्यांत प्रसिद्ध जाली. मुखार ह्या कथेचो आल्बर्त नोरोन्हा हांणी पोर्तुगेजींत अणकार केलो. तेन्ना ती कथा इंग्लंडच्या लीडस् युनव्हर्सिटी मार्फत लिस्बन मेरेन पावली. शीलाबायच्यो अश्योच जायत्यो कथा बाब मुकेश थळीन इंग्लीशींत अनुवादीत केल्यो.

1973 वर्सा ऑगस्ट म्हयन्यांत'ओली सांज'[6]हो शीलाबायचो पयलो वयलो कथा झेलो जाग प्रकाशनान उजवाडायलो. डॉ. मनोहरराय सरदेसाय हांणी ह्या कथासंग्रहाक प्रस्तावना बरयलां तशेंच 'कथाशिल्प' ह्या आपल्या समिक्षणात्मक पुस्तकांत शीलाबायच्या ह्या कथांचेर चर्चाय केला. ह्या कथा संग्रहांत 'खेळ', 'विद्येच्यान तर', 'चलये आवय', 'मॅगी' सारकेल्यो मेळून 17 कथा आसात. ह्या संग्रहांतली एक कथा म्हणल्यार 'मॅगी' ही फामाद कथा जी एका ल्हान भुरग्याच्या मानसिकतायेचेर आदारून आसा. 'वाऱ्यावयलें सपन' ह्या कथेंत आमकां भाविण ही संकल्पना दिसता. 'चलये आवय' ह्या कथेंत एका वयार

आयिल्ल्या चलयेच्या आवयची तळमळ दिसता. तर तरणाट्या पिरायेचेर भुरग्यांक मोगाचें पिशें लागप आनी हेर जायत्या गजालींचो तांचेर कसो परिणाम जाता हे ‘मोग’ ह्या कथेंत दिसता.

आपलो लेखन प्रवास लेखिका सांगता,“सातवेंआठवेकआसतनासानाचम्हाकांप्रस्नपडटाले, हांवकोण? खंयच्यानआयलां? खंयवता? जीवनम्हळयारकितें? लोकभायरवेगळेभीतरवेगळेअशेकित्याकवागतात? हींझगडीं, इतलोंआटोपिटोकित्याकचल्ला? ह्याप्रस्नांच्योजापोहांवसोदूंकलागले. ह्याप्रस्नांच्योजापोसोदतांतितलेआनीप्रस्नउप्रासूनयेवंकलागले, ह्याचिंतनांतल्यानहांव जीवनाच्या सत्याचो ,सोद घेवंक लागले. म्हज्या ह्या चिंतनांतल्यान कितल्योशोच साहित्यकृति निर्माण करपाक प्रेरणा मेळ्ळी. जापो सोदपाचे प्रक्रियेच्या धडपडीचें रूपांतर कलात्मक साहित्यकृतीनी जालें.”[7]आनी अश्या विचारांतल्यान लेखिका साहित्यावटेन वळ्ळीं.

शीलाबाय लग्नजावनमुंबयपावलीआनी थंयतांच्या कथांकव्हडकॅनव्हासमेळ्ळो अशें ती मानता. कारणमुलुंडाक मद्रासी, मल्याळी, गुजरातीआनीकच्छी आशीं वेगवेगळया जाती-धर्मांताले तिका शेजारीमेळ्ळे.[8]आनी ही पात्र स्वरूपान आमकां तांच्या कथेंत दिसता. ती म्हणटा, “तांचेकडेनहांवेंइश्टागतकेली. कॉस्मोपोलिटनदर्यांतहांवबुडूनगेलें. म्हजेअणभवविश्वविस्तारलें. बहुआयामीआनीविविधांगीरंगांनीतेंनटलें. तांच्योरुढी, परंपरा, सण, उत्सवतांचीसंस्कृतीम्हाकाकळी. हांगा म्हाकाअन्नामामी, ओमना, कामवाली, सीमा, केरबा, पुरसोआनीहेरव्यक्तिचित्रांमेळ्ळीं.”[9]

‘घटना प्रसंगाचो अन्वय लावचेपरस एकाद्र्या मनशाच्या व्यक्तित्वाचो अन्वय लावप ही गजाल ताच्या मनाक चड भावता. अशें घडटा, तेन्ना तो बरोवपी आपसूकच कथे कडल्यान व्यक्तिचित्रा कडेन वळटा’[10]शीलाबाय भुंयचाफीं हो व्यक्तिचित्रणात्मक कथा झेलो बरोवपा फाटलें आपले मत प्रॉ. एस. एस. नाडकर्णी आपल्या बरयल्या भुंयचाफींच्या प्रस्तावनेंत मांडटा.

शीलाबायचो ‘भुंयचाफीं’[11] हो कथा झेलो 1994 वर्सा जाग प्रकाशनान प्रकाशीत केलो. 18 व्यक्तिचित्रणाह्या कथा झेल्यांत आस्पावल्यात. ‘पोसकें’ सारकेल्या कथेंतल्यान आमकां पोसकें घेवपाची एक सामाजीक वेवस्था दिसता तशेंच रिती-परंपरां दिसता. आपल्याक पोसकें घेतला हें जेन्ना मोगाक कळटा तेन्ना ताच्या मनाची जाल्ली अवतिकाय काळजाक पीळ घालता.  गोंय स्वतंत्र्यताये उपरांतची परिस्थिती आनी त्या काळार सोरो चोरयां कसो व्हरप जातालो हाचें चित्रण ‘तेजा’ ही कथा करता. ‘मुळये’ आनी ‘केरबा’ ह्या कथेंतल्यान आमकां पारंपारीक वेवसायांचो उल्लेख मेळटा. ह्या तिच्या खाशेल्या व्यक्तिचित्रणात्मक कथा संग्रहांत वेगवेगळया स्वभावाची आनी विचाराची मनशां दिसतात.

1996वर्सा प्रकाशीत जाल्लें ‘तेजस आनी ओजस’[12] हे बाल साहित्याचे पुस्तक राजहंस प्रकाशनान उजवाडाक हाडलें. आपले चल्यांच्या वागणूकेक पळोवन लेखिकेन बरयल्लें हें पुस्तक. धाकट्या भुरग्यांक बरें बोध दिवपी मुद्दे घेवन हें पुस्तक बरयलां. जशें आवयचे कश्ट, शेतकाराचे म्हत्वभारतीय संस्कृती, टी. वीचेर येवपी जायरातींचो भुरग्यांचेर परिणाम आनी जायत्या कुवाड्यांच्योय आस्पाव केला. ह्याच वर्सा लेखिकेन मूळ बंगाली भाशेंतलो कथा संग्रह ‘परजळती धोल’ ह्या नांवान कोंकणींत अणकार केलो. हे अणकारीत पुस्तक नॅशनल बुक ट्रर्स्टच्या वतीन उजवाडाक हाडलें.

2004 वर्सा लेखिकेन डोंगरी भाशेंतलो कथा झेलो 'भांगराचें सुकणें'[13] ह्या नांवान कोंकणीत अणकारीत केलो. हाचो मुळ बरोवपी ओम् गोस्वामी. एकटोच रावपाक सोदपी अश्या भुरग्याचेर आदारीत 'पंकज'[14]हें बाल साहित्याचें पुस्तक बरोवन, 2005 वर्सा भुमी प्रकाशनान उजवाडायलें.

2007 वर्सा शीला कोळंबकार हांचें दोन कथा झेले उजवाडाक आयले. पयलो 'गॅर'[15] हो 22 कथांचो झेलो उजवाडाक आयलो. हें पुस्तक गोवा कोंकणी अकादेमीच्या साहित्यप्रभा येवजणेखाला छापून, अपुरबाय प्रकाशनान उजवाडायले. 'गॅर', 'शील', 'आपलो मनीस', 'डॉली','एक इंतेर पादीकाराचेर', 'कंवळे मन' अश्यो म्हत्वाच्यो कथा ह्या संग्रहांत आस्पावल्यात. तशेंच हातूंतल्यो कांय कथा जाग, कुळागर, चित्रंगी, ह्या दिवाळी अंकांत पुर्वप्रसिध्द जावन आयल्यात. 'हांव वांजूड न्हय' सारक्या कथेंतल्यान भुरगें जायना जाल्यार बायलेक समाज कसो खेपता, तशेंच बायलेक समाजान घालून दिल्ली बंधना दिसता. बायल सोरो पियाता हो आधुनीक विचार 'नवी पिडा' ह्या कथेंत दिसता. उपरांत दुसरो तिचो कथा झेलो गोवा कोंकणी अकादेमीन उजवाडायलो. 'कथाशील'[16]ह्या कथा झेल्यांत 18 कथा आस्पावल्यात. ह्या कथा झेल्यांतल्या भुरग्यांची मानसीकताय दाखोवपी एक कथा म्हणल्यार'भुरगीं-जाण्टी', 'सावित्री' सारक्या कथेंतल्यान समाजांत चेडे आनी चेडवांमदीं केल्लो भेदभाव दिसता. अश्यो आनीक जायत्यो कथा आसात. उपरांत 2010 वर्सा'फायर ऑन मावन्टन' ही मूळ इंग्लीश कादंबरी कोंकणींत 'दोंगरावेलो उजो'[17]ह्या नावांन अणकारीत केली. 2012 वर्सा 'कावळया काक्या रे' हें बालसाहित्य उजवाडाक आयले.

2013 वर्सा ‘शीला लेख’[18] हें तांचें व्यक्तिचित्रांचेर आदारील्ले पुस्तक जे पुरायपणान तिच्या जिणेंतल्या कांय खाशेंल्या व्यक्तिंचेर आदारीत आसा. हें पुस्तक कला आनी संस्कृती खात्याच्या लेखकांक आर्थीक पालव येवजणे खाला छापला आनी श्री रामेश्र्वर प्रकाशनान प्रकाशीत केला. हातूंत लेखीकेची घरचीं, तिच्या लेखनाक आदार दिवपी नाडकर्णी सर, माधव बोरकार, रमेश भगवंत वेळुस्कार हांचेर ललीत लेख आसा.

लेखिका आपल्या लेखनतंत्रा विशीं सांगता, “हांव निवेदनात्मक शैलीन बरयतां, ताका लागून चडशा लोकांक दिसता हांव म्हजेवेल्यानूच सगलें बरयता. हांव म्हज्या भोंवतणी जें कितें घडटा ताचेर बारीक लक्ष दवरता, स्वता जें कितें अणभवला नाजाल्यार दुसऱ्यांचे अणभव आयकल्या, खबरांपत्रांनी वाचल्यात ते कल्पनेच्या आदारान तांकां कलात्मक रूप दिवन वाचप्यामुखारमांडटा.”[19]

शीला कोळंबकार हांणी कोंकणीक धरून जायती हेर बरपावळ केला. ‘जशें बिम्ब मासिकांत ‘आंबट-तीख’ ह्या सदरांत ती ‘शीलाचो रेसीपी बुक’ ह्या माथाळ्याखाला तिणें जेवणाच्यो रेसिपी उजावाडाक हाडल्यात.’[20] लेखिकेक प्रवास करपाची खूब आवड आनी हे प्रवास करताना तिणें मेळयल्ले अणभव आमकां मुखार ‘व्हॉली ऑफ फ्लावर्स’,‘जुले जुले’,‘होमकुंड’, ‘ब्रम्हकमळां’, आनी ‘चक्राता’ ह्या रूपांतल्यान मेळ्ळे. तशेंच जाग, कुळागर, चित्रंगी, बिम्ब ह्या वर्सुकी अंकांत तांचे लेख येताले आनी आजूनय कांय अकांत तिचे बरप येता.अशें तरेन शीलाबायचे साहित्य आयज आमकां कोंकणी मळार पळोवपाक मेळटा.

## 1.2.1 : शीला कोळंबकार हांकां लाबिल्लो मान-भौवमान

शीलाबायच्या कोंकणी साहित्याची वळेरी पळयल्यार तिणें कोंकणी साहित्याच्या मळार भरीव अशें योगदान दिल्ले दिसता. तिच्या ह्या योगदानाखातीर कोंकणी तशेंच हेर संस्थानी शीलाबायच्या वावरखातीर तांकापुरस्कार दिवन भौवमानीत केलां.

'सगळयांत पयलीं एक कोंकणी लेखक म्हूण शीलाबायक तांच्या कोंकणी कथेंक इनाम मेळें तें ओपिनियनपोलाउपरांत 'राष्ट्रमतान' आयोजीत केल्याकथा स्पर्धेंत, तिच्या'गॅरें' ह्या कथेक पयलें इनाम फावो जालें.'[21] हांगा सरल्यान तिच्या लेखनाची जाणकारांकडल्यान तोखणाय जावपाक लागली. 'ओली सांज' ह्या तांच्या पयल्या कथा झेल्याक 'गोवाकलाअकादेमीचो राज्यपुरस्कार' 1975 वर्सा मेळो. 'गॅरें'ह्या कथा झेल्यांतल्या पयल्या गॅरें' ह्या कथेक विपुलाह्यातेलगूमासिकांतएकुणीसभासांतलेअणकारकथासर्तींत 'कोंकणीविभागाचे'पयलेंइनाम 1987 वर्सा मेळ्ळें. 1997वर्सा 'गोवन रिव्ह्यू' चो उत्कृष्ट साहित्य निर्मणी पुरस्कार मेळून ती सम्मानीत जाला. 'भुंयचाफीं' ह्या व्यक्तिचित्रणात्मक कथा झेल्याक 1997 वर्साचो 'साहित्य आकादेमी पुरस्कार' फावो जालो. 1998वर्सा जानेवारी म्हयन्यांत मडगांवा जाल्ल्या 14व्या अखिल भारतीय कोंकणीसाहित्य संमेलनाच्या अध्यक्षपदाचो मान तिको फावो जाल्लो. हो मान मेळपी ही इतिहासांतली पयली बायल.

2002-2007ह्या काळांत साहित्य अकादेमी, नवी दिल्ली हांगांसर सल्लागार मंडळाचेवांगडी पदाचो वावर तिणें केलां. तशेंच 2003-2007या काळांत कोंकणी भाशा मंडळच्या(मुंबय)वेवस्थापकी समितीचेवांगडी पदाचो मान शीलाबायक मेळा. उपरांत 2003वर्सा राष्ट्रीय पुस्तकालय, भारत सरकार कोलकाता आनी एशियाटीक सोसायटीमुंबयचे वतीन मुंबयत 'मीट द ऑथर' चो मान तिका फावो जाला. शीलाबाय मुबंय स्थायीक जाल्यान तिणें कोंकणीखातीर वावर चालूच दवरलो आनी देखून 2005वर्सा मुंबय रावन कोंकणीची सेवा केल्ले खातीर गोवन रिव्हयूचे वतीन ती भोवमानीत जाला.

2006वर्सा मुंबयंत, तिसरें आंतरराष्ट्रीय मैथिली संमेलनात 'मिथिला रत्न' साहित्य निर्मणी पुरस्कारशीलाबायक फावो जालो. 'भांगराचें सुकणें' ह्या अणकारीत कथा झेल्या खातीर साहित्य अकादेमीचो 2007 वर्साचो अणकार पुरस्कार मेळ्ळो. 2012वर्सा कोचींत, सॅमसंग इलेक्ट्रॉनीक्स आनी साहित्य अकादेमीच्या वतीन चोवीसभारतीय भाशा मदल्या कोंकणी खातीर आशिल्लो रवीन्द्रनाथ टागोर लिटरेचर अवॉर्डान ती सम्मानीत जाला. फुडें 2014वर्सा मंगळुरांत विमला वि. पै विश्व कोंकणी साहित्य पुरस्कार तिका लाभलो.2015वर्सा साहित्य अकादेमी आनी इन्स्टिट्यूट मिनेझीस ब्रागांझा, पणजे गोंय हांचे वतीन 'मीट द ऑथर'चो मानतिका मेळ्ळो.

शीला कोळंबकार ही फकत पुरस्कार आनी भोवामन मेळून सम्मानीत जावंक ना तर तांचे जायते साहित्य हेर भारतीय भासांनी अणकारीत जालां. साहित्य अणकार जावप हें एका लेखकाखातीर सगळ्यांत व्हडचे जैत. तांचे कांय अणकार जाल्ले साहित्य म्हणल्यार, 'मे 2018 वर्सा चिन्मय मधु घैसास हांच्या रेशीमगाठी – निवडक कोकणी ललित निबंधांचा अनुवाद' ह्या झेल्यांत गुलमोहर, छिमकणी, मिकी, कारवार एक अनुभव, लोणचे ह्या

शीलाबायच्च्या निबंदांचो अनुवाद जालां. 'बापूय, पूत आनी हांव' ह्याशीलाबायच्या कथेचो हिन्दींत 'पिता, पुत्र और मैं' ह्या माथाळ्याखाला डॉ. चंद्रलेखा हांणी अणकार केलां. तशेंच तांचें साहित्य कन्नड सारकिल्या भासांनी अणकारीत जालां.अशें तरेन शीलाबाय एक व्यक्ति आनी  साहित्यीक म्हूण भोवमानीत जालां. तशेंच तांचे साहित्य भारतांतल्या हेर भासांनी वचून जागतीक पांवड्यार तिचो आयज कोंकणीं लेखक म्हणून उल्लेख करतात.

**संदर्भवळेरी**

---

1कोळंबकार, शीला.*शीला-लेख*. सारंगधर, कविता कॉम्प्लॅक्स आदर्श कॉलनी मुखार करंझाळें पोस्ट ऑफिस. गोंय: श्रीरामेश्र्वर प्रकाशन, 2012, पा. 21-22.

2 *'मीट द ऑथर – शीला कोळंबकार'*,साहित्य अकादेमी, दिल्ली. 27 ऑगस्ट 2015

3नायक, जयंती. "म्हजो लेखन प्रवास"*अनन्य*,पाटोकॉलनी-पणजीगोंय: गोवाकोंकणीअकादेमी,वर्स2, अंक-3 जुलै-डिसेंबर 2015, पा. 136.

4वयलेच संदर्भ. पा. 134.

520 एप्रील 2023 ह्या दिसा सांजे 4 वरांचेर शीला कोळंबकार हांची घेतिल्ली मुलाखत.

6कोळंबकार, शीला.*ओली सांज*. प्रियोळ, म्हाड्डोळ-गोंय: जागप्रकाशन, 1973.

7नायक, जयंती. "म्हजो लेखन प्रवास", *अनन्य*.पाटोकॉलनी-पणजीगोंय: गोवाकोंकणीअकादेमी, वर्स-2, अंक-3 जुलै-डिसेंबर 2015, पा. 135.

820 एप्रील 2023 ह्या दिसा सांजे 4 वरांचेर शीलाकोळंबकार हांची घेतिल्ली मुलाखत..

9 वयलोच संदर्भ.

10कोळंबकार, शीला. *भुंयचाफीं*. प्रियोळ, म्हाड्डोळ-गोंय: जाग प्रकाशन, 1994, 5.

11 वयलोच संदर्भ.

12कोळंबकार, शीला. *तेजय आनी ओजस*. 1-मीनाक्षी बिल्डिंग, डॉ. व्होल्फांगु द सिल्व्ह मार्ग, पणजी:राजहंस वितरण, 1998.

13कोळंबकार, शीला(अणकारपी).*भांगराचें सुकणें*. साहित्य अकादेमी दिल्ली: साहित्य अकादेमी, 2004.

14कोळंबकार, शीला.*पंकज*. सावर्शे-सत्तरी गोंय: भूमि प्रकाशन, 2005.

15कोळंबकार, शीला. *गॅरॅ*. वळवयफोंडेंगोंय: अपुरबायप्रकाशन, 2007.

16कोळंबकार, शीला. *कथाशील*. 243, पाटोकॉलनी-पणजीगोंय: गोवाकोंकणीअकादेमी, 2007.

17कोळंबकार, शीला(अणकारपी). *दोंगरावेलो उजो*. साहित्य अकादेमी दिल्ली: साहित्य अकादेमी, 2010.

18कोळंबकार, शीला.*शीला-लेख*. सारंगधर, कविता कॉम्प्लॅक्स आदर्श कॉलनी मुखार करंझाळें पोस्ट ऑफिस. गोंय: श्रीरामेश्र्वर प्रकाशन, 2012.

1920 एप्रील 2023 ह्या दिसा सांजे 4 वरांचेर शीला कोळंबकार हांची घेतिल्ली मुलाखत.

[20] कोळंबकार, शीला. “आंबट-तीख”, संपादक दिलीप बोरकार, बिम्ब. वर्स-3, अंक : 26. 2004

[21] 20 एप्रील 2023 ह्या दिसा सांजे 4 वरांचेर शीला कोळंबकार हांची घेतिल्ली मुलाखत.

## प्रकरण - 2

# कथा : व्याख्या, संकल्पना,आनी स्वरूप

मनीस साहित्यांतल्यान जेन्ना व्यक्त जालो, तेन्ना ताणें आपल्यो भावना साहित्याच्या तरेकवार प्रकारांनी मांडल्यो आनी अशें करून साहित्याचे वेगवेगळे प्रकार तयार जाले. साहित्याचे मुखेल दोन फांटे म्हणल्यार गद्य आनी पद्य. गद्य साहित्यांत आमकां कथा, कादंबरी, निबंद, नाटक आदी प्रकार मेळटा. तर पद्य साहित्यांत कविता आनी कविचे हेर उपप्रकार मेळटात. दर एकट्याक आपले अशेंविशेश गूण-धर्म आनी खाशेलपणां आसा जे तांका हेरां पासून वेगळे करता देखून साहित्याचो दर एक प्रकार आपल्या तरेन परिपूर्ण जाला.

## 2.1 : कथेची व्याख्या

कथा हो कथात्मक साहित्यांतलो सगळ्यांत ल्हान पूण कमीच उतरांनी व्हड आशय दिवपी साहित्यप्रकार. कथा मनशा इतलोच आदलो साहित्यप्रकार. काळावांगडा कथा बदलत गेली, लेखकांनी कथेक वेगवेगळ्या शैलीन बरोवपाचो आनी आकार दिवपाचो प्रयत्न केलो. तशी काळांतरान ती विकसीत जायत गेली. कथेचे नवे गूण तशेंच खाशेलपणां वाडपाक लागलीं. अश्या तरेन कथा म्हणल्यार कितें हें सांगपाचो प्रयत्न जायत्या भारतीय आनी पाश्चात्य जाणकारांनी केला.

**भारतीय जाणकारांनी दिल्ल्यो व्याख्या :**

i. दामोदर मावजो- *"खासा/विशिश्ट एकमुळो परिणाम सादपा खातीर ल्हानशें कथानक, मर्यादीत व्यक्तिरेखा आनी वेंचीक घडणुको हांचो एकजीव निर्मणेचो गद्य साहित्य प्रकार म्हळ्यार कथा."*[1]

ii. डॉ. प्रकाश पर्येंकार- *"जी गजाल सांगल्या उपरांत सुरू जाता ती कथा"*[2]

iii. प्रा. न. सि. फडके- *"कमीत कमी पात्रे आणि कमीत कमी प्रसंग वापरून थोड्या वेळात परिणामकारक रितीने सांगितली व ऐकणाऱ्याच्या मनावर एकच एक ठसा उमटविणारी हकीकत म्हणजेच कथा होय."*[3]

थोडीच व्यक्तिरेखा आनी प्रसंग वापरून, थोड्याच वेळांत परिणामकारक रितीन सांगप जाचो परीणाम वाचप्याचेर शेवट मेरेन उरता ती कथा.

iv. कोलाहलाचार्य- *"प्रबन्धकल्पनां स्तोकसत्यां प्राज्ञा: कथा विदु: |"*[4]

कथा म्हणल्यार कल्पनेन तयार जाल्ली आनी जातूंत सत्य आसा अशें तज्ञांचे मत.

v. मुंशी प्रेमचंद-*"कहानी एक ऐसी रचना है जिसमें जीवन के किसी एक अंग या मनोभाव को प्रदर्शित करना लेखक का उद्देश्य रहता है। उपन्यास की भाँति उसमें मानव जीवन का संपूर्ण रूप दिखाने का प्रयास नहीं होता और न हो उसमें उपन्यास की भाँति विविध रसों का संमिश्रण होता है। कहानी एक रमणीय उद्यान नहीं जिसमें भाँति-भाँतिके फूल, बेल-बूटे सजे हुए है। कहानी एक ऐसा गमला है जिसमें एक ही पौधे का माधुर्य अपने समुन्नत रूप में दृष्टीगोचर होता है"।*[5]

कथेंतल्यान लेखकाचो मुखेल उद्देश म्हळ्यार मनशाच्या जिणेंतल्या खंयच्या एका घडणूकेचे कथन करप. ती कादंबरी सारकी आसची न्हय. कथा बाग न्हय जातूंत तरेकवार फुलां-झाडांआसतात तर ती एक कुंडली जातूंत एकूच रोपो आसता जो आमकां प्रगत स्वरूपांत दिसता आनी स्वता परिपूर्ण आसता.

vi. हिंदी साहित्यकोश-*“कहानी गद्य साहित्य का एक छोटा अत्यंत सुसंघटीत और अपने में पूर्ण कथारूप है।”*[6]

कथा गध्य साहित्याचें अशें एक रूप जें वेवस्थीत आनी परिपूर्ण आसा.

**पाश्चात्य जाणकारांनी दिल्ल्यो व्याख्या :**

vii. एडगर एलन पो-*“A prose narrative requiring from half an hour to one or two hours in its perusal."*[7]

कथा म्हणल्यार जी अर्दवर ते एक वर वा दोन वरांनी वाचून सोंपता ती.

viii. क्रिस बालदिक-*"A fictional prose tale of no specified length, but too short to be published as a volume on its own, as novellassometimes and novels unusually are. A short story will normally concentrate on a single event with only one or two characters, more economically than a novel's sustained exploration of social background."*[8]

खयंची काल्पनीक कथा जाका अमुकच अशी लांबी नासता, कादंबरी वा नवलकथा सारकी खिस्तिनी प्रकाशीत जावपा सारकी नासता. लघुकथा फक्त एकूच घडणूकेचेर आनी एक ते दोन व्यक्तिरेखाचेर आदारीत आसता. कादंबरेच्या नदरेंत तुलनेंत ती ल्हान आसता.

ix. एनसायक्लोपीडिया ब्रिटानिका- *"The short story is a kind of prose fiction, usually more compact and intense than the novel and the short novel (novelette)."*[9]

लधुकथा ही एके तरेचे गध्य जातूंत कल्पना आसता आनी चड करून कादंबरी आनी लघुकादंबरी परस चड सकुंचीत आनी तीव्र आसता.

x. एम. एच. एब्राम्स-*"A short story is a brief work of prose fiction, and most of the terms for analysing the component elements, the types, and the narrative techniques of the novel are applicable to the short story as well."*[10]

लघुकथा म्हणल्यार गद्य कल्पनेचो संक्षिप्त वावर आसून, चडश्यो संज्ञा ज्यो कादंबरीच्या घटकांचें आनी प्रकारांचे विश्लेक्षण करपाखातीर वापरतात ते तंत्र लघुकथेकूय लागू जातात.

xi. कॉलीन्स इंग्लीश डिशनरी-*"A prose narrative of shorter length than the novel, esp one that concentrates on a single theme."*[11]

कथनात्मक गद्य प्रकार जो आकारान कादंबरे पासून ल्हान आनी जातूंत एकाच विशयाक म्हत्व दिल्लें आसता.

वयर सांगिल्यो भारतीय आनी पाश्चात्य व्याख्या पळयल्यार कथा एकंदर कशीं आसची हें लक्षांत येता. कथा ही कादंबरी सारकी आकारान व्हड आसची न्हय कारण तातूंत लेखक खंयची एक घडणूक कथेंतल्यान सांगपाचो प्रयत्न करता आनी ही सांगतना तो आपल्या काल्पनीक शक्तीचो वापर करता.

## 2.2 : कथेची संकल्पना

सुरवातेक मनीस आपल्यो भाव-भावना कुरूवांतल्यान व्यक्त करतालो. पूण जेन्ना ताका उलोवपाक कळ्ळे तेन्ना तो मौखीक परंपरेंन गीत स्वरूपांतल्यान व्यक्त जालो. वेळ गेलो तशें तांणे आपले अणभव, सरभोंवतणच्यो गजाली उतरांक ताल लय लायनासताना साद्या सुटसुटीत उतरांनी सांगपाक सुरवात केली. पयलीं हाचो प्रसार मौखीक माध्यमांतल्यानूच जालो पूण जेन्ना ताका लिपी मेळ्ळी तेन्ना तें लिखीत स्वरूपांत घोळपाक लागलें.

“उतरांक ताल लय नासताना सुटसुटीत उतरांनी जें तयार जालेंतें आमच्या कडेन पयलीं काणी स्वरूपांत पावलें. ह्यो काण्यो चड करून मनोरंजन, बोध दिवपाच्या हेतान रचिल्ल्यो ज्यो राजा राणी, भुतां, देव, म्हातारी हांचेर आदारून आसताल्यो. फुडें ह्या काणयांनी जायतीं तत्वां आस्पावली,तीं विकसीत जालीं आनी आयज तीं आमकां कथा स्वरूपांतमेळटात जीं काणयेपरस वेगळीं आसात.”[12]अशें लोकवेद संशोधक डॉ. जयंती नायक ही आमकां कथेची वाटचाल स्पश्ट करताना काणी पासून कथा कशी तयार जालीं हें सांगता. तर कोंकणी साहित्याचे म्हालगडे पुंडलीक नायक कोंकणी कथेक स्वरूप कशें मेळ्ळे तें सांगतना परत लोकवेदाच्या काणयेकडेन कोंकणी कथेक जोडटाना दिसता, “1930 च्या सुमाराक युरोपियन शॉर्ट स्टॉरी आनी भारतीय काणी हांचो संगम जावन लघुकथेचो जल्म जालो. युरोपियन शॉर्ट स्टॉरीची प्ररणा हेर भारतीय भासांक इंग्लीशींतल्यान

लाबली, जाल्यार कोंकणी भाशेक ती इंग्लीश, पुर्तुगेज आनी फ्रेंच भाशेंतल्यान आनी हातूंतल्यान कोंकणी कथेचो जल्म जालो."[13]

कथा हो गद्य आनी कथात्मक साहित्याचो सगळ्यांत ल्हान आनी खाशेलो प्रकार जो आमचेकडेन परंपरेंतल्यान आयला. 'कथा' हे उतर 'कथ्' ह्या धातूपासून तयार जाला. जाचो अर्थ सांगप वा वर्णन करप. आपले अणभव वा गजाली दुसऱ्यांक सांगप आनी दुसऱ्यांच्यो आयकप हो मनशाचो स्वभाव आनी कथेंतनूय अशेंच जाता. कथेंत एका घडणूकेचे कथन करता तिका खाशेली शैली आसताही कथा एका बसकेंत वाचून सोंपता. कारण ती मर्यादीत आनी ल्हान स्वरूपाची आसता. हिन्दींत तिका 'कहानी', इंग्लीशेंत 'शॉर्ट स्टॉरी' तर कोंकणींत 'कथा' अशें तरेकवार भासांनी तिचो उल्लेख जाता.

कथेंतल्यान आमकां बोध मेळटा. लेखक कथा बरयता ताच्या फाटल्यान एक हेतू आसता. तो आपल्या वाट्याक आयिल्ले तरेकवार प्रसंग आपल्या कल्पना शक्तींतल्यान शब्दबध्द करता. आनी ताचो हेतू साध्य करपाचो पुराय यत्न करता.  कथेचो वाचक हो सामान्य मनीस लेगीत आसता. कारण कथेंत साधारणपणान आमकां आमच्या सरभोंवतणची सादी थळावी भास, समाजांतली व्यक्तिरेखाआनी सरभोंवतणच्यो घडणुको दिसतात.देखूनच हेर साहित्य प्रकारा परस कथा हो साहित्यप्रकार चड लोकप्रीय जाला. "आपण गरिबांच्या जीवना-वरची एकादी कादंबरी वाचली तर आपल्या डोळ्यापुढे तिच्यांतल्या अनेक व्यक्ति आणि त्यांना सहन करावी लागणारी नानाविध दुःखे उभी राहतील, पण त्याच जीवनावरची लघुकथा वाचली तर एकादीच व्यक्ति अन् तिला जाचक झालेले गरिबांचे एकाच दुःख आपणांला दिसेल आणि असा परिणाम जिचा होतो तीच खरी लघुकथा. "[14]हातूंतल्यान कथेची संकल्पना आनी तिचो आकार वा ती कितल्यामेरेन मर्यादीत

आसपाक जाय हे स्पश्ट जाता. कथेंतल्यान लेखक वाचकांमेरेन आपल्या जिणेंतल्या एकाद्या ल्हान घडणूकेविशीं सांगता.

## 2.3 : कथेचें स्वरूप

कथाहो साहित्यप्रकारसगळ्यांचो आवडीचो. कथेंत वास्तवांत घडिल्ली एखाद्री घडणूक लेखक आपली कल्पना शक्त वापरून कमीच उतरांनी, प्रभावी रितीन ती सांगपाचो प्रयत्न करता. कथेचोआकारल्हानस्वरूपाचोआसता. कथेंतघटनाही खूब म्हत्वाची.सत्य घटनांचेरआधारिल्लीघडणूकभुतकाळांतघडिल्लीआसता. लेखकआपल्याकल्पनाशक्तींतल्यान, योग्यकथानकतयारकरताआनीथोड्याचपात्रांचो आनीप्रसंगाचोउपेगकरून योग्यत्यामांडावळींत तीमांडटा.कथेंतपात्राक एकवेगळें आनी म्हत्वाचेंस्थानआसता. दरएकघडणूकएकाअमक्याचथळ-काळारघडटादेखूनखंयचीघडणूककथनकरतानातिच्यासरभोंवतणचेंवातावरणउबेंकरपम्हत्वाचें आसता.निवेदनहेंकथासांगपाचेंप्रभावी माध्यम.भाशाशैली, संघर्श,वातावरणह्यासगळ्याघटकांतल्यानकथेकएकरुपमेळटा.
कथेच्याविशयाकमर्यादानाआनीदेखूनआयजकथेंतआमकांआमच्यासरभोंवतणचेजायतेविशयआयिल्लेदिसतात.जशेंआमचेंखाण-जेवण, राहणीमान, रिती-परंपरां, सण-परबो, भाशा, धर्म, जात, वर्ग, सैम, कुटूंबीक, राजकीय, इतिहासीक, पुराणीक, शुरवीरांच्यो, आदी विशयकथेंतआयल्यात.विशयवेगवेगळेआशिल्यानताचेरआधारूनकथेचेतरेकवारप्रकारजातात.

संदीप सांगळे हें जाणकार ‘मराठी कथा : सैध्दांतिक विचार’ ह्या आपल्या लेखांत कथेचे स्वरूप थोड्या उतरांनी स्पश्ट करताना सांगता, “कथेंत आमी काणी सांगतना कथेक योग्य ती मांडावळ

दिवपाक जाय देखीक सुरवात, मध्यम आनी शेवट. तशेंच कथेंत म्हत्वाचे म्हणल्यार तातूंत सुचकताय आसपाक जाय. मेजक्याच उतरांनी खूब कितें सुचयल्ले आसपाक जाय”[15]आशें जाल्यान वाचकांक कथारोकडीच वाचून सोपली अशें दिसता. कथा हो गद्य प्रकारांतलो श्रेश्ट असो साहित्यप्रकार. कारण लेखकाक आपल्याक सांगपाक जाय ती गजाल सामकी कमीउतरांनी आटोवन सांगपाक मेळटा आनी वाचकाक थोड्याच उतरांनी खूब कितें कळटा.

## 2.4 : कथेचेघटक

दर एका गजालीक कांय तत्वां आसतात. ह्या तत्वांतल्यान ती हेरां परस वेगळीं थारता आनी तिका आपले स्वरूप मेळटा. म्हणल्यार त्या तत्वांतल्यान ती तयार जाता. कथा ह्या गद्य साहित्यप्रकाराक अशींच तत्वां आसात जाका लागून तिका वेगळें रूप फावो जालां. कथेचे घटक हे कथेची बुनयाद आसता जाचेर पुराय कथा उभी रावता. कथानक, वातावरण, व्यक्तिरेखा, निवेदन पद्दत आनी भाशाशैलीहे कथेचे मुखेल घटक आसा. ह्या तत्वांच्या आदारान कथा आकाराक येता.

अ) **कथानक**

कथेंत कथानक हें म्हत्वाचें. कारण प्रसंग, पात्रा आनी घडणूक जेन्नाएककडेन येता तेन्ना कथानक तयार जाता.‘लेखकाला मानवी जीवनातील जे सत्य दर्शन, जीवन दर्शन, मनोदर्शन, स्वभावदर्शन, घडवायचे असते. त्यासाठी तो कथानकाची निर्मिती करतो.’[16]अशें भालचंद्र नेमाडे हें ‘मराठी कथा : सैध्दांतिक विचार’ आपल्या लेखांत म्हणटा. कथानकाच्या मुळाकडेन घटना आसता. लेखकान मांडिल्ले कथाबीज ताच्या सरभोंवतणचे वा तांणी स्वता अणभविल्लें आसता. जें तो आपल्या कलात्मक शक्तींतल्यान कथारूपान मांडटा. जाका लागून कथा प्रभावी थारता. लेखकाक जेन्ना

कथाबीज मेळटा तेन्ना ताणें ताचेर चिंतन, मनन करून ताचो अभ्यास करचो. अशें केल्ल्यान कथाबीज विकसीत जाता आनी ताचे वेगवेगळे दृश्टीकोन मेळटात. कथानक उत्सुक्ता निर्माण करपी आनी वाचप्याक चिंतन करूंक लावपी आसपाक जाय.

**आ) पात्रचित्रण**

पात्रावापात्रचित्रणहोकथानकाचोएकअविभाज्यघटक. पात्रा कथेच्याकथानकाकजिवंतकरता. पात्रांच्या माध्यमांतल्यानकथेंतलोप्रसंगसमजूवपाक आनी कथानक विकसीत करपाक मदत जाता. कथेंत पात्राचें चित्रण आनी मेजकी पात्रा आसची. भरभरून आसली जाल्यार कथेचो फावो तो परिणाम जायना.माधव खालकर हें अभ्यासक‘पात्राचा जीवनप्रवास सलगणे न करता एखादाच पैलू प्रकाशमान करून मर्यादित अवकाशात मोजक्या साधनांनी प्रयोजनपुर्ण पात्र निर्मिती साधने हे कथाकारासमोर कलात्मक आव्हाहन असते.’[17]कथेंत चड विस्तारान सांगपाक मेळना देखून तोड्याच उतरांनी एखाद्या व्यक्तिरेखा बद्दल सांगप हें कथाकारा मुखार मोटें आवाहन अशें मानतात.

कथेंत व्यक्तिरेखाचे दोन प्रकार आसतात.पयलें स्थीर पात्र, जे कथेंत जशें सुरवेक आशिल्लें तशेंच शेवटाक उरता आनी दुसरें पात्रजें बदलतें पात्र आसता. ते सुरवेक एके तरेन वागतलें आनी कथेच्या शेवटाक ताचो मानसीक बदल जाता.कांय फावट कथेंत आयिल्लीं व्यक्तिरेखा हीं काल्पनीक आसतात तर बऱ्याच फावटी ती लेखकाच्या वास्तवीक जिणेंतली आसतात.

देखीक,“शीला कोळंबकार हांच्या ‘वावराडी’ हे कथेंतले निशाचे चित्रण करता- निशा.. वीस बावीस वर्सांचें. बदामी चेरो. गोरें. केंस पातळ. ते खांध्यामेरेन कापून वयर क्लीप लायिल्लें. दोळे मात मोटे मोटे. काजळान माखिल्ले. आमगेर आयिल्लें तेन्ना बरो पंजाबी ड्रॅस घाल्लो. उंच खोटांचें बुटय बी.”[18]शीलाबायचें हें पात्राचित्रण वाचल्या उपरांत ती व्यक्ती प्रत्यक्ष मुखार उबी रावता.

इ) **वातावरण**

कथेंत वातावरण निर्मिती जावप खूब म्हत्वाचे कारण वातावरणाक लागून वाचकाचेरआनी कथेचेर वास्वतायेचो प्रभाव पडटा. कथा खंयच्या परिस्थितींत वा खंयच्या फांटभुयेंचेर घडटा हें कळपाक वातावरण निर्मिती मदत करता. कारण एक घटना घडटना ताचो संबंद ताच्या भोंवतणी आशिल्या समाजाकडेन, संस्कृतायेकडेन, सैमाकडेन आनी भुगोलीक परिस्थिती कडेन येता.वातावरणाचो आनी ताच्या भोंवतणच्या गजालींचो पात्राच्या मानसीकतेचेर कसो परिणाम जाला हें कळटा. कथेंत वातावरण हें जायते फावटी प्रतिकात्मक रितीन वापरप जाता. वातावरण कथेंत सुचकताय निर्माण करता. फुडें कितें घडटले हाची उत्सुक्ताय लागता आनी फावो तो परिणाम जाता.

देखीक, पुंडलीक नायक हांच्या ‘उचांबळ’ ह्या कथेंतले वातावरण- “दारांतल्या शंकरावयल्यान सुर्याचीं किर्णां ल्हवू ल्हवू ना जातालीं. शंकराचे केसरी तुरे तिनसांजच्या वेळार बेस बरे दिसताले. निरपणसाच्या पांचव्याचार कोंगऱ्या पानांवयल्यान सोनेरी किर्णां देंवतालीं. आनी पानांचो पांचवो गाड रंग मनाक खंयतरी थंडाय दितालो. आमोरी दाटत वताली. घरामुखावयल्यो सगळो वाठार मोनपणांत बुडत वतालो.”[19]ह्या वातावरण

निर्मितींतल्यान त्या पात्राच्या मनांत चालू आशिल्लो घोंदळ, ताका कितें करप तें कळना हें तशेंच सांज जावपाक आयलां हें सुचयता.

ई) **निवेदन**

निवेदन हो म्हत्वाचो घटक. लेखकाक कथा सांगपाक एक पात्र तयार करचें पडटा जें पात्र कथा प्रभावीकपणान सांगता. निवेदन म्हळयार कथा सांगप आनी निवेदक म्हळयार जो कोण कथा सांगता तो. निवेदन हे दोन तरेचे आसता. पयले निवेदन करताना तें पात्र कथेंत भितर रावन वावुरता जाका पयलो पुरूषी म्हणटा तर दुसऱ्या तरेच्या निवेदनांत निवेदक कथेंत भितर खंयच दिश्टी पडना जाका तृतिय पुरूशी म्हणटा. निवेदक फक्त कथा सांगिना तर कांय फावटी तो व्यक्तिरेखाच्या वा घटना संदर्भांत आपली मतां मांडटा.

देखीक, हेमा नायक हांची ‘कन्याभक्ष’ ह्या कथेंतले निवेदन ती अशी करता “आमोरी जाली तरी बापूय आनी धुवेचो पत्तो ना म्हण निर्मलाक सुमाराभायलो हुस्को जालो. खंय पावलीं काय दोगांय ताच्या काळजांत धडधडपाक लागलें. हालींसराक तिका अशेंच जाता...”[20] हें तृतीयपुरूशी निवेदन जंय निवेदक निर्मलाची कथा सांगता.

उ) **संवाद**

संवाद पात्रांक जिती करपाक मदत करता. संवादांतल्यान आमकां पात्राच्यो भाव-भावना ताचें विचार, ताचीं मानसिक्ता, तशेंच ताच्यां सरभोंवतणची परिस्थिती कळटा. कथेंत चित्रीत केल्या समाजाची भास, ताचें खाशेलेपण कळटा. जशें व्यक्तिरेखा कथेंत वेंचीक आसपाक जाय तशेंच कथेंतले संवाद लेगीत वेंचीक, सादे, सोपे आनी सुटसुटीत

आसपाक जाय. संवादाक लागून लेगीत कांय वेळा कथा परिणामकारक जाता तिका वास्तवतायेचें रूप मेळटा. जायत्या फावटी कांय प्रभावी संवादाखातीर कथा यादिंत उरता. "संवाद हो कथेचो घटक आसलो तरीय ताका म्हत्वाचो घटक मानपाक जांवचेंना. जायतेफावट संवादाबगर बरीं कथा जावंक शक्ता. केन्ना केन्नाय एखाद्री पुराय कथा संवादांतल्यानूच तयार जावंक शक्ता."[21] अशें मत लेखक भालचंद्र गांवकार हांणी उक्तायलां. हाचीदेखम्हणल्यार,

पैलोः कितें म्हळें ताणीं?

दुसरोः तुमी सुणो कशें मेले म्हणून. ऐन वेळार पासून तुमी वखद-विसंद केले ना खै. तुमगेल्या तिरसुवादपणाक लागूनच तुमच्या तुमींच तुमचो घात करून घेतलो. खरें मू हें?

पैलो: जायत! दिवाक साकून येतपसून हांव बरोच नाशिल्लों. खरें म्हळ्यार म्हाका विश्रांती जाय आशिल्ली. आनी ती घेवंक म्हाका फावलेंच ना."[22]

अशें तरेन पांडुरंग भांगी हांची 'भेट' ही कथा फक्त संवादांतल्यान उबी जाता.

ऊ) **भाशाशैली**

भास ही साहित्याक म्हत्वाची. दर एका लेखकाची आपली अशी एक वेगळी भाशाशैली आसता देखीक, गंभीर, प्रतिकात्मक, विनोदी जाका लागून ताची कथा हेर लेखका परस वेगळी थारता आनी तिका आपले खाशेलेपण मेळटा. ज्या वाठारांत लेखक रावता त्या वाठाराचें, समाजाचेंआनी धर्माचें प्रतिनिधित्व ही भास करता. कथेची भास ही सोपी असता. हांगा अलंकाराचो चड उपेग जायना. कथा बरयतना कथाकारान कथानकाक वा विशयाक तशेंच थळ-काळाक आनी व्यक्तिरेखाक योग्य ती भाशाशैली वापरपाक जाय. "ऐसे लेखक जो नीरस सो नीरस बात को भी सरस ढंग से परोसते हैं, वे

शैली के धनी होते हैं”[23]म्हणल्यार कठीणांतली कठीण वा वाज हाडपी गजाल जो लेखक बऱ्या रितीन सांगता तो भाशा शैलीचो धनी अशें म्हणला.देखीक, प्रकाश पर्येकार हांच्या ‘जनी’ कथेंतली भासशैली म्हणल्यार तांच्यानी निवेदन प्रमाण बोलयेंत करता आनी संवाद पत्रांच्या बोलयेंतले घातलां,

“धाकटेऽऽबा कून गेला ग?”

“बा आनी विठा ज्यानी गायीला बगाया म्हन खाल्ती गेल्यात.”……………

“मग ज्यानी गाय गेली तरी कून? हा विठा गुराप जातो क्ये कुदाया जातो त्यो देवालाठाऊक.”[24] ह्या संवादांत आमकां धनगर समाजाची बोली दिसत आनी निवेदन आयल्या तें प्रमाण कोंकणींतल्यान.

**ऋ) आशय**

“कथेक आशय दिवपाचें कसबूय लेखकाकडेन आसूंक जाय. सर्जनशील लेखकाक तें तंत्र आपसूक येता आनी वाचप्याक हो आशय आसपूक होलमता. मीठ खिरयिल्लें उदक खार लागता. पूण मीठ दिश्टी पडना. ही खारसाण म्हळयार आशय. उकतेपणान सांगनासतना उतरांनीं सुचीत करिनासतना वाचप्याक जाण दिता तो आशय कथेंत आशय भरपाची कला ज्या लेखकांक सादल्या तो कथाकार खरेपणी एक श्रेश्ट कलाकार.”[25] दर एका साहित्यांत आशय हो म्हत्वाचो. लेखक प्रत्यक्षपणान वा अप्रत्यक्षपणान तशेंच व्यक्तिरेखांच्या माध्यमांतल्यान वा घडणूकांच्या आदारान वाचप्यांमेरेन एक विचार पावयता. आनी तातूंतल्यान समाज प्रबोधन जाता. कथेचो आशय हो कथेच्या कथानकाचेर आदारून आसता. आशयाखातीर कथेचो परिणाम वाचप्याचेर जाता कारण कथेंतली दर एक घडणूक वा गजाल आमकां नवीन कितें सुचयता. ताका लागून

कथेंततलो दर एक घटक योग्य तरेन आयल्यार कथेचो आनी कथाकाराचो हेतू स्पश्ट जाता.

वयर दिल्ले कथेचे सगळें मुखेल घटकांचेर नदर मारल्यार कळटा, दर एक घटक कथेखातीर म्हत्वाचो. ह्या वेगवेगळ्या घटकांखातीर कथा ही आकाराक येता तिका वेगळें रूप आनी अस्तित्व मेळटा. कादबरेचे आनी कथेचे घटक जरी आमकां एक कशें दिसलें तरी कांदबरेंत ह्या घटकांचो विस्तार खूब जाता. तर कथेंत ह्या घटकांक विस्तार करपाक एक मर्यादा आसता. हे सगळें घटक कथेंत म्हत्वाचे आसले तरी, भालचंद्र गांवकार हांणी सांगलां तशें संवादा बगर लेगीत एक बरी कथा जांव येता. तशेंच हांगा फकत संवादूच न्हू तर वयर सांगिल्या जायत्या घटकांबगर कथा जांव येता. देखून ह्या घटकांक बदलत्या काळावांगडा कथेची बुनयाद म्हणप जावचें ना पूण हे सगळें घटक एका साद्या गजालीक सिध्दांतीक नदर दिता आनी तिका वयल्या पांवड्यार पावयता.

## 2.5 : कथेचे प्रकार

दर एक लेखक आपल्या अणभवांतल्यान लेखन करता. दर एका लेखकाचे अणभव आनी सांगपाची पद्दत वेगवेगळी आशिल्यान आमकां एका साहित्याचे तरेकवार प्रकार पळोवपाक मेळटा. कथेंत आयजमेरेन आयिल्ले आशय, विशय वा शैली पळयल्यार आमकां लक्षांत येता तें म्हणल्यार, ह्या घटकांचेर आदारून आमी कथेचे प्रकार करपाक शकता. दर एका लेखकान समाजांतलें वा

आपल्या भोंवतणचें वेगवेगळे विशय हाताळपाचो प्रयत्न केला. पूण हे सगळेंच प्रकार सगळ्याच लेखकानी उखलून धरलात अशें ना. कांय विशयांचेर वा प्रकारांचेर कमी प्रमाणांत लेखन जाला.

अ) **समाजीक कथा**

लेखक हो समजांतलो घटक. पूण हेरांपरस तो चड संवेदनशील मनीस. समाजांतले जायते विशय कथाकारांनी आपल्या लेखनांतमांडून आमचो सरभोंवतणचो समाज साहित्यांत हाडला. हातूंतल्यान समाजांत घडपी वायट घडणूको वा समाजांतल्यो नाका आशिल्ल्यो रूढी-परंपरां हांचेर बडी मारपाचो प्रयत्न तो करता. तशेंच आमचे फाटल्यान पडिल्लें दायज, समाजांतले नेम आनी अटी अशे समाजीक घटक ह्या प्रकारांत आस्पावतात. समाजा संदर्भांत दर एक गजाल आमकां ह्या समाजीक कथेंत आस्पाविल्ली मेळटा. कोंकणी कथेच्या मळार आमकां समाजीक विशय चड प्रमाणांत हाताळिल्ले दिसतात.

देखीक,महाबळेश्वर सैल हांचे 'पलतडचें तारू', 'तरंगां', सारकिल्ले कथा झेले समाजीक विशय हाताळटात. तशेंच चंद्रकांत केणीहांचो 'अळमीं', 'व्हंकलपावणी' हे कथा झेले,. एन. शिवदास हांचो 'गळसरी' कथा झेलो, प्रकाश पर्येकार हांच्या'वर्सल' कथासंग्रहांतल्यानआमकां सत्तरीचो वाठारआनी समाज पळोवपाक मेळटा.

आ) **मनोविज्ञानीक कथा**

ह्या कथांनी लेखकान आमकां मनशाच्या मनाचो थाव घेतिल्लो दिसता. ''एखाद्या मनशाचे विचार, ताच्यो भाव-भावना, उमाळे, ताचो मानसीक संघर्श हे विशय मानसशास्त्रीय कथेंत व्यक्त जातात. हांगा मनशाचो आंतरीक संघर्श आनी ताच्यो अतृप्त इत्सा दिसतात. एका मनशाच्या ताच्या सरभोंवतणच्या वातावरणाचो ताच्या मनाचेर

प्रभाव जावन,ताच्या वागणूकेचेर कसो परिणाम जाला हेंकळटा.अशे तरेच्यो कथा समजपाक आमकां मानसशास्त्रज्ञांनी दिल्लीं तत्वां वा निश्कर्श लावन ती आभ्यासची पडटली.

कोंकणी कथेंत मानसशास्त्र हो विशय हाताळपी लेखक म्हणल्यार दामोदर मावजो हांच्यो कथा देखीक,'सदानंद' कथेंतले सदानंद पात्र, 'नवी केस' ह्या कथेंतले कुंतल हें पात्र. 'मन म्हजे पिशें' हातूंतलें मुखेल पात्र. तशेंच शीला कोळंबकार हांची 'मॅगी' कथा. हया कांय कथांतल्यान त्या पात्रांचो आमकां मानसीक संघर्श दिसता.

## इ) **नवकथा**

ह्या प्रकाराच्या कथांनी आमकां आधुनीक विशय हाताळिल्ले दिसतात.बदलत्या विचारधारेंतल्यान, जाणीवेंतल्यान, राहणीमानेंतल्यान आनी पाश्चात्य नवसाहित्याची प्रेरणा घेवन मनशाचो काळावांगडा बदल जाता. ह्या जाणिवेंतल्यान तो नवीन आशय-विशयाच्यो कथा बरयता.डॉ. नामवर सिंह हांच्या प्रमाण "नई कहानी में विषयों की विविधता के साथ-साथ शिल्प का नयापन भी विद्यमान है। उसमे प्रभावान्विति पर इतना जोर नहीं है। जितना जीवन के संश्लिष्ट खण्ड में व्याप्त संवेदना पर है। नया कहानीकार किसी दार्शनिक, सामाजिक अथवा राजनीतिक विचारधारा से प्रतिबद्ध न होकर विशुद्ध अनुभूति की सच्चाई और विषय की यथार्थता के प्रति प्रतिबद्ध होता।"[26]म्हणजे नवकाथाकार खंयच्याच विचारांनी बंदिस्त जायनास्तना स्वताचे जे अणभव आसात ते तो उक्तेपणांत मांडटा.

## ई) **पुराण कथा**

पुराण कथा म्हणल्यार मिथक कथा. पुराण कथांचो संबंद धार्मीक विचारांकडेन वा प्रथांकडेन येता. देखीक, महाभारत आनी रामायणांतल्यो कथा हातूंत आस्पावतात.पुराण कथा हें लोककाणयेचें सगळ्यांत पोरणें रूप. धर्मसंप्रदायांतल्यानच लोककाणयेच्या ह्या रुपाची निर्मणीजाल्ली. हातूंत आमकां धर्तरेच्या तशेंच आमच्या भोंवतणी आशिल्ल्या जायत्या घटकांच्या उत्पत्ती विशीं म्हायती मेळटा. अँड्रु लँग हांणी “मिथककाणी म्हळयार मनीसजातीच्या आरंभकाळाचो इतिहास”[27]अशें मत मांडलां.

उ) **परीकथा**

परीकथा म्हणल्यार इंग्लीशींत ‘फॅरी टेल्स’. हांतून परी वा देव मनशांच्या सपनांत येवन तांची इत्सा पुराय करता तशेंच जेन्ना कथेंतले मुखेल पात्र खंयच्या अडचणींत सापडटा तेन्ना परी येवन ताका तातूंतल्यान सुटपाक मदत करता. चड प्रमाणांत ह्यो कथा परीचेर आदारीत आसतात. परी म्हणल्यार एक जादु करपी, चमत्कारी संवसारांतली सुंदर बायल. हातूंत कल्पनेक, चमत्काराक, मौनजातींचें मानवीकरण आनी जादू करप हांका खूब म्हत्व दिल्लें दिसता.परीकथा हो कथनात्मक साहित्याचो एक उपप्रकार खास करून बालसाहित्याचो एक वांटो जावन आसा.ह्यो कथा भुरग्यांक बरें शिक्षण दिवपाक तशेंच बरें वायट हांचो फरक दाखोवपाक मदत करता. कारण भुरग्यांक अशें जगावेगळें, चमत्काराचें आयकपाक वा वाचपाक खूब आवडटा. ह्यो काणयो भुरग्यांच्या मानसीकतायेक समजून घेवपी आशिल्यान त्यो तांचेर प्रभाव घालतात. असल्या कथांनी धर्माचो आस्पाव जायना.

ऊ) **निती कथा**

नितीकथा ह्यो समाजाक आनी भुरग्यांक बरें शिक्षण दिवपाच्या हेतून केल्ल्यो आसतात. हांका 'बोधकथा' अशेंय म्हणटात. पंचतंत्र सारक्या कथांचो ह्या प्रकारा भितर आसपाव जाता. अश्या कथांनी दोन मुखेल पात्र आसतात. एक आसता तें बऱ्या गुणांचे जें दुसऱ्यांचें केन्ना वायट करिना आनी दुसरें पात्र आसता तें वायट वृत्तीचें जें बऱ्या पात्राचेर अन्याय करता. हांगा निमाणें बऱ्या पात्राक आपल्या बऱ्या गुणांखातीर न्याय मेळटा.

ऌ) **गूढ कथा**

कथेच्या ह्या प्रकारांत सत्य कितें आसा तें रोकडेंच कळना. ह्या कथेंत सुरवातेक घडणूक, पात्र वा वातावरण रहस्यमय रितीन येता. कथा सोपसर ती गूढ उरता आनी तिच्या शेवटाक सत्य वा गूढ कितें तें वाचकां मेरेन येता. अश्या कथेंतल्यान एका गजालीचेंगूढ सोदप वा ताच्या बद्दल तर्क मांडप जाता. गूढ कथेंत सगळ्यांत म्हत्वाचें आसता तें वातावरण. लेखक जितल्या प्रभावीपणान वातावरण निर्मिती करतलो तितलीच ती चड प्रभावी जातली.

ऍ) **विनोदी कथा**

ह्या कथांनी आमकां विनोदाचेर चड भर दिल्लो दिसता. ह्या कथेंचे कथानक, व्यक्तिरेखा, प्रसंग, वातावरण सगळेंच विनोदी शैलीचें आसता. "डॉ. अ. वा. वर्टी म्हणटात, "वाचकाला हसवणे, त्याच्या मनाला काही काळ आल्हाद देणे, त्याचे मन उल्हसित करणे, क्षणकाळ त्याला जीवनातल्या चिंता विसरायला लावणे, जीवनातल्या गमती सांगणे."[28] ह्या कथेचो मुखेल उद्देश म्हणल्यार वाचप्याचे मनोरंजन करप

ताकाहासोवप. आनी हासोवपा वांगडाच वाचप्यांक एक विचार दिवप. असल्या कथांनी आमकां वायट विचार दिसनात तर ह्यो कथा सुख, खोशी दितात.

देखीक, मनोहरराय सरदेसाय हांची 'सावळो सर्गार वेता'ह्या कथेंत सावळो आनी तुणतुणें हांचे बद्दल सांगपाक विनोदी शैलीचो वापर केला. तशेंच अरूण सिंगबाळ, गजानन जोग आनी मिना काकोडकार हांच्या कथांनी आमकां विनोदी शैली दिसता.

ऐ) **विज्ञान कथा**

बदलत्या काळाक लागून कथांनी आमकां वेगवेगळे नवे विशय हाताळिल्ले दिसतात. हातूंतलोच एक विशय म्हणल्यार विज्ञान. ह्या कथांनी विज्ञानाच्या संदर्भांत आशिल्ल्या तरेकवार गजालींचो उल्लेख येता. ह्योकथा समाजांत आशिल्ल्यो वायट चाली-रिती वा हेर गजाली बद्दल समज पयस करपाक तशेंच विज्ञाना बद्दल म्हायती दिवपाच्या हेतून बरयतात. विज्ञानाखातीर भविश्यकाळांत आमचें विश्व वा राहणीमान कशें आसतलें हाचेरूय उजवाड घालपाचो प्रयत्न ह्या कथांनी जाता. ह्या कथेंतली व्यक्तिरेखा विज्ञानीक नदरेन विचार करतात. कोंकणींत विज्ञान कथा ह्यो कमी प्रमाणांत आसात. तातूंतलीच एक म्हणल्यार दामोदर मावजो हांणी बरयल्ली 'विशुती' ही कथा.

ऋ) **इतिहासीक कथा**

ह्यो कथा इतिहासाचेर आदारिल्ल्यो आसतात.हातूंत भुतकाळांतल्यो म्हत्वाच्यो घडणूको वा व्यक्तिरेखा हांचेर आदारीत कथा रचिल्ल्यो मेळटात. अश्या कथांचो लेखक त्या एका विशेश काळखंडाचें प्रतिनिधित्व करता. इतिहासीक लेखनांतल्यान आमकां म्हायती मेळटा त्याच वांगडा त्या काळावयलो आनी आतांचो फरक कळटा. इतिहासीक लेखन ही एक कला अश्यो इतिहासीक कथा बरयतना लेखकान अभ्यास करप खूब

म्हत्वाचें थारता. कारण अभ्यास करिनासतना बरयल्यार किर्तेय बरयल्यार चुकिची म्हायती वाचप्या मेरेनपावपाची शक्यताय आसता.  कांय वेळा अश्यो कथा इतिहासीक दस्तावेज म्हूण वापरतात देखून लेखकान सादूर रावप चड म्हत्वाचें.

अशें तरेन कथेचे साबार प्रकार मेळटात. कांय प्रकारा भितर चड कथा आसा तर कांय प्रकारा भितर मेजक्योच कथा मेळटात. ह्या प्रकाराखातीर दर एक कथा वेगळी थारता आनी कथा अभ्यासताना वगवेगळे निकश लावन अभ्यास करूं येता.

**संदर्भवळेरी**

1मावजो, दामोदर."कथा एक नियाळ",*कोंकणी भास, साहित्य आनी संस्कृती*.वेरेंकार, श्याम, सरदेसाय माधवी, म्हाळशी कमलाकर(संपा. मंडळ), कोंकणी भवन, शंकर भांडारी मार्ग, विद्यानगर, मडगांव, गोंय: कोंकणी भाशा मंडळ, मार्च 2003, 224.

2डॉ. प्रकाश पर्येकार, पयलें युवो कोंकणी कथा संमेलन 2023, गोंय विद्यापीठ.

3नायक, सुशांत. *कथामंथन सिध्दांतीक आनी इतिहासीक विवेचन*. कवळें, फोंडें-गोंय : सानवी प्रकाशन, 2018, 45.

4मंगळवेढेकर,राजा. *"कथा आणि कथाकथन."* 430\31 शनिवार पुणे 30 : साधना प्रकाशन, 1971, 4.

5नायक, सुशांत. *कथामंथन सिध्दांतीक आनी इतिहासीक विवेचन*. कवळें, फोंडें-गोंय : सानवी प्रकाशन, 2018, 47.

6वर्मा, धीरेंद्र.(संपा) *हिन्दी साहित्यकोश- भाग 1*. ज्ञानमण्डळ लि. वाराणसी : ज्ञानमण्डळ लिमिटेड, वाराणसी-1. 2020. 233.

7सिनहा, सुरेश. *हिन्दी कहानी : उद्भ और विकास*. नई सडक, दिल्ली. 1965. 10.

8बाल्डिक, ख्रिस. द *कॉनसायस ऑक्सफर्ड डिशनरी ऑफ लिट्ररी टर्मस*.ऑक्सफर्ड न्यूयॉर्क : ऑक्सफर्ड युनिव्हर्सिटी प्रेस, 2001. 263.

9नायक, *सुशांत. कथामंथन सिध्दांतीक आनी इतिहासीक विवेचन*. कवळें, फोंडें-गोंय : सानवी प्रकाशन, 2018.44.

10अब्राम्स, एच, एम. हार्फम, एम, एच.(संपा.) *ग्लॉसरी ऑफ लिट्ररी टर्मस*. युएसए : मायकेल रोसेनबर्ग. 2005. 331.

11नायक, *सुशांत. कथामंथन सिध्दांतीक आनी इतिहासीक विवेचन*, कवळें, फोंडें-गोंय : सानवी प्रकाशन, 2018. 42.

12 नायक,जयंती (संपा.).*कोंकणी लोककाणयो*. साहित्य अकादेमी दिल्ली: साहित्य अकादेमी, 2000, 4.

13नायक, पुंडलीक(संपा.).*समकालीन कोंकणी लघुकथा*. ए-5, ग्रीन पार्क, नवी दिल्ली: नॅशनल बुक ट्रस्ट, इंडिया, 1998, viii.

14भोसले, म,भ. *मराठी भाषेतील आधुनिक वाङ्मयप्रकार*, मु. पो. भिलवडी जिल्हा सातारा : कृ. रा. केळकार, 1947, 15-16.

15सांगळे, संदीप. "मराठी कथा : सैध्दांतिक विचार." *मराठी वाङ्मय प्रकारांची सैध्दांतीक रचना व अध्यापन पध्दती*. (संपा.- तुषार चांदवडकर) जळगांव : प्रशांत पब्लिकेशन्स, जानेवारी 2015, 108-109.

16आदलोच संदर्भ, 89.

17खालकर, माधव, नाना. "कथा वाङ्मय प्रकारांची सैध्दांतिक रचना- एक चर्चा." *मराठी वाङ्मय प्रकारांची सैध्दांतीक रचना व अध्यापन पध्दती*. (संपा.- तुषार चांदवडकर) जळगांव : प्रशांत पब्लिकेशन्स, जानेवारी 2015, 129.

18कोळंबकार, शीला. *कथाशील*. पाटोकॉलनी-पणजीगोंय: गोवाकोंकणीअकादेमी, 2007,142.

19नायक, पुंडलीक. "*मुठय*". मडगांव-गोंय : सेवा समिती प्रकाशन, 1977, 59.

20नायक, हेमा. *दुर्गावतार*. वळवय, फोंडे गोंय : अपुरबाय प्रकाशन, 2009, 48.

21गांवकार, *भालचंद्र. साहित्य-ऐक भासाभास*. किटोलें, बेतोडें, फोंडें- गोंय : मित्र प्रकाशन, 1998. 46

22भांगी, पांडुरंग. "भेट" *कोंकणी कथा संग्रह*. (संपा. चंद्रकांत केणी) नवी दिल्ली : साहित्य अकादेमी, 1985, 53.

23फुल्ल, सुशीलकुमार. "हिन्दी कहानी : स्वरूप एवं विकास". *साहित्यिक निबन्ध*. (मुखेल संपा.- सुशीलकुमार फुल्ल), दिल्ली : भावना प्रकाशन, 2003, 309.

24 पर्येंकार, प्रकाश.*वर्सल*.मडगांव-गोंय: जाग प्रकाशन, 2018, 101.

25मावजो, दामोदर. "कथा एक नियाळ" *कोंकणी भास, साहित्य आनी संस्कृती*. (वेरेंकार श्याम, सरदेसाय माधवी, म्हाळशी कमलाकर- संपा. मंडळ), कोंकणी भवन, शंकर भांडारी मार्ग, विद्यानगर, मडगांव, गोंय: कोंकणी भाशा मंडळ, मार्च 2003, 226.

26सिसोदिया, आशीष.(संपा) *हिन्दी साहित्य का संक्षिप्त इतिहास*.माध्यमिक शिक्षा बोर्ड राजस्थानी : राजस्थानी आजमेर, 144.

27 नायक,जयंती (संपा.).*कोंकणी लोककाणयो*. साहित्य अकादेमी दिल्ली: साहित्य अकादेमी, 2000, 6.

28सांगळे, संदीप. *मराठी विनोदी कथा : स्वरूप आणि आकलन*. नारायण पेट पुणे : यशोदीप पब्लिकेशन्स, 2013. 16.

## प्रकरण- 3

# कोंकणी कथेचो इतिहासीक नियाळ

आयज आमी उलयतात वा बरयतात ती भास फाटल्या कितल्याश्याच पिळग्यांपासून चलत येवन आयज आमकां मेळळा. भास ही थीर नासून काळाप्रमाण, जायत्या प्रभावांक लागून ती बदलता आनी विकसीत जावन फुडल्या पिळगे मेरेन पावता. देखून दर एका भाशेक आपलो वेगळो इतिहास आसता. भास ही मनशांक म्हत्वाची कारण मनीस भाशेंतल्यान व्यक्त जाता. तो आपले उमाळे मांडपाक वेगवेगळें माध्यम वापरता, तातूंतले एक म्हणल्यार साहित्य. भाशेक जसो इतिहास आसा तसोच त्या भाशेंतल्या दर साहित्य प्रकाराक लेगीत खाशेली फांटभूय, एक इतिहास आसा.गोंयच्या तशेंच गोंया भायर रावपी कोंकणी मनशांनी कोंकणी साहित्यांत आपलें मोलादीक योगदान दिल्लें दिसता. कोंकणी लेखकांनी साहित्याचे वेगवेगळे प्रकार हाताळळयात हातूंतलो एक म्हळयार कथा हो साहित्यप्रकार.

9व्या ते 10व्या शेंकड्या मेरेन ही भास थीर रूप धरून आसली आनीउपरांतच्या काळार कोंकणी साहित्य निर्माण जालें. पूण पुर्तुगेज आयले आनी जें साहित्य आसलें तें ना केलें. कोंकणी साहित्याक पुनरजिवन दिवपाक पाद्रींनीलोकांच्या जिबेर घोळपी साहित्य तिगोवन दवरपाखतीर वावर केलो. हातूंतल्यान गद्य आनी पद्य साहित्य वयर सरलें. दुसरें म्हणल्यार कोंकणी कथेचें मूळ रूप

आमकां आमच्या लोकवेदाच्या लोक काणयांनी मेळटा. “उतरांकताललयनासतानासुटसुटीतउतरांनीजेंतयारजालेंतेंआमच्याकडेनपयलींकाणीस्वरूपांतपावलें. ह्योकाण्योचडकरूनमनोरंजन, बोधदिवपाच्याहेतानरचिल्ल्योज्योराजाराणी, भुतां, देव, म्हातारीहांचेरआदारूनआसताल्यो. फुडेंह्याकाणयांनीजायतींतत्वांआस्पावली, तींविकसीतजालींआनीआयजतींआमकांकथास्वरूपांतमेळटातजींकाणयेपरसवेगळींआसात.”[1]अशें लोकवेदसंशोधकडॉ. जयंतीनायकआपल्या कोंकणी लोककाणयो ह्या पुस्तकांत काणी कथा कशीं जाली हें सांगता. हीं दोन कारणां कोंकणी कथेचें मुळावण थारायतात.1889 वर्सा एदूआर्द जुझे ब्रुन द सौज हाणें संपादीत केल्लें ‘उदेंतेचे साळीक’ ह्या रोमी लिपयेंतल्या नेमाळ्यांत तशेंच कोंकणी *दिर्वे*, *मीत्र* आनी *झेलो* ह्या कांय नेमाळ्यांनी कोंकणी कथेची वाट मेकळी केली .

पुंडलीक नायक हें आपल्या ‘समकालीन कोंकणी लघुकथा’ ह्या कथा संग्रहांच्या प्रस्तावनेंत सांगतात, “1930 च्या अदमासाक यूरोपियन शॉर्ट स्टोरी आनी भारतीय काणी हांचो संगम जावन लघुकथेचो जल्म जालो. युरोपियन शॉर्ट स्टोरीची प्रेरणा हेर भारतीय भासांक इंग्लीशोंतल्यान लाभली, जाल्यार कोंकणी भाशेक ती इंग्लीशी बरोबर पुर्तुगेज आनी फ्रेंच भाशेंतल्यान लाभली.”[2] अशें तरेन ते आमची लेकवेदांतली काणी आनी पाश्चात्य लघुकथेचो मेळ घालतात. 1877 वर्सा वामन रघुनाथ शणै हांचो जल्म जालो. तांका जेन्ना कोंकणी भाशेचो दिश्टावो जालो, तेन्ना तांणी कोंकणी विशी अभ्यास करून ती गिरेस्त करपाचें थारायलें. शणै गोंयबाबान कोंकणींत साहित्य रचना केली. आनी कोंकणी देवनागरी लिपयेंतल्यान आधुनीक कथेचे मुळावण घालून दिलें. ‘म्हजी बा खंय गेली’ ही तांची कथा नवें गोंय ह्या मासिकांतल्यान उजवाडाक आयली. उपरांत तांच्यो आनीक कथा छापून आयल्यो जश्यो ‘वासशेणैली पोपाय’, ‘पितूबाबालो तांब्यापटो’, ‘बाबूमामालो पणस’ आनी ‘खर्णवीर'. ह्या तांच्या कथेंतल्यान ते जिणेचें तत्वगिज्ञान सांगतात आनी झाडां-पेडांचें मानवीकरण करून तांच्यो व्यथा मांडटात. शणै गोंयबाबाचो कोंकणी कथेखातीरचो हो मुळावो वावार थारलो.

उपरांत शणै गोंयबाबाच्या वावराक प्रतिसाद दिवन, 1935 वर्सा,‘ओंवळा’ हो जयवंत कुलकर्णी हांणी गोंय, कारवार आनी मंगळूर अश्या १४ कथाकारांच्यो कथा संपादीत करून संपादीत कथा संग्रह मुंबंयत उजवाडाक हाडलो. ताच्या फाटल्यान 1956 वर्सा चंद्रकांत केणी हांणी ‘भूंयचाफीं’ हो प्रतिनिधीक कथा झेलो उजवाडायलो. ‘1956 ते 1961 मेरेन म्हळयार गोंयची सुटका जायमेरेन 'नवे गोंय', 'साद' 'प्रजेचो आवाज', मीर्ग, 'साळीक', 'विद्या', ह्या नेमाळ्यांनी कोंकणी कथेक उत्तेजन दिले. सुमार शंबरां वयर कथा ह्या काळांत उजवाडाक आयल्यो.’[3] आयज लेगीत लेखक आपल्या साहित्याखातीर नेमाळ्यांक श्रेय दितात.

1961 वर्सा गोंय मुक्त जालें. आनी कोंकणी कथेची खरी वाटचाल सुरू जाली. कोंकणी कथा आशय-विशय आनी तंत्राच्या नदरेंत फुल्ली. चंद्रकांत केणी हांणी लघुकथेपरस ल्हान कथिका हो प्रकार हाताळ्ळो तांचो ‘धर्तरी अजून जियेताली’(1964), उपरांत ‘आशाढ पावळी’, ‘अळमीं’,‘व्हंकल पावणी’, ‘कथिका’, ‘मेघ मल्हार’, ‘जंय वता थंय’, ‘बहुरत्ना वसुंधरा’,‘कथाभारती’, ‘रुपां आनी रुपडीं’, ‘सरभरस’ हे तांचे स्वतंत्र कथा झेले उजवाडाक आयले. तशेंच ‘कोंकणी कथा’(1985) हो 25 कथाकारांच्या कथांचो संग्रह तांणी संपादीत केला. ‘व्हंकलपावणी’ ह्या तांच्या कथा संग्रहाक साहित्य अकादेमीचो पुरस्कार लाभला.

गोंय मुक्ती उपरांत त्या काळावयल्या तरणाट्या पिळगेन कोंकणी कथेक आपल्या विचारांतल्यान आनी लिखणेंतल्यान गती दिल्ली दिसता. हातूंतले कांय कथा लेखक म्हणळयार दामोदर मावजो, पुंडलीक नायक, शीला नायक कोळंबकार, मिना काकोडकार, दत्ता नायक, अच्युत तोटेकार आदी.

दामोदर मावजो हांणी आपल्या कथेंत माजोर्डा वाठारांतलें जिवन चित्रायतना, थंयसरल्या क्रिस्तांव समाजाकूय आपल्या कथेंत हाडलो. तांची जायतीं पात्रा आंतरीक संघर्श करतना दिसतात तशेंच भाई आपल्या कथेंतल्यान जिणेंतलें तत्वगिन्यान मांडटा. 'अशोक' ही तांची पयली कथा जी 1965 वर्सा उजवाडायली. 'गांथन','जागरणां', 'रूमडफूल', 'भुरगीं म्हगेलीं तीं', 'सपनमोगी', 'तिश्टावणी' हे तांचे कथा झेले. तांच्या कथा साहित्याक कोंकणी भाशा मंडळाचो तशेंच हेर संस्थांचे पुरस्कार लाभल्यात. 'हॅप्पी बर्थडे', 'आतां रड', 'मरण येना म्हुण', 'कोंयसांवाली गोरवां','बर्गर','भुरगीं म्हगेलीं ती', 'नवी केस' ह्यो तांच्यो कथा वाचकांच्या मनाचो थाव घेतना दिसता.

1977 वर्सा 'पिशांतर', ताच्या मागीर 'मुठय' आनी 'अर्दुक' हे तीन कथा झेल्यांतल्यान, पुंडलीक नारायण नायक हे कोंकणी कथेक नवें रुप दितना दिसतात. भौसाक जाल्ले त्रास तो आपल्या कथेंतल्यान व्यकत करता. तंत्राच्या नदरेन 'खाटकागेर एक रात', आनी अर्दुक ह्यो स्पेन्सर तंत्रान बरयल्यो कथा उत्कृश्ट देखी थारता.लक्ष्मणराव सरदेसायान चरित्रात्मक कथा बरोवन त्यो 1980 वर्सा 'खबरी कांय कर्माच्यो कांय वर्माच्यो' ह्या झेल्यांत उजावाडाक हाडल्यो. हाका 1982 वर्साचो साहित्य अकादेमी पुरस्कार फावो जाला.

अ.ना. म्हांबरो हे आपल्या कथेंत विनोद हाडटना दिसतात. निवेदनाबगर कथा बरोवपाचो तांचो प्रयत्न फळादीक जाल्लो दिसता. 1985 वर्सा 'पणजी आतां म्हातारी जालां' ह्या तांच्या कथा झेल्याक साहित्य अकादेमी पुरस्कार लाभला उपरांत 2007 वर्सा 'अनाल्यो-अ-कथा' अशें तांचे दोन कथा झेले उजवाडाक आयल्यात. तांच्यो जायत्यो कथा फामाद जाल्यात जश्यो,'भावोजी मेलो','विठूली चावी सांडली', 'गवेत उक्ते जायना'. फुडें तांणीं 1971 वर्सा 'प्रसादफूल' हाततूंत

बारा कथाकारांच्यो कथा संग्रहीत करून आनी दुसरो ‘स्वतंत्र गोंयांतली कोंकणी कथा’ ह्या नांवांन 37 कथाकारांच्यो कोंकणी कथा संपादीत करून, प्रतिनिधीत्व करपी कथा संग्रह उजवाडाक हाडले.

कथेची वाट चलत आयले ते फुडले कथाकार म्हणल्यार महाबळेश्वर सैल. सैल आपल्या कथेंत कारवारचे जिवन रंगयतना दिसातात. सुरवातेकच्या आपल्या कथा झेल्यांत ‘पलतडचें तारू’(1989),‘तरंगां’ हातूंत ते ग्रामीण जिण चित्रायतात. तर ‘बायनेट फायटींग’ ह्या कथा झेल्यांत ते आधुनीक विशय हाताळटात, जाल्यार वाडट्या विकासाक लागूनसैमाचेर जाल्ल्या अन्यायाचेर बरयिल्लो ‘निमणो आक्ष्वत्थामो’. तशेंच 2011 वर्सा उजवाडाक आयिल्लो तांचो ‘दोन मुळांचें झाड’ हो कथा झेलो. तरंगां ह्या कथा झेल्याक साहित्य अकादेमी पुरस्कार लाभला.

उपरांत 1981 वर्सा ‘गळसरी’ मागीर ‘महारूख’,‘नखलामी’, ‘भांगरसाळ’ आनी ‘शिवकथा’ हे कथा झेले बरोवन एन. शिवदास हांणी उजवाडायले. ‘गळसरी’ ही तांची खूब लोकप्रिय कथा. ‘भांगरसाळ’ ह्या कथा झेल्याक 2005 वर्साचो साहित्य अकादेमी पुरस्कार फावो जाला. गोंयचें कुटुंबीक, समाजीक आनी पारंपारिक जिवीत चितारतनाच तांच्यो धार्मीक चाली-रितती, कुड्डे विश्वास आनी भोगावळीय समर्थपणान चित्रायल्यात.

गोंयच्या स्वातंत्र्या उपरांत उजवाडाक येवपी कथांक बरोच हातभार लायलो तो कोंकणी नेमाळ्यांनी. आयज जे बरेंचशें कोंकणी कथाकार आमचे मदीं आसा तांच्यो पयली कथा *कोंकणी टाय्मस्, वांगडी, कोंकणीचें कुळार, चित्रंगी, कुळागर, राष्ट्रमत, जैत, दिवटी , बिम्ब, जाग* आदी नेमाळ्यांनी त्यो प्रसिध्द जाल्यात. तशेंत वर्सान वर्स कोंकणी आकादेमी हेर शिक्षणीक संस्थांच्या जोडपालवान युवा कोंकणी साहित्य संमेलन घडोवन हाडटा. हातूंत साहित्याचेर आधारून सर्ती

आसता. कथा  हो साहित्यप्रकार हातूंत आस्पावित केलां. तशेंच हेर साहित्य प्रकारावांगडाच कथे संदर्भांत कार्यशाळा आयोजीत करता. हातूंत भाग घेवन आनी योग्य मार्गदर्शन मेळोवन आयज जायते कथाकार घडल्यात.

मीना काकोडकार ही कोंकणी कथेंतली बायल लेखिका. तिणें आपल्या ‘दोंगर चंवल्ला’(1976),‘सपनफुलां’ आनी ‘आमी’ ह्या कथा संग्रहांतल्यान कोंकणी कथेच्या मळार मोलादीक भर घालून आपल्या कथांनी प्रयोग केल्लो पळोवपाक मेळटा. ‘आमी’ ह्या तिंच्या संग्रहाक 1991 वर्साचो साहित्य अकादेमी पुरस्कार फाव जाला. मीनाबायची समकालीन आमकां कोंकणींतली दुसरी बायल लेखिका मेळटा ती शीला नायक कोळंबकार. ‘ओली सांज’(1973),‘भुंयचांफी’,‘गॅरे’ आनी ‘कथाशील’ हे तांचे कथा झेले. ह्या कथाझेल्यांतल्यान शीलाबाय कोंकणी कथेच्या मळार आपली खाशेली शैली घेवन येता, तशेंच ‘भुंयचांफी’ ह्या संग्रहांत तिणें व्यक्तिरेखाचेर चड भर दिल्लो दिसता. तशेंच ह्या संग्रहाक 1997 वर्सा साहित्य अकादेमीचो राष्ट्रीय पुरस्कार लाबला.

‘गजानन जोग हे आपली वेगळी कथा लेखन शैली घेवन येवपी कथाकार. तांचो ‘रूद्र’(1986),‘सोद’ उपरांत ‘खांद आनी हेर कथा’,‘पास्त’. ‘सोद’ आनी ‘खांद’ ह्या तांच्या कथा झेल्यांत ग्रामीण जीवन दिसता. ‘खांद आनी हेर कथा’ ह्या तेच्या कथा झेल्याक 2017 वर्साचो साहित्य अकादेमी पुरस्कार लाभला.’[4]हांच्या फाटल्यान ज्योती कुंकळकार ही कथेच्या मळाचेर वावुरताना दिसता. तांचे ‘चित्रांतले वादळ’(1993),‘कन्यादान’ आनी ‘समर्पण’ हे कथा झेले तिणें कोंकणी कथेक ओपल्यांत. ते भायर गोंयांतल्या वेगवेगळया बायल कथा लेखिकांच्यो कथा 'कथा

करंड' ह्या नांवान संपादीत करून 2011 वर्सा उजवाडायलो. हातूंत प्रस्थापीत लेखिकांच्यो कथा आस्पावल्यात.

वसंत सावंत हांणी ‘निवलकाण्यो’ (1994) ह्या आपल्या पयल्या कथा झेल्यांतल्या,‘कालसांव’ आनी ‘नागपंच’ सारक्या कथेंतल्यान वाचकांक आपल्या वटेन ओडून घेतिल्लें दिसता. काणकोणची जीण आमच्या मुखार घेवन येवपी देविदास कदम. ‘कांदळां’(1993),‘जितें मर्ण’ हे तांचे कथा झेले. कोंकणीं कथाकार म्हण जाची पयली वळख जाता तो भालचंद्र गांवकार. हांणी आपल्या कथेंत सामन्य जिणेंतले प्रस्न हाडले. तांचे उजवाडाक आयल्यात ते कथा झेले म्हणल्यार अंदल्ले उस्वास(2001),‘दोंगराचे आंवडे’, आनी ‘गांव नाशिल्ली वाट’. शशांक सिताराम शिरोडकार हांचो ‘नबत’ (1988) हो तांचो पयलो आनी उपरांत ‘परीघ’ हो तांचो दुसरो कथा झेलो. ह्या ताच्या दोनुय कथा संग्रहांक साहित्य अकादेमीचो पुरस्कार लाभला.

ताच्या उपरांत कोंकणी कथेंत आनीक भर घालतना दिसतात तेमधूसुदन जोशीय हांचो ‘खांवटें’ (1997) कथा झेलो, अशोक कामत हांचो ‘अशोकथा’ (2000) आनी ‘कवळयो पिटकळयो’, अरूण सिंगबाळ हांचो ‘कथा अरूण'(2006), दुर्गादास गावडे हांचो 2006 वर्सा उजवाडाक आयिल्लो ‘आदण’, तुकाराम शेट हांचे ‘धर्तरेचो स्पर्श’(2007) आनी ‘भूयदेवी’, रामनाथ गावडे हांचे ‘सावळयो’,‘उतळ जीण’(2008) आनी ‘पिशाक पिंपळ’  अशें तरेचे आपले कथा झेले घेवन हे कथाकार वयर सरले.

‘प्रकाश पर्येकार हांचो ‘वर्सल’ हो कथा झेलो 2021 वर्सा उजवाडाक आयलो. पुस्तक जरी उसरां उजवाडाक आयलां पूण  तांचो लेखन काळ खूब आदलो आसा. प्रकाश पर्येकार हे सत्तरीचे लेखक जांणी सत्तरी वाठार आनी थंयसरलें लोकजीवन आपल्या कथेंत उबें केल्लें दिसता. तांची खाशेली भासशैली तांच्या कथांक खाशेलेपण दिता. कोंकणी कथेक फिल्मांत रूपांतरीत करपाचो तांचो प्रयोग, कोंकणी मळार उंचेलें पावल मारतना दिसता.’[5]

बायलांक खरपणान आपल्या अस्तित्वाची जाण करून दिवपाक येवपी एक बायल कथाकार म्हणल्यार हेमा नायक. पुरूषप्रधान संस्कृताये विशीं ती आपले विचार ‘पसय’(1982),‘दुर्गावतार’ आनी ‘नयनतारा आनी हेर कथा’ ह्या कथा झेल्यांनी मांडटा. “कथेच्या माध्यमांतल्यान स्त्री स्वातंत्रयाचो विचार मांडून कोंकणी साहित्यांत त्या विचाराक अधिष्ठान दिवपाचो मोलादीक वावर तांणी केला.”[6]

2009 वर्सा माया खरंगटे हिणें कोंकणी कथेक भर घालपी आपलो ‘घोंटेर’ हो पयलो कथा झेलो दिलो, उपरांत ‘मळबझेप’,‘मृगजळ’ आनी ‘काळीं कुपां रुपेरी देग’ हे कथाझेले दिले. बायलांच्या सामान्य समस्यांचें चित्रण ह्या कथा झेल्यांतल्यान उबें करताना दिसता.‘गर्जन’[7](1989) मागीर ‘अथांग’ आनी ‘आर्त’ कथा झेल्यांतल्यान जयंती नायक ही समाजांतल्या बायलेचें रूप उबें करता. तिच्या ‘अथांग’ कथाझेल्याक 2004 वर्साचो साहित्य अकादेमीचो राष्ट्रीय पुरस्कार लाभला.

‘कांय म्हत्वाच्यो बायल लेखिका म्हणल्यार, रजनी भेंब्रे हांचे ‘घुस्मट’(1992) आनी ‘नियतीची आषाढ पावळी’, दीपा मुरकुंडे ‘उमजणी’(1998) आनी ‘कालाय तस्मै नमः’, सुजाता सिंगबाळ हांचो ‘स्वीकार’(2009), कुमूद नायक हांचो ‘पावलखुणो’ (2015), सुधा खरंगटे हांचो

‘वतांतलें चान्नें’(2015), स्मिता चोडणेकार हांचो ‘म्हुर्तमणी’(2013), जोफा गोन्साल्वीस हांचो ‘निर्णय’(2010), ह्या कथा झेल्याक पयलो युवा साहित्य पुरस्कार फाव जाला.’[8]अजय बुवा हे आयच्या जिणेंतले कथाकार जांणी कथा बरोवपाक आधुनीक पद्दती वापरल्यो. तांचे उजवाडाक आयिल्ले कथा झेले म्हणल्यार,‘एस. एम. एस’. (2010), ‘बांवरी राधिका’ आनी ‘रुदाली’. तांणी आधुनीक पद्दतीन कथा लेखन केला.

अशेंच आधुनीक जीण चित्रावपी कथालेखक म्हणल्यार, युवा पुरस्कार फावो जाल्लेहेमंत अय्या. 2017 वर्सा तांचो ‘कथाकार’ हो कथा झेलो उजवाडाक तशेंच नरेश नायक हांचो ‘गांवमन’ (2010) कथा झेलो आयलो. तांका 2014 वर्साचो साहित्य अकादेमीचो युवा साहित्य पुरस्कार तशेंच 2023 वर्साचो युवा साहित्यीक पुरस्कार फावो जाला. संजय बोरकार ‘मंगळसुत्र’ (2011), प्रितेश परसाई ‘प्रारब्ध’ (2012), सतीश दळवी 'सुजाता' (2014), उल्हास प्रभू नास्नोळकार 'भावतरंग' (2016), गोरख शिरसाट हांच्या कथेंत सावड्ड्या गांवांतले जिवीत दिसता ‘ब्लॉक’ (2022) ह्या कथा झेल्यांत दिसता. तशेंत तन्वी कामत बांबोळकार ही ‘शॉर्टस’(2023) ह्या कथा झेल्यांत कथुली हो प्रकार हाताळटा. हे कांय आयच्या पिळगेंतले नवोदीत कथाकार.

कोंकणी कथेचे दायज आनीक गिरेस्त करपाक कोंकणीं मोग्यांनी हेर भासांतल्यो कथा कोंकणींत अणकारून हाडल्यो. साहित्य अकादेमी पुरस्कार प्राप्त हे कथा झेले आयज आमकां कोंकणींत वाचपाक मेळटात. हातूंत कर्तार सिंह दुग्गल ह्या मूळ पंजाबी लेखकाच्या कथांचो अणकार माया खरंगटेन ‘चान्या रातीचो दुखांत’ नांवान 2015 वर्सा केलो. रमेश लाड हाणीं 24 कथांचो संग्रह ‘मोटव्यो कथा’ ह्या नांवान 2003 वर्सा उजवाडायलो. प्रेमचंदाच्यो 14 हिंदी कथांचो अणकार करून एन. शिवदासा हांणी ‘मंत्र आनी हेर कथा’ नांवान 2014 वर्सा उजवाडायलो. तशेंच वृषाली मांद्रेकार

हांणी मूळ ओडिया भाशेंतले बरोवपी प्रतिभा राय हांच्या 21 कथांचों अणकार करून ‘उल्लंघन’ ह्या नांवान कथा झेलो उजवाडाक हाडलो. मूळ बरोवपी रॉबीन रॉय चौधरी हांच्या कथांचो 'निकोबारच्यो लोककाणयो' नांवान माया खरंगटे हिणें 2006 वर्सा अणकार केला. फुडें सुनेत्रा जोग हिणें सुधा मुर्ती हांचो मूळ इंग्लीश कथा झेलो ‘आजयेक वाचूंक शिकयतलें,आनी हेर काणयो’ (2012)ह्या नावांन वर्सा अणकारीत करून उजवाडायलो तशेंच सुधा मुर्ती हांच्यो बऱ्यांतल्यो बऱ्यो काणयो वेंचून त्यो ‘हांगा, थंय आनी वचत थंय’ (2020) ह्या माथाळ्या खाला अणकारल्यात.

कोंकणी कथेची वाट सुगूर करताना, आयज कोंकणी साहित्यीकां मदीं हुस्को दिसता तो म्हणल्यार, कोंकणी कवितेच्या मळार जशें पायलेक 25 कथाकार मेळटा तशेंच कथेंत मेळप खूब कठीण आनी देखून कथेचे मळ पडींग पडचें न्हय, नवे आशय-विशय घेवन कथाकार जल्माक येवचे म्हण हालींच साहित्य मंथन सत्तरी आनी कोंकणी भाशा मंडळ हांच्या जोडपालवान 2022 वर्सा ‘कथा लेखन कार्यशाळा’ घडोवन हाडली जातूंत नवोदीत कथा बरोवप्यानी वांटो घेतिल्लो. तांका स्वता दामोदर मावजो, वसंत सावंत आना प्रकाश पर्येकार ह्या कथाकारानी मार्गदर्शन केलें. उपरांत ह्याच हुसक्यान 2023 गोंय विद्यापीठाच्या कोंकणी अध्यन शाखेन ‘पयलें युवा कथा साहित्य संमेलन’ घडोवन हाडलें. जातूंत सुमार वीस कथा लेखकानी वांटो घेतिल्लो.

अशें तरेन वयर आयज मेरेनच्या कोंकणी कथेंत कोंकणी लेखकांनी केल्लो म्हत्वाचो वावराचो दिश्टावो जाता. आमच्या लेखकानी आमच्या भोंवतणेचे विशय हाताळून एकंदर कोंकणी समाजाक कथेंत पडंबिंबीत केलो. काळ बदल्लो तसो नव्या जाणिवेच्यो, आशय आनी विशयाच्यो कथा कोंकणींत आयिल्ल्यो दिसतात. आयज मेरेचो कोंकणीचो प्रवास पळयल्यार ह्यान फुडें कोंकणी कथा अशींच फुडें सरत रावतली हातूंत दुबाव ना.

## संदर्भवळेरी

1नायक, जयंती (संपा.).*कोंकणी लोककाणयो*. साहित्य अकादेमी दिल्ली: साहित्य अकादेमी, 2000, 4.

2नायक, पुंडलीक(संपा.). *समकालीन कोंकणी लघुकथा*. ए-5, ग्रीन पार्क, नवी दिल्ली: नॅशनल बुक ट्रस्ट, इंडिया, 1998, viii.

3मावजो, दामोदर. "कथा एक नियाळ" *कोंकणी भास, साहित्य आनी संस्कृती*. (वेरेंकार श्याम, सरदेसाय माधवी, म्हाळशी कमलाकर- संपा. मंडळ), कोंकणी भवन, शंकर भांडारी मार्ग, विद्यानगर, मडगांव, गोंय: कोंकणी भाशा मंडळ, मार्च 2003, 226.

4 जोग, गजानन.रूद्र. वळवय फोंडें : अपुरबाय प्रकाशन, 1986

5वजरीकार, प्रकाश. *वज्रघात*. वजरी, सांखळी, गोंय : प्राची प्रकाशन, 2010.

6 नायक, हेमा.*पसय*. वळवय फोंडें: अपुरबाय प्रकाशन, 1982.

7 बुडकुले, किरण.*अक्षर सरिता*. आगशीं गोंय: बिम्ब प्रकाशन, 2009, 54.

8नायक, सुशांत. *कथामंथन सिध्दांतीक आनी इतिहासीक विवेचन*. कवळें, फोंडें-गोंय : सानवी प्रकाशन, 2018, 45.

**प्रकरण –4**

# शीला कोळंबकार हांच्या कथांतले आशय-विशय

लेखक समाजांत जगतना ते समाजांत चालू आशिल्ल्या वेगवेगळ्या गजालींचे निरीक्षण करता आनी आनी जे ताका सतायता ते तो आपल्या साहित्यांत हाडटा. अशें तरेन लेखक आपल्या साहित्यांत स्वताच्या भोंवतणच्या समाजाक उबो करपाक कथाबीज मेळटा आनी त्या कथाबीजांतल्यान तो परतो समाजाक एक विचार दिता, वेगळो दृश्टीकोन दिता. शीला कोळंबकार हांच्या कथांनी अशेंच आमकां तिच्या सरभोंवतणचो समाज दिसता, तिचें अणभव दिसता, भोंवतणची पात्रा आनी हरे साबार प्रस्न दिसता. ह्याच गजालींचो अभ्यास सकयल केला.

## 4.1 : शीला कोळंबकार हांच्या कथांतले समाजीक विशय

जेन्ना एक समाज तयार जाता. तेन्ना त्या समाजांतल्यो आपआपल्यो खाशेल्यो रिती परंपरां तयार जाता. आनी ह्या रिती परंपरेप्रमाण तांचें वागप, राहणीमान, विचार करप, वागप, सण-परबो मनोवप, श्रध्दा-अंधश्रद्दा थारता. हाचेवयल्यान दर एक समाज हेरांपासून वेगळो जाता. समाजांतलो दर एक मनीस ह्या रूढी-परांपरांनी बांदील्लो आसता. तो जरी कितलोय तांचें पासून पयस गेलो तरीय ताका त्यो लागताच देखून समाजांत ह्यो सगळयांत म्हत्वाच्यो. अशेंच तरेन शीलाबाय ज्या समाजांत

वाडलां, रावला तो समाज, त्या समाजांतल्यो तरेकवार चाली-रिती, परंपरां, विचारधारा तिच्या कथेंत आयिल्ल्यो दिसतात.

आमच्या समाजांत भार येवप ही एक धार्मिक संकल्पना आसात. 'भार' येवप म्हणल्यार गांवच्या देवळांत वा घरांत देवकार्य आसता तेन्ना त्या गावांतलो वा त्या घरांतलो एक मनीस खुदता, म्हणल्यार तो भानार उरना, वास्तविकतायेचे जग विसरून तो दुसऱ्या जगांत पावता आनी त्या मनशांत दैवीक शक्ति येता, ताच्या रूपान देव वा देवी लेकांकडेन संवाद सादता अशें मानतात. भार हो एका थारावीक मनशाचेर येता. तो मनीस मेल्या उपरांत मागीर तेच्या घरांतल्या वा गांवांतल्या दुसऱ्या मनशाचेर येता. भारान आशिल्लो मनीस मनशाचेर वा  गांवाचेर कितें अरिश्ट येवपाचे आसा, कोणाचे कितें चुकलां तें सांगता तशेंच कोणाकूय कसली बादा जाला जाल्यार ती पयस करता. आयज आमी विकसीत जावन लेगीत असल्या तरेच्यो धार्मिक गजाली मानता आनी आजुनय ताका तितलोच म्हत्व आसा. शीलाबायच्या भार हे कथेंत असोच एक विशय आमकां दिसता. ह्या कथेंत असोच भार दामूचेर येता. दामूचेर पयलेच फावट भार आयल्लो. दामूचो बापूय मरून दामू आनी ताची आवय घरांत दोंगांच रावताली तेन्ना आवडूच्या घोवाचो भार दामूचेर योता. "दामू ल्हान देखून ती दामूक कुशींत घेवन न्हिदिल्ली. आनी सगळो गांव देवळाम्हऱ्यांत एकठांय जाल्लो. गांवचो घाडी आयज थरतलो आशिल्लो. धोल ताशे वाजताले. भट गाराणें घालतालो. दामू सुस्त न्हिदील्लो तो बोब मारीत उठलो. आनी कितें जालें तें तिका कळचे पयलींच दाराची खिळी काडून धांवत सुटलो. तिका कांयच कळ्ळें ना. तीय घरदार उकतें घालून गेली देवळाकडे...आनी तेन्ना सावन दामूचेर भार येतालो."[1]

कथेंत दामूक जेन्ना समज येता, तेन्ना ताका ह्या सगळ्याचो विट येता. ताका हातूंत विश्वास नासता आनी ही कथाच भार संकल्पनेक बंड करून सुरवात जाता. त्या दिसा मंगळारचो दामूचेर बार

येवपाचो आसता तेन्ना तो आपल्याचेर भार येंवचो न्हयम्हूण धर्माच्या निती-नियमा आड वचून करपाक जायनासले ते सगळें करता. तो त्या दिसा न्हायना, नुस्ते खाता, घरां बेगीन वचना आनी इश्टागेर रावता तांणें इतले करून लेगीत ताचेर शेवटाक भार येताच.आमचो समाज हो देवाचेर विस्वास दवरता पूण ती श्रध्दा आपले मर्यादे भायर वयता तेन्ना, अंधश्रध्दा जल्माक येता. ही अंदश्रध्दा समाजांत कांय चुकीचे समज तयार करता जाका लागून आमचे वांगडा जेन्ना कितेंय वायट घडटा तेन्ना आमी ताचें धार्मीक नदरेंतल्यान कारण सोदता वा काल्पनीक तरेन ताचो तर्क लायता.

'भार' ह्या कथेन सांवरिच्या झाडाक धरून असोच एक समज दिसता. दामू शाळेंत वयतालो तेन्ना दामू आनी ताची वांगडची पाटी पुसपाक सांवरीचीं फुलां वापरतालीं. पूण फुलां वेंचताना ती 'राम राम' म्हणीत वेंचतालीं. कारण तें झाड आलवंतीण पुरता थंय जाता आनी ती भुतां मागीर पिशें लायतात अशेंतरेच्या झाडा-पेडांक वा जाग्याक धरून जायते समज आयज आमकां दिसतात जे आमच्या जाणट्यांनी तयार केल्ले. हे समज मनशानी मनशाच्या बऱ्याखातीर तयार केल्ले पूण उपरांत ताका अंधश्रध्देचे नांव पडलें. तशेंच त्या कथेंत आनीक समज दिसताता ते म्हणल्यार, ज्या मनशाकक पिशें लागलां वाजाची मानसीकता सारकी ना ताका भार आयिल्लो मनीस मारून ताचेर जें भुत बसलां तें काडटां. फुडें दामू जेन्ना भारार एका म्हाताऱ्याक ताच्या घरांत आशिल्ले गुप्त धन मेळोवपाक ताच्या नातवाक मारचो पडटलो अशें सांगता तेन्ना तो म्हातारो गुप्तधनाक लागून आपल्या नातवाक मारता. हांगा मनशाचो सुवार्थ दिसता. अशेंच आनीक जायते तरेचे समज आमी पाळटात. हे समज आमकां खुणायता, कितें तरी सुचीत करता वा मनांतल्या जाप नाशिल्या प्रस्नांक एक काल्पनीक जाप दिता.

नवीन व्हंकल न्हवरो जेन्ना लग्न जावन सोयऱ्यांगेर वता तेन्ना व्हंकलेचीं व्हंट भरता आनी न्हवऱ्याक कितेंय दिता. अशींच ही हिंदू समाजांतली आदली परंपरां 'भाभी' ह्या कथेंत दिसता. निवेदक भाभीक लग्न जावन जेन्ना आपल्या आजयेगेर व्हरता तेन्ना, थंय तिची व्हंट खणान भरता. कथेंन ती खणान भरता म्हूण आयलां पूण आतांच्या वेळार चडशी व्हंट साडयेन नाजाल्यार ब्लॉवज पिसान भरता.

आदल्या काळार आमच्या समाजांत लग्नाच्या वेळार व्हंकलेकाराकडसून हुंडो घेवप ही परंपरां खूब रूड जाल्ली दिसता. लग्नाखातीर चल्यान आपलीच धुव पसंद करची जाल्यार न्हवऱ्यागेले जें जें मागता तें व्हंकलेकारांक दिवंचे पडटालें आनी दिना जाल्यार लग्न जायनासले. एका चेडवाचे जेन्ना लग्न थारता पूण फक्त हुंड्या खातीर ते मोडटा तेन्ना, समाजांत त्या चलयेक आनी घरच्यांक केदी व्हड लज ती 'भाभी' ह्या कथेंत दिसता. हुंड्याखातीर भाभीची जाल्ली सोयरीगत मोडपाची आसता पूण दादान त्याच चलयेकडेन म्हणजे भाभीकडेन लग्न जातलो असो हट्ट धरिल्यान तिची सोयरीगत मोडाना आनी तिची अब्रु वाटावता. ह्याच कारणाखातीर तिका आपले लग्न एका बेबद्या चल्याकडेन लग्न जालां हे दुख नासता कारण ती, त्या चल्याक लागून समाजांतल्या दुशणा पासून वाचिल्ली आसता आनी हेच ती आपले सुख मानता."म्हजें लग्न तुगेल्या दादाबरोबर थारलें. साकरपुढो जालो. तुजे काकीन पांच तोळे भांगर आनी एक हजार रुपया मागले. लग्ना आदींच भांगर आनी सशें रुपया म्हज्या बापायन व्हरून दिले. उरिले मागीर दितां म्हण सांगलें. म्हज्या बापायकडेन उरिल्ले पयशे जमले ना.लग्न मोडूंक पावलें. आनी तूं जाणा लग्न मोडप म्हणचे कितें जावप तें जीव दिवपाखेरीज म्हाका दुसरो उपाय नाशिल्लो. म्हळयार तुगेल्या भावान म्हाका वाचयलें. ताणे सांगलें खंय, लग्न जायन जाल्यार हेच चलयेकडेन... नाजाल्यार लग्नूच जावचो ना...."[2]

‘दुसरें घर’ ही कथा अशींच हुंड्याचेर आदारीत आसा. बाबुशाची सोयरीगत पयलीं ज्या चलयेकडेन थारिल्ली ती सोयरीगत तुट्टा कारण ती चली गरीब घराण्यांतली आशिल्ल्यान बाबुशाच्या घरच्यांक जितलो हुंडो जाय आसता तो दिवपाक तांकां जामना. उपरांत बाबुशाचें लग्न अमीता ह्या चलयेकडेन थारता पूण अमीताचो दुसऱ्या चल्याचेर मोग आशिल्ल्यान तें त्या चल्यावांगडा लग्नां आदले दीस पळून वता. बऱ्या हुंड्याच्या आशेन राविल्ल्या बाबुश्याक आपली चूक कळटा आनी परत तो त्या पयलींच्या गरीब चलयेकडेन लग्न जावपाक तयार जाता. अशें करून बाबुश नवो विचार घेवन कथेंत फुडें सरताना दिसता.

सोयरीगत ही अशींच आमच्याकडेन परंपरेंन चलत आयिल्ली एक रित. सोयरीगत म्हणल्यार न्हवऱ्यागेल्यानी लग्नाखातीर चली पळोवपाक व्हंकलेगेर वचप. आनी ही रित आयजलेगीत आमच्या समाजांत आमकां पळोवपाक मेळटा. ‘खास्त मोग केल्याची’ ह्या कथेंत लग्नाखातीर कथेंतल्या मुखेल पात्र चलयेचे सोयरीगती खातीर प्रदर्शन मांडिल्ले पळोवपाक मेळटा. सोयरीगती वेळार सगळीं उमेदीन आसताच पूण तेन्ना व्हंकलेक कसो मानसिक्त त्रास जाता ते ह्या कथेंतल्यान लेखिकेच्या माध्यमांतल्यान दिसता. आयज आमच्या भोंवतणी इतलो विकास जावन लेगीत न्हवरो आनी घरचीं चलयेक पसंद करपाक तांगेर वयता. पूण केन्ना चली चल्याक पळोवपाक ताच्या घरा येना. पिळग्यान पिळगी चलत आयिल्ली ही परंपरां त्या सोयरीगत वेळार आनी मागीर लेगीत चलयेच्या मनाचेर कितलो ताण आसता हाचो आमी केन्ना विचार केलां? सोयरीगतीक आयिल्ले सगळें जाण व्हंकलेक बारीक नदरेन पळयतात, ताची दर एक चालणूक, रूप, रंग, सगळें नियाळटा जशें वस्तू घेवपाक आयिल्ल्या वरी पूण चल्याक मात कोण बारीकसाणेन पळयना आनी शेवटाक चलयेच्या मनांतले जाणून घेवच्या पयलीच ताचे चल्याचे मत येता. प्रदर्शनाक लायल्ले चली आवडले जाल्यार बरें नाजाल्यार मागीर ताच्यो बारीकांतल्यो बारीक खोडी काडून ताका नाकार

धाडप आनी पयली सोयरीगत मोडल्यार उपरांत त्या चलयेक परत दुसऱ्या चल्यामुखार स्वताक सजोवन मांडूक तयार रावचें पडटा.

अश्याच तरेन शीलाबायच्या कथेंत आमकां कांय समज पळोवपाक मेळटात. 'घरा फुडल्यान कावळो आड्डुवप'. जेन्ना कावळो आड्डत्ता तेन्ना आमकां दिसता आयज कोण ना कोण सोयऱ्या येताच आनी कांय फावटी हें खरेंय जाता. अशेंच जेन्ना निवेदीकेच्या घराफुडल्यान कावळो आड्डता तेन्ना तिका दिसता आतां सुरेश येतलो आनी तिच्या मनाप्रमाण सुरेश येता.

'स्त्राप दिवप वा सोडप' हो एक समज आमच्या,समाजांत रूढ जाल्लो दिसता. 'स्त्राप' ह्या कथेंत हेमाचो मोगी महेश गोंय मुक्ती लढल्यांत वावुरतालो. महेशाच्या पंगडांत जे वांगडी आसलें तातूंतले कांय जाण पोर्तुगेजांक लागीं जाल्ले. तातूंतलो एकलो आसलो तो हेमाच्या इश्टिणीलो घोव म्हणपाचे महेशाक कळील्ले. हेमाची गोंय मुक्ती लढ्यांत काम करपाची इत्सा पळोवन महेश सुधाच्या घोवाक मारपाचे काम हेमाक दिता आनी हेमा ते काम पुराय करता. आपल्या इश्टिणीनुच आपल्या घोवाक मारलो हें पळोवन सुधा चवताळून म्हणटा, "तूं, तूं पापीण, राक्षसीण, म्हज्या घोवाक तुवें माल्लो. तूं.....तूं.....तूं.....तुवें म्हज्या भांगरासारक्या संवसाराक उजो लायलो.... खंयच्या जल्माची म्हजी तूं वैरीण गो? आ? तूं...तू... तुका, तुका संवसार सुखीकेन्नाच मेळचे ना. तूं.... केनाच सुखी जावचेंना....हाss हा... हा. Ss"[3] उपरांत महेशाक पोर्तुगालाक बंदखणींत घालता आनी गोंय मुक्त जाले तरी महेश मुक्त जायना. हेमा ताची वाट पळयत लग्न जायनासताना रावता. आनी तेन्ना ताका सुधाची ही उतरां याद जाता. ताका दिसता, सुधान सोडिल्लो स्त्राप ताका लागलो आनी देखून आयज ती इतली पयस आसात.

आमच्या भोंवतणी वेगवेगळ्या जाती धर्माचीं मनशां आसात पूण समाजांत धर्मापरस जाती म्हत्वाचो. मनशान जात पळोवन चार-चौगांत ताचो दर्जा थारता. उच्च वर्गीय, मध्यम वर्गीय आनी निम्न वर्गीय अशें जाती भेद आनी तातूंत आमकां परत वेगवेगळ्यो पोट जाती पळोवपाक मेळटा. एका वयल्या जातीच्या मनशान सकयल्या जातीच्या लोकांबरोबर भोवप, तांगेर वचप, तांचें खावप, लग्न करप हे सगळें वायट मानताले. सकयल्या समाजाचे लोक सदांच वयल्या समाजी सेवा करीत आयल्यात. आनी अश्याच तरेचो भेद 'वाट पळोवपाची' ह्या कथेंत दिसता. सुमतीचो आनी महेशाचो एकामेकाचेर मोग आसता पूण तांचे लग्न करून दिवपाक महेशाची आवय तयार नासता कारण सुमती हे सकयल्या जातीचे चली तर महेश हो बामण म्हणल्यार वयल्या समाजांतलो. महेश सुमती वांगडा लग्न जायत जाल्यार आपूण जीव दितली अशी महेशाची आवय ताका सोपूत दिता. आनी ह्या भयान तो सुमती वांगडा लग्नजायना. सुमती कडेन महेशाची आवय केन्ना मरतली हाची वाट पळोवपाची सोडून आनीक कांय मार्ग नासता. 'वाऱ्यावेलें सपन' ह्या कथेंत निवेदीकेच्या भावचो आनी तुळशीचो एकामेकाचेर मोग आसता. पूण तुळशी हे भाविणीले चली जाल्यान तांच्या लग्नाक निवेदीकाच्या घरचीं मान्यताय दिनात. 'कित्याक' हे कथेन लेखिका म्हणटा, "एक दीस अकस्मात म्हाका सोद लागलो, तो आमचे जातचो म्हणपाचो. आनी मॅथ्युन केल्ली मस्करी खातखुतली करूंक लागली म्हाका."[4] इतले दीस लेखिकेक जेन्ना मॅथ्यु आपल्या इश्टाबद्दल सांगतालो तेन्ना तिका कांयच दिसनासले पूण जेन्ना तिका कळटा तो तिच्याच जातचो म्हूण तेन्नाच्यान तिका ताचेर मोग जाता. हातूंतल्यान जात संदर्भांत जो समज आमच्या भितर कितलो खर आसा ते कळटा. महेश हो शिकिल्लो सवरिल्लो भुरगो आसून लेगीत ताका पिळग्या पिळग्या पासून चलत आयिल्या परंपरेक घट धरचेच पडटा तो आनीक कांय करपाक शकना. तशेंच दुसऱ्या कथेंत लेखिका मोग लेगीत जात पळोवन करता.

‘एक इंतेरपादीकाराचेर’ ह्या कथेंत क्रिस्तांव समाजाच्यो कांय चालीरिती पळोवपाक मेळटा. क्रिस्तांव समाजांत जेन्ना कोण मरता तेन्ना ताका सीमेत्रीन व्हरून कॉफीनान घालून पुरता. कोणाच्या मर्णाक वयता तेन्ना ताका इंतेराक वयता अशें म्हणटा. तशेंच मर्णाक वयताना काळे रंगाचे कपडे घालपाची तांची चाल आसा. हिंदू समाजांतलो मनीस जेन्ना कोणाच्या मर्णाक वचत वा मनीस मेला ताका बारां दीस जावचें पयली ताच्या घरच्यांक जाप दिवपाक वचत जाल्यार, तो वचून आयल्या उपरांत आपल्या घरांत भितर सरचे पयली घरां भायर आडसाक रावन न्हावपाचे वा आंग भिजोवन कपडे भायरूच काडून दुसरे कपडे घालून घरांत सरपाची चाल आसा. अशें दोन धर्मामदले वेगळेंपण ह्या कथेंत दिसता.

‘काणी एका शुक्राराची’ ह्या कथेंत मद्रासी समाज आनी गोंयचो हिंदू समाज हातूंत बापायक उलो करताना तेका आप्पा म्हणटा, बापायच्या भावाक कोंकणींत काका म्हणटा जाल्यार मद्रासी समाजांत चित्तप्पा. ‘ओमना’ ह्या कथेंत आमकां केरळच्यो चाली-रीती पळोवपाक मेळटा. ओमना ही केरळची आशिल्यान कथेंत दर खेपेक तिचो उल्लेख येता तेन्ना ती आपल्या केरळ वाठाराची वळख करून दिता. देखीक मलयाळी भाशेंत चलयांक उलो करताना शेवटाक ए स्वर जोडटा (ओमनाचे ओमने जुता), आवयक ‘आप’ अशें म्हणटात, केरळ समाजांत बायल घरचीं मुखेली. चली जेन्ना लग्न करून वयता तेन्ना ताच्या आवय-बापायवांगडा न्हवऱ्याचीय आवय-बापूय रडटा कारण तांच्यो चलो आतां दुसऱ्यांलो जालो म्हूण, तशेंच घोवाघरचो कोण मेलो जाल्यार सगळ्यांक सुतक लागता सोडून सुनेक आनी तिच्या भुरग्यांक, तांचे सगल्यांत व्हड वेगळेपण म्हणल्यार केरळच्यो लग्न जाल्ल्यो बायलो मणी घालीनात फक्त सरपळी घालतात.

अशेंतरेचे वेगवेगळें समाज आनी तांच्यो खाशेल्यो चाली-रिती आमकां तांच्या साहित्यांत पडबिंबीत जाल्यो दिसतात कारण शीलाबाय लग्न जावन मुलूंड सारक्या शहरांत प्लॅटानं रावताली तेन्ना तिच्या भोंवतणी हेर फ्लेटांनी अशेंच तरेतरेच्या समाजाचे लोक राबितो करताले आनी होच परिणाम तांच्या कथांनी दिसता.

## 4.2 : शीला कोळंबकार हांच्याकथांतलो संघर्श

मनशाचेर जेन्ना अत्याचार जाता, तेन्ना तो त्या अत्याचारा आड वयता आनी ह्या विरोधांतल्यान संघर्श निर्माण जाता. तशेंच मनीस आपल्या जिणेंत कठीणांतल्या कठीण परिस्थितींक तोंड दिवन फुडें वता आनी एक बरी जीण जगपाग ताचो जिणेकडने संघर्श सदांच चालूच आसता. संघर्श दोन प्रकारांचे आसता. पयलो आंतरीक संघर्श हो मनशाच्या मनांत स्वताचकडेन चालू आसता. दुसरो बाह्य संघर्श जो दुसऱ्या मनशाच्या, ताच्या विचारांच्या विरूध आसता. संघर्शान सदांच एक चिडूडपी आनी चिडूडुपी आसता. जो कोण चिड्डता ताका आपल्याचेर अन्याय जाता हें जाणवता आनी तो विरूध्द वचपाचे चित्तता तेन्ना संघर्शाक सुरवात जाता. शीलाबायच्या कथांनी असोच तरेचो संघर्श दिसता. हातूंतल्यो कांय देखी सकयल चर्चेक घेतलां.

‘हांव वांजूड न्हय’ ह्या कथेंत इंदू ह्या लग्न जाल्या बायलेचेर समाज आनी घरचीं अन्याय करतना दिसतात. मामीचे, मांयचें आनी घोवाचे त्रास तें सोंसता. पूण जेन्ना इंदू स्वताच्या कमीपणाखातीर गुरवार जायना, असो  फटींचो आरोप ताची मांय आनी घोव ताचेर करता तेन्ना मात तें वगी रावना. आपल्याचेर जावपी अत्याचार थांबोवप ही एकूच इत्सा घेवन तें वावुरता. ताची मांय

आनी घोव जे कितें करपाक सोदता त्या दर एके गजाली आड वता. तें आपली आनी घोवाची टेस्ट करून घेता, घोवाची जाल्ली सोयरीत मोडटा. आपल्याक भुरगें जायना हाचें कारण आपूण न्हय तर आपलो घोव हें सत्य समाजाक सांगपाक तें, दुसऱ्या दादल्याचो आदार घेवन गुरवार जाता आनी आपल्या संघर्शमय जिणेक तें मुक्त करता.

'निर्शेणी' ह्या कथेंत समाजांत चलयेचेर घातिल्ल्या बंधनांक लागून कथेंत लेखिका कांय काळ आवडी आपल्या पासून पयस उरता. पूण ती त्या दबावान स्वाताक बांदून घेनासतना त्या परिस्थितीक तोंड दिवन आपलो जगपाचो वेगळो मार्ग सोदून काडटा. हातूंतल्यान एके अस्तुरेन आपल्या हक्का खातीर  झगडल्यारूच तिका सुटका मेळटली आनी समाज तिका जाय तसो जगपाक दितलो हें दिसता. लेखिकेची आवय परिक्षा दिवपाक तिका मुंबय धाडपाक सोदिना, शिवणसुत शिकपाक भायर धाडिनासतना ताका घरांत सगळें शिकपाक लायता पूण लेखिका ह्या सगळयां गजालींक बंड करून आपल्याक जाय तशीं जगता.

शीलाबायच्या कथेंतले घोव-बायलेचे संबंद पळयत जाल्यार पुराय संघर्शान भरिल्ले दिसता. घोव आनी बायलेचे नातें हें विश्वासाचे तशेंच एकामेकांक समजून घेवपाचें. पूण तांचें विचार, इत्सा भावना ह्यो वेगवेगळयो आशिल्यान घोव-बायले मदीं संघर्श दिसता. त्या काळार पुरूशप्रधान संस्कृती आशिल्यान बायल ही घोवाच्या विचित्र मानसीकतेक लागून चिड्डता. 'शेखर मेलो', 'विळख्यांतली व्यथा', 'इल्लें शीं, इल्ली गर्मी', 'बायलमनीस' ह्या कथांनी बायल आपल्या घोवाच्या विचारांकलागून स्वताच पासून पयस जाल्ली दिसता. ती बायलां म्हूण तांकां घरांत दुय्यम स्थान दिल्ले दिसता. बायलांक जाय ते करूंक दिवप ना, तांचेर दुबाव घेवप, आपल्याक जाय तेन्नाच तिका लागी वोडप अशेंतरेचे बायलेचे हांगा संघर्शात्मक जिवन दिसता. हें सगळें अन्याय अत्याचार

सोसून वगी रावानासतना बारीक बारीक गजालींतल्यान बायल विरोध करताना दिसता. तांका आपल्याचेर आत्याचार जालां हाची जाणिव जाता.

'घाय' कथेंतलो गोंयदा ही व्यक्तिरेखा पळयत जाल्यार कथेच्या शेवटाक ताचो आंतरीक म्हणल्यार स्वताचकडेन संघर्श सुरू जाता. गोंयदा निमाचेर उपाट मोग करतालो तो ताच्या मोगांत पिसो जाता. एकदीस निमा ताका एक चीट आपल्याक इश्टाक दिवापाक सांगता तेन्ना गोंयदा ती चीट पावयता. कथेच्या शेवटाक गोंयदाक जेन्ना ज्या चल्याक तांणें चीट व्हरून दिल्लीं त्याच चल्यावांगडा निमा पळून गेलें हें कळटा तेन्ना तो स्वताकूच खेपत. कारण तांणें तांची पळून वचपाची चीट पावयली म्हूण निमाक पळून वचपाक मेळटा. 'स्त्राप' ह्या कथेंत हेमाची संगर्शमय जीण दिसता. हेमाचो आनी महेशाचो एकामेकाचेर मोग आसता. गोंय स्वतंत्र मुक्ती लड्यांत काम करता म्हूण महेशाक पुर्तुगालांत बंदखणींत घालता. गोंय स्वातंत्र जाता पूण महेशाक सुटका मेळना. हेमाची लग्नाची पिराय जावन वता तरीय तें दुसऱ्याकडेन लग्न जायना. महेश आपल्यापासून पयस आसा हें विसरपाक तें ताचे यादींत धवी खादिची साडी न्हेसतां, सकाळीं थंड उदक न्हातां. हें केल्यान ताका महेश दर खेपेक आपल्या कुशीक आसल्याचे जाणवता.महेश आनी तें इतली पयस जावपाक आपल्याक गुन्यांवकारी थारयता कारण तें जेन्ना ताच्या इश्टीणीच्या घोवाक मारता तेन्ना ताची इश्टीणी सुधा, हेमाचो संवसांर केन्नाच बरो उरचो ना असो स्राप सोडटा. अशें तरेन हेमा आपल्याच कडेन संघर्श करताना दिसता.

शालाबायच्या कथेंतली चली व्यक्तिरेखा समाजान जेन्ना पावल घालता तेन्ना समाजान घालून दिल्या फास्केंत जगनासतना, स्वताक जाय तशीं जगपाखातीर तांचो संघर्श दिसता. 'अशींच एक दनपार' ह्या कथेंतले चली पात्राक शिकपाची, पुस्तकां वाचपाची आवड आसता पूण ते चली

जाल्यान ताका ताच्या मनासारके करपाक मेळना. ताका ते जिवीत वास्तवांत मेळचेंना हे खबर आसा देखून तें स्वताचे काल्पनीक जग तयार करता. 'चलये आवय' हें कथेंतले लताक अश्या तरेची संघर्शात्मक जिण जगची पडटा. तें एक चली जाल्यान ताका शिक्षण मेळना. समाजाच्या चाली-रितींचेर तेचेर दबाव आसता आनी ह्या दबावाक ते विरोध करपाचो सातत्यान प्रयत्न करता पूण तशें घडना आनी शेवटाक ताका आपले शिक्षण सोडून लग्न करचेच पडटा.

अशें तरेन शीलाबायच्या कथेंत मनशाच्या जिणेंत संघर्श कसो रूजिल्लो आसा ते कळटा. कोणाची जीण ही सादी, सोपी वा सरळ नासता. जिणेंत संघर्श आसात म्हणून तिका म्हत्व आसा. कारण संघर्श करून मेळल्ले सुख आनी मान हो भांगराळो आसता.

## 4.3 : शीला कोळंबकार हांच्या कथांतलें नाविन्य

लेखकाची निरीक्षण दृश्टि वा आणभव विस्तारता तेन्ना ताका सदचीं जीण सोडून नवीन विश्व आपल्या भोंवतणी तयार जाल्लें दिसता. अशेंतरेन जेन्ना ताचो संपर्क नव्या गजालींकडेन येता तेन्ना त्यो तो आपल्या साहित्यांत मांडटा. शीलाबायच्यो कांय कथा पळयत जाल्यार त्यो नव्या आशय आनी विशयांक रूप दिताना दिसता.

'सावित्री' ह्या कथेंत सावित्री ह्या पात्राची न्युड चित्रा काडपाची आवड दिसता. मनीस जेन्ना समाजांत रावता तेन्ना समाजान तयार केल्ल्या एक मार्यादेभितर रावचे पडटा. आनी जेन्ना तो मनस हे मर्यादेभायर वता तेन्ना ताका समाज कसो चरित्रहीण करता ते ह्या कथेंत दिसता. न्युड म्हणल्यार

नागडीं चित्रां काडपाचो हो साहित्यांत आयिल्लो नवीन विचार. सावित्रीचेर न्युड चित्रां काडटां म्हूण ताचेर आरोप जाता कराण तें एक चली म्हूण. पूण सावित्री हे आधुनीक विचारसरणेचे चली जाल्यान आपल्याचेर इतलो आरोप जावन लेगीत तें, आपली खाशेली, वेगळें कितें करपाची इत्सा घेवन मुखार वता. चली भुरगें म्हूण खंयच फाटीं रावना.

'नवी पिडा' ह्या कथेंतले ज्योती आपल्या व्यथेक नवी सुटकावाट करून दिताना दिसता. आपल्याक जावपी दिसपट्टे त्रास विसरपाक चडकरून दादलेच सोरो पियेताना दिसता. पूण ह्या कथेंत बायल आनी दादलो हांचें मदीं फरक न दवरता आयची बायललेगीत आपल्याचेर जावपी अन्याय अत्याचार विसरपाक सोऱ्याचो आदार घेवंक शक्ता हे ज्योतीकडल्यान कळटा. आयची बायल ही दुख सोंसता पूण ती तें मोन्यांनी घेवन रावनासतना तें व्यक्त करपाक आपलो दुसरो मार्ग आपणायता.

'बायलमनीस' ह्या कथेंतली जाण्टी बायल अस्तुरेक स्वताच्या स्वतंत्रतायेची जाणीव करून दिताना दिसता. जायत्या काळासावन घरांत आपूण बंदखणींत उरली, आपल्याक कितें जाय नाका हाचो केन्ना कोणी विचार केलो ना, गरजेपुरते आपल्याक वापरले हाची जाणीव ह्या कथेंतल्या सुजाताक जाल्यान ती जाणट्या पिरायेचर घर सोडून आपल्याक जाय तशीं जगपाक वयताना दिसताएके बायलेक आपल्याक भुरगें जावप हें म्हत्वाचे पूण भुरगें जाताना तिका जाल्लें त्रास तिणें सासणांचें सुख समजून आपल्याच मनाची समजूत घालयली. पूण 'एक थारावणी' हातूंतल्या लेखिकेचे आधुनीक विचार दिसता. हातूंत ती दुसऱ्यांचे चितना स्वताच्या भलायकेचे चित्ता आनी बाळंत जाताना जाल्ले त्रास एकदां सोशिंल्यान तिका ते परते नाका आसता. ती आपल्याक आनीक दुसरें भुरगें नाका म्हणटा ताचे आनीक एक कारण म्हणल्यार समज तिका चली जालें जाल्यार ह्या

समाजांत ताका जावपी त्रास तिच्यांत पळोंवक जावचें नासलें. आपल्या भलायके, आनी फुडल्या भुरग्याच्या जिणेविशीं विचार करतना ही अस्तुरी दिसता.

'डॉली' हें कथेंत दोन पिळयांमदीं फरक दिसता. आयची भुरगीं कितलीं विकसीत हें डॉली सांगता. डॉली हें आतांच वयार आयिल्ल्यान ताची दर एक हालचाल ताच्या आवयक खटकता कारण चली भुरगें. तें आतां रोकडेंच जाण्टे जातलें आनी मासीक पाळयेविशीं ताका उक्तेंपणान कशें सागंप हे सदांच सुमति चित्ताली. एक दीस डॉली आवयकडेन अचानक सॅनिटरी नॅपकिन मागता तेन्ना सुमति अजाप जाता. उपरांत डॉली सुमतिक आपल्याक कांय दीस पयलीं मासीक पाळी आयिल्ली आनी इश्टीणी ताका पयलींच सगळें  समजायिल्लें हें सांगता तेन्ना सुमतिक आजाप जाता. जी गजाल आदल्या काळार लिपोवन दवरताली तिच्या बद्दल आयज कितल्या उकत्यापणान उलयता ते कळटा. बदलती विचारसरणी ह्या कथेंत दिसता.

'मोग' कथेंतले आधुनीक विचारांचे चली त्या काळावयल्या आनी आयच्या लेगीत चल्यांक नवो विचार दिता. रश्मी आनी बिपीन दोगांयचो मोग आसता. पयल्यांच फावटी जेन्ना ती मेळपाची आसता तेन्ना बिपीन आपल्याखातीर गित म्हणटलो, नाच करतलो अश्यो इत्सा घेवन तें बिपीनाक मेळपाक वयता. जेन्ना तांका एकांताची सुवात मेळटा तेन्ना एकामेकाक समजून घेवंच्या पयलींच बिपीन रश्मीचो उमो घेवपाक वयता, तेन्ना बिपीनाचे वासनेच्या बकीक पडनासतना आनी स्वताच्यो इत्सा मतींत दवरून रश्मी उठ्ठा आनी वताना बिपीनाचेर थापट मारता. रश्मी दर एका अस्तुरेक स्वताच्या अस्तित्वाची जाण करून दिता. दादल्यांच्या भुके वांगडा बायलेक स्वताच्यो इत्सा जाग्यो दवरपाक आत्मविस्वास दिता. ह्याच सारकी 'हांव वाजूंड न्हय' ही कथा आयच्या बायलेचे चित्र उबें करतना दिसता. जी स्वताचे अस्तित्व राखून दवरपाक दर खिणाक तळमळटा. अश्याच तरेन

खंयच्याच बंधनांत स्वताक बंदीस्त करीनासतना आपल्या विचारांक फुडें घेवन वचपाक ह्यो कथा वाट दाखयता.

'जाय तसली जीण' ह्या कथेंत प्रो. वर्दो हो कथेंत नास्तिक विशय घेवन येता. नास्तिक म्हळ्यार तो देवाक मानीना. तशेंच ताका बायलांनी आदली बंदीस्त जीण जगनासताना आयच्या आधुनीक काळावयली जीण, विचार आपणायल्लें जाय आसता. प्रॉ. वर्दो हो आपल्या बायलेक आनी धुवेक कसल्याच तरेची बंदखणींत घालीनासतना तांका उक्तेंपणांत उडपाक दिता. बायलेक फुडें काडून हे जग सुदारपाक जाय हो विचार हे कथेंत दिसता. अश्या कांय वेंचीक कथांची देख घेवन शीलाबाय बदलत्या काळावांगडा आपल्या कथेक व्हरपाचो प्रयत्न करतना दिसता. आधुनीक विशय हाताळून ती वेगळो विचार दिता.

**संदर्भ** **वळेरी**

1कोळंबकार, शीला.*ओली सांज*. प्रियोळ, म्हाड्डोळ-गोंय: जागप्रकाशन, 1973, 82.

2 वयलोच संदर्भ, 69-70.

3वयलोच संदर्भ, 27

4कोळंबकार, शीला.*गॅर*. वळवय फोंडें गोंय: अपुरबाय प्रकाशन, 2007, 10.

# प्रकरण - 5

## शीलाकोळंबकारहांच्याकथांतलीव्यक्तिरेखा

कथेचो सगळ्यांत पयलो आनी म्हत्वाचो घटक म्हणल्यार कथानक आनी ताच्या उपरांत येता तो पात्र चित्रण. आपल्या साहित्यांत लेखक वेगवेगळीं पात्रा हाडून, वेगवेगळ्या परिस्थितींत मनीस कसो प्रतीक्रिया करता, ताचें चित्रण करता. तशेंच मनशाची वेगवेगळीं रूपा, ताची मानसीकता आनी स्वभाव दर्शन आमकां पात्र चित्रणांतल्यान घडटा. पात्राच्या माध्यमांतल्यान लेखक समाजांत जें कितें वायट घडटा वा ताका जें खटकता ताचेर बडी मारून, ताका एक वेगळो दृश्टीकोण दिवपाचो प्रयत्न करता. म्हणल्यार पात्रा जरी काल्पनीक आसलीं तरीय साहित्यांत आयिल्लें दर एक पात्र ह्या समाजाचें प्रतिनिधित्व करता. अशेंच तरेन शीलाबायन आपल्या कथेंत, समाजाच्या वेगवेगळ्या प्रस्नांक वाचा फोडपी अशीं सशक्त व्यक्तिरेखा उबीं केल्यात.

शीलाबायच्या कथेंतली चडशीं व्यक्तिरेखा वास्तवीक जिणेंतली जाल्यान, कथा बरी फुलोन आयलां आनी दर एक घडणूक वाचप्याक लागिची दिसता. दर एक व्यक्तिरेखा आपल्या तरेन परिपूर्ण जावन, आपली वेगळी विचारधारा मांडटा. तिच्या कथेंतली व्यक्तिरेखा पळयल्यार चडश्यो बायलां, चलयो, भुरगीं आनी कांय प्रमाणांत दादलेय व्यक्तिरेखाच्या स्वरूपांत मेळटात.

## 5.1 : शीला कोळंबकार हांच्या कथांतली अस्तुरी

फाटलो काळ पळयत जाल्यार, समाजांत बायलांचे स्वतंत्र, स्त्री शिक्षण, बायलांचे प्रस्न आनी तांच्यो भावना हांका पुरूशप्रधान संस्कृतायेन दुय्यम स्थान दिल्लें दिसता. बायलांचेर लैंगीक, मानसिक, सामाजीक अन्याय जालो, तिका सांस्कृतीक व्यवहारांतल्यान पयस दवरून, तिका समाजान घालून दिल्ल्या अटींच्या बंदखणींत दवरली. तशेंच तिका साहित्यांत आनी तिच्या कलेंत प्रकट जावंक दिवंक ना. विसाव्या शेंकड्यामेरेन बायलेक शिक्षणाचो हक्क मेळ्ळो तरीय तिच्या शिक्षणांचेर बंधना घातली, तिणें साहित्यांत कितें बरोवपाचें, कितें ना हाचेर दादल्यांचें नियंत्रण आसलें. पूण काळ बदल्लो तसो बायलांची चळवळ सुरू जाली. दादल्यावांगडा बायलांकूय समान हक्क आनी मान मेळचो, तांकां स्वातंत्र्य मेळचे हाका लागून बायलो पेटून उटल्यो आनी आपलो हक्क मेळयलो, तांका स्वातंत्र्य मेळ्ळें. हांगा सरल्यान बायला स्वतंत्रपणान व्यक्त जावपाक लागलीं. तांच्यो भावना साहित्यांत प्रकट जावपाक लागल्यो. आनी ह्याच परीवर्तनाक धरून शीलाबायच्यो जायत्यो कथा अश्याच तरेच्या प्रवाहा वांगडा व्हांवताना दिसता. दिसपट्टे जिणेंत ल्हान चली भुरगें ते जाण्टे बायले मेरेन अशीं अस्तुरेची वेगवेगळीं रूपां, साद्या साद्या गजालीवयल्यान तांच्यानी सोंशिल्लें त्रास, नकळत मोन्यानी जावपी तिचेर अन्याय अत्याचार, शीलाबायच्या व्यक्तिरेखाच्या माध्यमांतल्यान कथेंत दिसता. आनी हे आभ्यासपाक सकयल कांय विशेश कथांच्यो देखी घेवन तांचेर भाश्य केला.

'भाभी' ह्या कथेंतल्यान आमकां लग्न जाल्ले बायलेक घोवाकडल्यान कशें त्रास सोंशचे पडटात तें दिसता. कथेंतली मुखेल व्यक्तिरेखा भाभी जेन्ना लग्न जावन घोवा घरा येता तेन्ना कांय दिसाखातीर तिका नवे व्हंकलेचो मान मेळटा. घरांतली सगळीं तिची अपुरबाय करता. पूण जशी ती

जुनी जाता तशी, घरांत ती सगळयांखातीर एक वस्त कशी जाता. तिचो घोव म्हणल्यार निवेदकाचो दादा ठवय. पावसांत ताका कांय काम नाशिल्ल्यान, तो सोरो पियेवन येतालो आनी भाभीक मारतालो. तांणें भायर सोरो पियेवन, मजा मारून येवप आनी घरा बायलेक सतावप आनी भाभीन आपल्या घोवाच्या खंतीन उपाशी रावप हीच सदांची परिस्थिती जातालो. एकदीस दादा जेन्ना तिका बडोवन वता तेन्ना ती जेवना.निवेदक तिका जेवण हाडून दिता पूण ती म्हणटा,*''पुण तुजो दादा रातींसान उपाशीं आसा. हांव कशीं जेवं?''*हांगा भाभी ही सोशींक तशेंच आपलो बायल धर्म तो म्हळयार सदांच घोव जेवल्या उपरांत बायलेन जेवप हो ती पाळटना दिसता. भाभी हें व्यक्तिरेखा पळयत जाल्यार, पुराय कथेंत लेखिकेन तिका सामकें बारीकसाणेन घडयिल्लें दिसता. भाभी खंयच उचांबळ जायना वा मोट्यान रडना, कोणाचेर तापना. वाटेक जरी कितलेय फातर लागले तरीय ती पुराय कथेंत शांत न्हंय कशी व्हांवता. भाभी उलयता ती शांत, सोपी, मोगाळउलोवपांतल्यान तिचे व्यक्तीत्व घडटा. एक आदल्या विचाराची, घोवाक मान दिवपी, सोंशीक आनी कितलेय मोठे वादळ आयले तरी स्वता संय्यमान वागपी, ह्या भाभीचे संवादांतल्यानूच वळख घडटा.

'विळख्यांतली व्यथा' ह्या कथेंत आमकांलेखिके कडल्यान लग्न जाल्या बायलेचो घुस्मट दिसता. ह्या कथेंत लेखिकास्वताची कथा सांगता. लेखिका लग्न जावन गोंयांतल्यान मुंबय पावता. मुंबय सारक्या भरगच्च शारांत ती पयलेंच फावट आयिल्ल्यान तिचो एकूच आदार आसता तो तिचो घोव. पूण तो आपल्या कामान व्यस्त उरिल्ल्यान तो आपल्या बायलेची भावना, तिचें एकटेपण समजून घेवपाक पावना. लेखिका घरांत एकटी पडील्ल्यान तिचो घुस्मटमार जाता. घोवाच्या आदल्या विचारांक लागून ती स्वाताक व्यक्त करपाक पावना आनी अशें जाल्ल्यान तिच्यो इत्सा शेणटात. घरांतली एक सादी वस्त कशीं निवेदोकेचो घोवा तिका वागयता. आपल्याक जाय तेन्ना तिका लागीं घेता आनी नाका तेन्ना कुशीक दवरता. हांगा पुरूशप्रधान संस्कृतायेक लागून एकसुरेपण येवन घुस्मटपी बायलेची व्यथा दिसता.

‘विखार’ कथेंतेली लेखिका समाजांत एका चलयेक आनी बायलेक कशें तरेन वागयता तें दाखयता. निवेदिका आनी तिचो इश्ट सुरेश दोंगाय खूब लागीचीं इश्टां. ती इतली लागीं आसलीं की तांचे मोगाचें संबध आसा अशें सगळ्यांक दिसतालें.पूण जेन्ना सुरेश दुसऱ्या चलयेकडेन लग्न जाता तेन्ना सगळ्यांक दिसलें सुरेशान लेखिके सोडले. सगळीं लेखिकेची काकुळट करता सुरेशा बद्दल कोण कांयच उलयनात. उपरांत लेखिकेचे लग्न विजयाकडेन जाता तेन्ना तोय तिचेर असोच दुबाव घेता. विजय लग्न जावन लेखिकेक पयली नोकरी सोडपाक लायता, उपरांत सुरेश आनी लेखिका पयस जावची म्हूण सांवड्ड्या आनी मागीर मुंबय अशीं बदली मागून घेता. इतले दीस काळोखांत जगपी लेखिका पयल्याच फावट उजवाडांत येता. विजयान तिचेर केल्लो आन्यान तिका कळटा, जेन्ना खूब वर्सांनी सुरेश लेखिकेगेर मुंबय पावता तेन्ना. सुरेश आयलो हें विजयाक आवडना. त्या दिसा तो दर एका गजाली वयल्यान लेखिकेचेर दुबाव घेता, तिका थोमणे मारता. इतले दीस आपूण स्वतंत्र जीण जगता अशें चितपी लेखिका आपूण नकळत कितली वर्सा बंदिस्त उरलीं तें कळटा. फाटलो सगळो काळ याद जावन ती इतली खचता की, सुरेश आनी विजय रातचें जेवणाक हॉटेलांत वचपाचें थारायता तेन्ना लेखिका जी हॉटेलांत वचपाक एका पांयार तयार ती पयलेच फावट घरा रावता.

‘शेखर मेलो’ह्या कथेंत शेखर हो असोच लग्ना पयली आपली मोगीकेक माधुरीचेर उपाट मोग करतालो पूण लग्ना उपरांत भायर दुसऱ्या चलये वांगडा संबंध दवरता. माधुरीन बायलेन कोणा वांगडा हांसून उलयल्यार तिचेर दुबाव घेतालो. माधुरीक तो केन्नाच पार्ट्यांक व्हरनासलो, आपूण करता तेंच खरें आनी बरें अशें ताचें मानप आसलें. एक दीस रागान तो माधुरीक गुरवार आसताना माळ्यावयल्यान धुकलून उडयता आनी तेन्ना तिचें भुरगें मरता. हांगा पुरूषप्रधान संस्कृतींत चिड्डली ही माधुरी खूब सोंशीक दिसता, तिणें रागान केन्नाच आपल्या घोवाक परतें उतर दिलें ना वा हात उखल्लो ना. आपल्याचेर इतलो अन्याय अत्याचार जावन लेगीत, शेखर बारांत पियेवन पडिल्लो

आसतना ती ताका हाडपाक वता. निमणेक जेन्ना शेखर मरता तेन्ना ती ताचे मातूय दुख करीना, वयल्यान शेखर आनी आपल्या पोटांत आशिल्ले ताचे भुरगें मेलें म्हूण तिका उमेद जाता. सुरवेक जी माधुरी सोंशीक आसली तिका शेवटाक आपल्या अस्तित्वाची जाण जाल्ली जाणवता.

‘नवी पिडा’ह्या कथेंतल्या ज्योतीचे लग्न, निवेदिकेचो मावसभाव प्रकाशाकडेन जाता. ज्योती आनी प्रकाशाचो सुरवातेक मोग खूब फुलता पूण भुरगीं जाल्या उपरांत सगळें बावतां. ज्योती भुरग्यांमदीं घुस्पून उरतां आनी प्रकाश सोऱ्यांत बुडट्टा. प्रकाश आपल्या इश्टांक घरांत सोरो पिवपाक हाडटालो आनी ज्योतीक आपल्या इश्टा फुड्यान बसोवन ताचें सुंदरतायेचे वर्णन करतालो. प्रकाशाच्या इश्टांच्यो नदरो ज्योतीक दर खिणाक तोपताल्योत. सोरो पिवन जेन्ना प्रकाश ज्योतीक लागीं घेतालो तेन्ना ताका सामको पिसडटालें उडयतालो. पूण प्रकाश जेन्ना सोरो पियेनासलो तेन्ना ज्योतीन कितेंय केल्यार ताचेर तापतालो, ताका तो आपल्या लगीं लेगीत घेनासलो. ज्योती आपल्या घोवाच्यो मायेपासून सदांच वंचीत उरलें. घोवाच्या अश्यातरेच्या वागणूकेखातीर ताका खूब त्रास जाता. ज्योतीक घरांत सगळें सुख आसलें. पूण ज्योतीक फकत पयश्यांनी सोबयिल्ले नाका तर ताच्यो भावना समजून घेवपी घोव जाय आसतलो. आपल्याक जावपी त्रास विसरपाक ज्योतीक एक सोडवाट मेळटा ती म्हळयार सोरो पिवपाची. तें रात दीस सोरो पियाता. ज्योतीच्या ह्या व्यसनाक लागून घरचीं सगळां ताच्यापासून पयस जाता. आनी फुडें ती संवय इतली खर जाता की सोरो ज्योतीक सोडपाक तयार नासता.

‘शील’ ह्या कथेंतले मुखेल पात्र आपल्या इश्टिणीक पत्र बरोवन आपले दुख सांगता. ती एका युनियन लिडराची बायल. घर भरून दार वोततां इतलें सुख तिच्या जिणेंत आसता पूण आसना ते फक्त घोवाचे सुख. तिच्या घोवाकडेन बाकीच्यांक सगळ्याखातीर वेळ आसता पूण आपल्या

बायलेकडेन पळोवपाक वेळ नासता. आपल्या घोवाचे इतले त्रास सोंसून लेगीत, जगाक मात ती आपल्या घोवाचे वायट रूप केन्नाच दाखयना. आपल्या घोवान फटींगपणान करून पयशे जमयल्यात हें जगाक कळून ताची लज वचची न्हय म्हणू ती कोर्टांतआपणें नायकीणपण करून हो पयसो जमयला अशें सांगता. आनी शेवटाक आत्महत्या करून ती सगळया त्रासांतल्यान मुक्ती घेता. ह्या कथेंत तिचो मानसिक, आंतरीक त्रास दिसता. आपणाक समजून घोवपी मनीस आपल्या जिणेंत आसा हें सगळयांत व्हडले सुख.

‘हांव वांजूड न्हय’ ह्या कथेंत शीलाबायन इंदू ह्या बायलेचें वर्णन केला जी सुरवात ते निमणेमेरेन भरपूर सोंसता पूण पिळग्यान पिळगी चलून आयिल्ल्या समजा आड ती बंड करून आपले अस्तित्व घडयता. इंदू हें ह्या कथेंतलें मुखेल पात्र. ताचें लग्न मुंबय जाता. पूण लग्ना उपरांत मांय आनी घोव तिका खूब सतायतात. लग्न जाल्या उपरांत इंदूक भुरगें जायना म्हूण मांय ताका वांजूड वांजूड म्हणून हिणसायताली. खरो दोश आसलो तो घोवाभितर पूण ताचो घोव आनी मांय हे कशेंच मान्य करपाक तयार नासताली. ती आपल्या पुताचे दुसरें लग्न करपाचें थारायतात. पूण इंदू त्या चलयेक सत्य सांगून ती सोयरीगत मोडटा. इंदूक कशेंय करून आपूण वांजूड न्हय हे सत्य मुखार हाडपाचें आसलें. आनी तें आपल्या एका इश्टाची मदत घेवन गुरवार जाता. हें जेन्ना ताच्या मांयक आनी घोवाक कळटा तेन्ना ती दोंगांय ताका जळोवन मारतात. लग्न जावप हो चलयेच्या जिणेंतलो सगळयांत म्हत्वाचो खीण. चली जल्मलें काय ताचें लग्न करून दिमेरेन आवय बापायक सूख नासता. पूण लग्ना उपरांत बायलेक कशें त्रास जातात हें कथेंत दिसता.

एक चली भुरगें जल्माक येता तेन्ना ताच्या जिणेक साबार बंधना लागतात. ल्हान आसतना ताका ताची कल्पना नासता पूण जशें तें व्हड जाता तशें तें बंधनांच्या चौकटींत घुस्पट्टा. ल्हानपणा पासून आपल्याक जाय तशें जगत आयिल्ल्या चलयेक जेन्ना अचानक आवय वा समाज आपल्याक

जाय तसो वागयता, ताका नाका आशिल्ल्या चौकटींत घालता तेन्नातांणें स्वाताच्या उमेदीखातीर आपले वेगळे काल्पनीक जग तयार केल्लें दिसता. तशेंच फुडें जेन्ना तें समाजांत पावल घालता तेन्ना ताच्या वाटेक आयिल्ल्या अडीअडचणींक तें कशें तोंड दिता,समाज ताका कसो पळयता, घरांतली कशीं वागयता, अश्या साबार प्रसंगाक भिडटना, शीलाबायच्या कथेंतली अस्तुरी दिसता.

'खेळ' ह्या कथेन समाजांत चलो आनी चलये मदीं केल्लो फरकअंजू ह्या ल्हान चली भुरग्याच्या जिणेंत दिसता. अंजूक ल्हान भाव राजू आनी व्हडलो भाव आसता. घरांत चड लाड आनी अपुरबाय जाता ती फकत राजू आनी भाऊची. राजू ल्हान म्हूण अंजूक सदांच ताका सांबाळचो पडटा, ताच्या वांगडा खेळचें पडटा. ताका कितेंय केल्यार आवय तापता आनी भाऊ हो व्हड जाल्यान अंजूक ताच्या कडल्यान मार पडटा. भाऊक तें परते उतर दिवंक शकना कारण तो ताचो व्हडलो भाव. आनी ह्याच नियमाक पाळून अंजू प्रस्न करता,'हांव मात राजूची व्हडली भयण न्हय दिसता?.' अंजू एक चली म्हणून आवय तेका सदांच समाजान घालून दिल्या चौकटींत बसोवपाचो यत्न करता.

ल्हानपणांत खास करून चलयेक, 'हें करूं नाका तें करूं नाका' सांगप, ल्हान वयाचेर तांकां लग्नाची जाण करून दिवप, चलयांक शिक्षणापरस घरांतले काम चड शिकोवप, हें सगळें विचार तांकां मानसीक त्रास दितात. आनी ह्या बंधनांतल्यान पयस वचपाक तीं आपलें खाशेलें, आपल्या मनासारकें एक काल्पनीक जग तयार करून तातूंत जगतात. देखीक, 'अशींच एक दनपार' ह्या कथेंतले छाया हे चलयेक, घरांत आवय दर खेपेक अश्या तरेच्यो सुचोवण्यो दिल्ल्यान तें दिसा सपन पळयता आनी थंय ताचेर उपाट मोग करपी मोगी आसता. ताचो मोगी ताका म्हणटा,"आतां रडूं नाका

पिशा....हांव आतां तुका घेवन पयस वतलों. थंय तुका कोण कांय म्हणचो ना. तूं मागीर रोखडें बरें जातलें...आनी आतां हांस पळोवया मातशें" तें मागीर रडटा आसतना हांसता

अश्याच तरेच्या घरच्या वातावरणांतल्यान आनी मानसीकतायेंतल्यान व्हड जाल्लें, सावित्री ही चली 'सावित्री' कथेंत दिसता. चलो जातलो ह्या आशेन सावित्री हें ताच्या आवयक जाल्ली चवथी चली. पूण सावित्रीच्या फाटल्यान ताच्या आवयक चलो जाता. घरांतली सगळीं दर एका गजाली वयल्यान सावित्री आनी ताच्या भावामदीं फरक करतात. सगळीं धाकट्या भावाच्यो इत्सा पूर्ण करताली मात सावित्रीक समजून घेतालें तें फकत ताचें अक्का. अश्या वागणूकेक लागून ते सवका-सवकास आपल्या घरच्यांपासून पयस वता. सावित्रीक चित्रां काडपाची खूब आवड. घरा येवन तें चित्रां काडटालें पूण त्याच ताच्या आवडीक घरांतली आडखळ हाडटालीं. तें कामाक वताले थंय ताका बॅकेंमार्फत ब्लॉक मेळटा आनी थंय ते आपल्या चित्रकलेक फुडें व्हरता. सुरवातेक तें स्वताचीच नागडी चित्रां काडून तेंचे प्रदर्शन लायता. उपरांत ते नागड्या दादल्यांचीय चित्रांय काडपाक लागता. हें जेन्ना ताच्या घरच्यांक आनी समाजाक कळटा, तेन्ना ताका सगळीं खूब हिणसायतात, लोक ताका वायट नदरेन पळयतात, तें वेश्यावेवसाय करता असो ताचेर आरोप करतात. हाचे कारण तें एक चली भुरगें म्हणून. हेंच जर एका दादल्यान केल्यार ताका कोण कांय म्हणचो नासलो. एक दीस ताका रिपोर्टर प्रस्न विचारता,"ना. तुवें असलीं चित्रां काडल्या उपरांत कोणूय तुजेकडेन लग्न जातलो अशें तुका दिसता?"

"हांव चली मनीस म्हूण तुमी हो प्रस्न विचारता. हींच जर कोणय दांदल्यान काडिल्लीं जाल्यार तुमी हो प्रस्न विचारपाचे?"

"दादल्यांची गजाल वेगळी"[1]

सावित्री हें कश्टी तशेंच बंड करपी चली पूण आमचो समाज सदांच अश्या चलयांक सकयल वोडटना दिसता. ताच्या आवडी वा मनाप्रमाण ताका जगपाक दिना.

‘वावराडी’हें कथेंत निशा हें पात्र महत्वाचें. निशा वीस बावीस वर्साची चली जी वावराडी म्हूण लोकांच्या घरांत काम करता. तें जिबेन फटकळ, लोकांक गाळी घालतालें पूण कितें तें सरळ उलयतालें. निशा मुळ कोंकणांतले, ताच्या आवय-बापायन ताका ताच्या आत्यागेर मुंबय दवरिल्लें. घरांत इतलें घसघशीत वयार आयिल्ली चली पळोवन, ताचो आत्याचो चलो ताचेर हक्क गाजयतालो, संद मेळटा तेन्ना ताचेर आगळीक करतालो, तो ताका आपली दुसरी बायल समजून ताजे सुख घेतालो. बापाय फाटल्यान दादाचो चलो जसो व्हड जालो तसो तोय ताचेर आगळीक करपाक लागलो. दादाक निशाचेर खूब मोग आसलो, ताका जाय जाय तें हाडून दितालो. पूण ताका तो आवय जावपाक दिनासलो. तसोच आत्याचो जावंय निशा घरांत एकटें आसा तें पळोवन ताचो फायदो घेवपाक सोदता. आत्याक जेन्ना हें सगळें प्रकरण कळटा तेन्ना तें आपल्या पुताक, नातवाक आनी जांवयाक कांयच म्हणिना तर परतें निशाक मारता.अश्याच तरेन निशा ज्या घरानी काम करपाक वयतालें थंयसरली सगळीं ताचेर असोच दुबाव घेताना दिसता. दादा ताका आपल्यापासून कसोच पयस वचपाक दिना तेन्ना तें दादाच्याच पुतावांगडा लग्न जाता.हो समाज पावला पावलाक चलयेचो कसो फायदो घेवपाक सोदता तें हांगा दिसता. आनी निशा हाका कांयच करपाक शकना. तें जीव नाशिल्ली बावली जावन सगळें मोन्यानी सोंसता.

प्रत्येक मनशाच्या जिणेंत मोग हो म्हत्वाचो. जिणेंत मोग नाजाल्यार जिणेक कांयच अर्थ ना. आवय-बापूय, भावंडा, चलो-चली, इश्टांमदी मोग दिसता. आयच्या काळावयलो मोग पळयत जाल्यार भितर एकामेकांचो वापर करप चड आनी एकामेकांच्या भावनांक महत्व दिनात हें दिसून येता. आनी देखूनच मोग हो एका दिसाचो फोग अशेंय आयज आयकपाक मेळटा. चली जेन्ना समाजांत पावल दवरता तेन्ना वेगवेगळ्या वृत्तीच्या

मनशाकडेन ताचो संबंद येता. एखाद्या चल्याक तें आवडटा आनी तो ताका आपल्या मोगांत घुस्पायता. आपली वासना पुराय जाली काय लग्ना वेळार मागीर ना जाता. शीलाबायच्या कथेंत असोच चलयेचो वापर केल्लो दिसता.

‘ख्यास्त मोग केल्याची’ ह्या कथेंतलें मुखेल पात्र चली आनी ताचो कामावयलो इश्ट दामू. तांचो दोगांयचो एकामेकांचेर मोग आसता. सुरवातेक दामू त्यां चलयेचेर खूब मोग करता, ताच्या वांगडा लग्ना उपरांतची सपना रंगयता. पूण जेन्ना लग्न करपाचो वेळ येता तेन्ना आवय लग्नाक मानची ना हे कारण सांगून दामू त्या चलयेक सोडटा. हळुहळू त्या चलयेची पिराय वाडटा. ताचो बापूय ताका सोयरीगत पळयता पूण दर एक चलो ताका ल्हान-ल्हान कारणां सांगून न्हयकारता. आनी दर एक सोयरीगत मोडल्या उपरांत ती चली परत एकदां शोभेची वस्त कशी परत नव्या सोयरीगती खातीर तयार रावता. हांगा त्या चलयेचो मानसीक संघर्श दिसता.तशेंच ‘कित्याक?’ ह्या कथेंत निवेदिका अनील ह्या चल्याच्या मोगांत फसता. सुरवातेक ती बरो मोगाचो खेळ खेळटात. पूण जेन्ना त्या चलयेक सोयरीगती येवपाक लागतात, तेन्ना तें चली त्या चल्या बद्दल आपल्या घरांत सांगता. घरची जेन्ना त्या चल्याक लग्नाखातीर विचारतात तेन्ना ती चली सोशल ना हें कारण सांगून न्हयकार दिता. बायलांक भावना आसाता, तांकाय कुडी सूख जाय पूण आपल्या घोवान आपणाक आनी आपल्या भावनांक समजून घेतिल्ले जाय आसता. पूण जायत्या वेळार दादलो हें समजुपाक फाटी पडटा. ‘मोग’ह्या कथेंत अशेंच घडटा. रश्मीचो आनी बिपीनाचो एकामेकाचेर मोग आशिल्लो. पयले फावट जेन्ना तीं मेळपाची आसली तेन्ना रश्मी, बिपीन आपल्या खातीर पद म्हणटलो, हें करतलो, तें करतलो अश्यो इत्सा घेवन मेळपाक गेल्लें पूण जेन्ना तांका एकांतांत मेळपाक मेळटा तेन्ना बिपीन एकदम रश्मीलें तोंड उबाल्लें आनी आपले वोंठ तो

रश्मीच्या गालाकडेन व्हरूंक लागलो.अश्या जायत्या कथांनी चलयांची फटवण जाल्ली तरीय ह्यो चलयो वग्गी रावना वा निराश जायनात. त्यो आपली फुडली जाण जगपाक मुखार सरतात.

दर एके बायलेचे दुसरें रूप म्हणल्यार आवयचें. जें देवीचें दुसरें रूप अशें मानतात. तिका जरी भुरगें जालें ना जाल्यार लेगीत, जे तरेन ती स्वताचे दुख विसरून दुसऱ्यांची काळजी घेता, कितें जाय नाका तें पळयता. त्या रूपान ती दर एकट्याची नकळत आवय जाता. जेन्ना तिका भुरगें जाता तेन्ना तिचे कश्ट फक्त णव म्हयन्यापुरतेच नासता तर तें पुराय आयुश्याचें आसता. पूण तिच्या खातीर तें व्हडलें सुख. शीलाबायच्या कथेंतली कांय पांत्रा घरांतल्या हेर बंधनांवांगडा घुस्पल्ल्या आवयचें चित्र उबें करतात.

'चलये आवय'ह्या कथेंतली शांताबाय ही लताची आवय. लता आतां वयार आयिल्लें आंकवार चली. ताका आपलें बी.ए. पुराय करून लग्न जावपाचें आसलें. पूण भोंवतणी आंकवार चलयांवांगडा जें कितें घडटा, ते लताच्या बाबतींत घडत म्हूण शेवटाक लताचे लग्न ताची आवय कामतील्या चल्याकडेन करता जो फॉरेनाक रावतालो.. एकदीस देवळांत गेल्लेकडेन सगळीं तिका लताची कितें नविदाद आसा कांय विचारतात. तेन्ना तिका याद जाता, लताक लग्न जावन दोन वर्सां जालीं पूण भुरगें जावंक ना. आनी तिचे मन परत अस्वस्त जाता. आवय ही आवय आसता. भुरगीं जरी कितलीय सुखी दिसली तरी तिका आपल्या भुरग्यांचीं सदांच चिंता आसता.

‘डॉली’ ह्या कथेंत डॉलीच्या आवयचो असोच डॉली खातीर घुस्मट जाल्लो दिसता. डॉली हें आतांच फुलपी चली. ताचे वयार येवप, आंग घसघशीत वाडप, छातयेचो आकार, ताचे एकटेंच मुरगटप, मासीक पाळी जावप हें सगळें तिका सतायता कारण पेपरार आयिल्ल्यो चलयांचेर जावपी आगळीको वाचूनसुमन, डॉलीची आवय सामकी असवस्त जाता तिका आपल्या डॉलीचो हुस्को, ताचे वांगडा कितें वायट घडत म्हूण भंय दिसता. आनी ह्याच भंयान तिणें डॉलीचेर बंधना घालपाक सुरवात केल्ली. ह्यी नाका जाल्लीं बंधनां डॉलीक आवयपासून खूब पयस घेवन वतात.तें आपल्याच जगांत घुस्पून रावपाक लागता आनी अखेरेक आवय वगीच हुस्को करतली म्हूण तें आपली मासीक पाळी आयली हें लेगीत सांगना. एका चलयेची आवय जावप सोपें नासता. कारण चली जशीं जशीं वाडटा तशें समाजांतले वायट लोक ताका आपल्या वायट नजरेन जोखपाक लागतात. चलयेवागंडा कितेंय वायट घडल्यार त्या चलयेचे नांव बाद करपाक समाज फाटी रावना. वांगडा आवयच्या नांवाची तितलीच घाण जाता. ह्या सगळयां हळशींकेंतल्यान आपल्या चलयेक वाचोवपाचो प्रयत्न शांताबाय आनी सूमन करताना दिसता.

‘भुरगीं-जाण्टीं’ ह्या कथेंतली लेखिका जी दोगां चल्यांची आवय आसा. ती आपल्या भुरग्यांक सांबाळटाना म्हणटा, “परथून तयारीक लागूंक जाय. परथून शाळेंत वचूंक जाय तांकां हाडपाक. तांकां खावपाक कितें करपाचें तें येवजून ताची तयारी करून दवरूंक जाय......आतां ह्या दोगांच भुरग्यांचे करतासर नाकापुरो जाता. आनी पयलींच्यो बायलो सात-आठ भुरग्यांक कशीं सांबाळटाली देवाक खबर”[2] भुरग्यांक सांबाळप, तांची योग्य रितीन कुयदाद घेवप हें सोपें काम न्हय. कारण तांका फक्त खाण-जेवण घालून, निवळ-नितळ दवरलें म्हूण जायना. ताच्या वांगडा तांका बरें-वायट पटोवन दिवप, दुसऱ्यांवांगडा कशें वागप, खरें

उलोवप अशीं जीवन मुल्यां शिकोवप गरजेचें. तांचो अभ्यास घेवप, तांची मस्तीपणां सोंसप आदी हें सगळें आवयचे म्हत्वाचे कर्तव्य. भुरगीं दिसभर आवयचकडेन आशिल्यान भुरग्यांनी कितेंय वायट केल्यार आवयन सारकी देख दिवंक ना अशें म्हणटात. आनी बरें केल्यार मात बापायचो जयजयकार. 'भुरगेपणां'ह्या कथेंत लेखिकेचे ल्हान भुरगें आपल्या बापायच्या उलोवण्या वयल्यान ब्लू फिल्म पळोवपाचे थारायता. हे जेन्ना तिच्या घोवाक कळटा तेन्ना तो आपल्या बायलेक दोशी थारायता कारण दिसभर भुरग्यांकडेन आवयच आसता.

वयर चर्चेक घेतिल्ल्यो कथा आमकां त्या काळावयल्या अस्तुरेची वळख करून दिता. आयज सुद्दा चलयेचें लग्न करतना चड करून चल्याची आर्थीक परिस्थिती पळयतात. ताचो स्वभाव तशेंच चलयेचें मत हाचेर कोणाचेंच लक्ष नासता. तशेंच कथेंत भारतीय अस्तुरेची संस्कृताय दिसता. तिका सदांच शिकयल्ले आसता, आपल्या घराण्याची लज तिच्या हातांत आसता.तिका मान्य नासून लेगीत तिणें आपल्या घोवाच्या दर एका कामांत आदार दिवंचो हेच ह्या कथेंत दिसता. शील ह्या कथेंत ती बायल कोर्टांत जेन्ना घोवाकडेन आशिल्ल्या इतल्या पयशांची चवकशी जाली तेन्ना तिणें आपल्या अस्थित्वाची मातूय पर्वा करिनासतना सगळो आळ आपल्याचेर घेता. एके बायलेक आपलो घोव, आनी ताचो मान महत्वाचो हें ह्या कथेंत दिसता. माधुरी ही शिक्षीत, गाडी चलोवपी आधुनीक काळांतली बायल जावन सुद्दां ती आपल्याचेर जावपी अन्याय अत्याचार मोन्यानी सोंसता आनी हीच परिस्थिती आयजूय आमकां पळोवपाक मेळटा. आयज जरी आमी म्हणलें बायलेचेर अत्याचार जायना पूण तो जाता आनी ती आयजूय तशींच मोन्यानी सोंसता.

## 5.2 : शीला कोंळबकार हांच्या कथांतलोपुरूष

शीला कोळंबकार आपल्या कथेंत जितलें अस्तुरेक स्थान दिलां तितल्याच प्रमाणांत दादल्याक लेगीत आस्पावून घेतिल्लो दिसता. तांच्या कथेंत आमच्या भोंवतणी आशिल्ल्या वेगवेगळे स्वभावाचे दादले दिसता. बायलेक तशेंच दादल्याक तिणें बऱ्या तरेन कथेंत उबो केलां.

शीलाबायच्या कथेंत चडशे पुरूष पात्र आयल्यात ते बायलेचेर अत्याचार करताना दिसता. कांय जाण शारिरीक त्रास दितात तर जायते आपल्या उतरांनी वा वागणूकेच्या माध्यमांतल्यान बायलेक मानसीक त्रास दितात. अश्या कथांच्यो देखी घेतल्यार,'विळख्यांतलीव्यथा', 'विखार', 'इल्लें शीं, इल्ली गर्मी', 'बायलमनीस'. हातूंतलो घोव हें पात्र पळयत जाल्यार, लेखिकेन तांचे खंयच चित्रण करूंक ना. ते जशे स्वताच्या बायलेकडेन उलयतात, तातूंतल्यान ते घडटतात. हांगा आयिल्ले चडशें घोव आपल्या बायलेक हातांनी मारीनात तर आपल्या उतरांनी मारतात. जशें ताचे उलोवप, वागप, दुबाव घेवप हें तो आपल्या उलोवपांतल्यान दाखयता. ताची एक देख म्हणल्यार, "सदांच रिक्षेंत बसचें पयलीं हांव रिक्षावाल्याक विचारतां, मोडचे पयशे आसात मू? आनी मागीरूच बसतां... आतां येतना तुवें रिक्षेक हात केलो आनी रिक्षा थांबली, म्हूण म्हाका बसचें पडले. ना जाल्यार हांव ताका नाकाच म्हणपाचो..."[3]बायलमनीस ह्या कथेंत लेखिकेच्या घोवाचे आनी रिक्षावाल्याचे जेन्ना मोडचें पयश्यांखातीर झगडीं जाता तेन्ना तिचो घोव तिणें रिक्षा आडयली म्हूण ही झगडीं जाली अशें म्हणून पुराय आळ तिचेर घलता. अशें तरेन कथेंतलो दादलो खूब कमी उलयता पूण जे कितें तो उलयता ते सामकें बाण मारिल्ल्या सारके.

एक बायल ही एक मनीस तिकाय मोग, माया, कुडी सुख जाय, तिच्यो भावना वळखून घेवपी मनीस जाय पूण हे समजून घेवपाक दादले सदांच कमी पडटात आनी हीच कमीपणा 'नवी पिडा' हें कथेंतल्या प्रकाशाभितर दिसतात. प्रकाश म्हणटा, "ताका जाय तितले पैशे दितां. बरो बंगलो बांदून दिलो ताका. फ्रिज, टी. वी., वीडओ..सगळें सगळें दिलें ताका!....ज्योतीन सुशेगाद राणी कशें बसून रावपाचें.तें ताका नाका जालें."[4]. तशेंच 'इल्लें शीं,इल्लीं गर्मी' ह्या कथेंतलो लेखिकेचो घोव आपल्या बायलेक कितें जाय नाका हे तो समजूंक पावना. लेखिका जेन्ना ताका आपल्याखातीर कामार सुटी घेवपाक लायता तेन्ना तो केन्नाच घेना मात भुरग्यांखातीर रोकडीच घेता. तांणे सुटी घेतिल्या त्याच दिसा भुरगीं आत्यागेर गेल्यान दुसऱ्या दिसा तो कामाक वचपाच्या तय्यारेक लागता. आपली बायल घरांत एकटी आसा, सुटी घेतलाच बायलेक वेळ दिवंया अशें तो चितना. हांगा बायलेचे सुख कित्यांत आसा हें समजून घेवपाक दादलो कमी पडट्टाना दिसता.

'खातकुतल्यो' ह्या कथेच्या माथाळया प्रमाण, जुवान चली जेन्ना बसींत चडटा, उबें आसता वा आपल्या कुशीक बशिल्लें आसता तेन्ना जायत्या दादल्यांक कश्यो खातकुतल्यो जातात तें हें कथेंत दिसता. ताची एक देख म्हणल्यार,"तो जाण्टेलो मोटो. मालक्रियाद मोटो मालक्रियाद! हरशीं उबगण हाडिसर उलयता. पुण म्हन्यांत कोणय बायलमनीस बसतकूच हेका रोकडीच न्हीद येता... मागीर तो झेमेता. आनी तेंच्या आंगार पडोंक लागता..."[5] अश्या तरेचे जायत्या वायट वृत्तीचे दादले बसींत वा हेर कडेन आसतात जे बायलांक वायट तरेन पळयतात, कशेंय करून ते बायलांक मुद्दाम धुकलपाचो वा तेंकून रावपाचो यत्न करतात.

साहित्यांत पळयत जाल्यार बायलांक जावपी त्रास, तांच्यो भावना, हांचो बऱ्याच प्रमाणांत साहित्यांत वांटो आसा. पूण दादल्यांचे त्रास, तांचे प्रस्न हे खूब मोजकेच आयिल्ले दिसतात. कारण दादल्यांचेर अत्याचार जायना, दादल्यांक संवेदना नासता, तो रडना, ताका भावना ना, तो कठोर, घट काळजाचो मनीस. अशे जायते समज आमच्या मदीं आसात. पूण हें सगळें म्हणटाना आमी एक विसरता, तें म्हणल्यार तोय एक मनीस. बायलांक जशें भाव-भावना आसा तशें ताकाय आसात, तोय आपले दुख व्यक्त करपाक शकता, तोय रडटा पूण ताचे आनी बायले मदीं फरक इतलोच की तो आपले दुख जगाक सांगिना.ताची दर एक व्यथा ही मोनीच उरता. पूण शीलाबायन फकत बायलांचेच न्हय तर दादल्याच्याय भावनांक आपल्या साहित्यांत आस्पावन घेवपाचो प्रयत्न केल्लो दिसता.

एका दादल्यान बायलेचेर अत्याचार केले म्हूण सगळेंच दादले अत्याचारी नासता. समाजांत अशेंय दादले आसात जे बायलांक मान दितात, आपल्या समान वागयतात आनी बदलत्या काळावांगडा बायलांक तांचे स्वतंत्र मेळोवन दिवपाचे पुराय प्रयत्न करतात. ‘भाभी’ ह्या कथेंन आमकां दोन तरेचे दादले पळोवपाक मेळटात. एक जो आदल्या विचारसरणेचो आसा आनी दुसरो जो बायलेच्यो व्यथ्या समजून घेवन ताका न्याय दिवपाचो प्रयत्न करता. तो आधुनीक विचारावांगडा आपल्या रिती परंपरां सांबाळटा. ह्या कथेंतल्या निवेदकाच्या भावाचें लग्न जावन, जेन्ना ताची भाभी घरां येता तेन्ना तो तिका कितेंच कमी पडपाक दिना. जेन्ना ताचो दादा भाभीक मारता तेन्ना ते भाभीक जाल्ले त्रास ताका सोसना. तिका तो आपल्या तरेन मदत करून सोडवाट तयार करून दिता,‘भाभी, तूं हें सोंसता कित्याक? तूं तुगेले आवयगेर वच. तुजें पयलिंचें काम कर. खेरीज आतां म्हाका सर्विस मेळटली. हांव

तुका पयशे धाडटां थोडे थोडे... पुण तूं ह्या नरकांत राव नाका. तुका हो राखेस पेटून पेटून जितोच मारून उडयतलो एक दीस...’[6]

‘एक कळो करपून गेलो’ह्या कथेंत आमकां क्रिस्तांव समाज दिसता. क्रिस्तांव भुरगीं चड गोंयांत रावपाक सोदीना, तांचे सपन आसता भायर दुबय सारकील्ल्या व्हडल्या देशांत वचून काम करप. कारण थंय पयसो बरो मेळटा आनी ते पयशे गोंयांत हाडले काय ताचे दुप्पेटीन जाता. गोंय सोडून वा भारत सोडून भायर वचप म्हणल्यार तांच्या खातीर ती एक परंपरांच कशी. तांच्या घराण्यांतलो कोण ना कोण फॉरेनाक आसताच. पयश्याचा आशेन भायर गेल्लो मनीस थंयच्या जिवनांत सापडटा आनी आपल्या घरच्यांक विसरता. भायर वचून पयशे जोडप हें जितलें गोंयांत रावन सोपें दिसता तितलें मातूय ना. आदल्या काळार फकत दादलेच भायर वताले पूण काळ बदल्लो तसो बायलांय भायर वचपाक लागलीं. भायर वचून जोडप हें बायलांखातीर चड त्रासाचें काम आसलें. कारण थंयचे दादले हे कुडी सुखाचे आशेन बायलांचे हाल करतात आनी होच हुस्को आनी भंय आंतोनीच्या रागांत दिसता. जेन्ना ताका आवय दुबय वचपाची आसा म्हूण कळटा तेन्ना तो तिचो पासपोर्ट जळयता, तो तिका दुबय वचपाक दिना. पूण ती कशीय करून वताच. शेवटाक आंतोनीक जाचो हुस्को आसलो तेंच घडटा. निमणेक ताची आवय दुबयच मरता, ती कशी कित्याखातीर मेली हें कांयच कळना. हांगा तो आपल्या आवयक खंयच बंदिस्त करून दवरपाचें चितना. तर ताका आपली आवय गोंयांत सुरक्षीत राविल्ली जाय आसता.

मोगांत वा मोगाखातीर जेन्ना कोण फटावता अशें म्हणटा तेन्ना दर खेपेक दिसता चलीच फटावता. पूण तशें ना. मोगांत जेन्ना मनीस पडट्टा तेन्ना एकामेका पासून पयस वयता तेन्ना चलयेक जाता तितलोच त्रास चल्याकूय जाता. चलयेच्या मोगांत तो पडिल्यान केन्ना

तरी त्यो अपेक्षाभंग जाता, आनी ताची जीण थंयच आडखळटा. ‘घाय’ ह्या कथेंत गोंयदा निमाचेर मोग करतालो, एक दीस तें दिसना जाल्यार तो असवस्थ जातालो. निमा कॉलेजीक वताना ताका पळोवपाक तो सद्दांच आपले काम अर्द्यार सोडून आंब्यापोंदाक येवन रावतालो. पूण निमाचो दुसऱ्या चल्याचेर मोग आसलो. जेन्ना ते पळून गेले म्हूण कळटा तेन्ना ताका ते आयकोन इतले त्रास जाता, ताच्या हातांत आशिल्ली सुरी चुकून हाताक भरता आनी घाव जाता. ताका त्या हाताचो राग येता आनी तो आपलोच हात रागान जमनीर आपटीता. कारण निमाचो दुसऱ्या चल्याचेर मोग आसलो हे गोंयदाक खबर नासलें. एकदीस निमा ताका एकट्या चल्याक आपली चीट दिवपाक सांगता तेन्ना तो मोठ्या उमेदीन, त्याच हातीन निमाची पळून वचपाची चीट ताच्या मोगीकडेन पावयता. आपुणूच निमाक आपल्या पासून पयस केलें हें चितून ताका आपलोच राग येता, तो रडटा. हांगा गोंयदाची दुखाविल्ली भावना दिसता. सुरयेन हाताक केल्लो तो घाय खरें म्हणल्यार तो ताच्या काळजाक, ताच्या मोगाक जाल्लो.

‘वाऱ्यावेलें सपन’ ह्या कथेंतलो लेखिकेचो भाव जो एका भाविणीचे चली, तुळशीच्या मोगांत पडटा. पूण आमच्या समाजांतवयल्या जातीच्या भुरग्यान भाविणीच्या चलयां वांगडा लग्न करप ना, तांका सकयल्लें स्थान दिवप अशें मानतात. अश्या समजाक लागून घरचीं तांच्या लग्नाक मानयताय दिनात. तुळशीची आवय तुळशीक घेवन तो गांव सोडून वता आनी ताचे दुसऱ्या चलया कडेन लग्न करून दिता. लेखिकेचो भाव गोंय सोडून मुंबय वता आनी फाटोफाट निवदिकाय वता. कांय काळा उपरांत लेखिका जेन्ना गोंयांत येता तेन्ना ती तुळशीक मेळटा. तुळशी जेन्ना तिका तिच्या भावाबद्दल विचारता तेन्ना लेखिका तो लग्न जावन सुखी आसा अशें फट सांगता. कारण खरेपणी तो तुळशीच्या मोगाक लागून

दुसऱ्या चलयेकडेन केन्नाच लग्न जायना. तो पुरायपणान तुळशीचो जाल्लो आसता आनी ताचो तो मोग प्रामाणीक आसता.

घरांत जर चलयो आसत जाल्यार आयच लेगीत लग्नाच्या बाबतींत चडश्या घराण्यांनी चलयेचे लग्न करप हे पयलीं चित्तात. तें मागीर भावंडामदीं व्हड आसू वा सगल्यांत ल्हान. भावंडामदीं जो भाव आसता, तांणें पयली आपल्या फाटल्या-फुडल्यान आशिल्ल्या भयणींचे लग्न करप, तांचो थातोमातो करप आनी स्वता फाटी उरप. अशें करताना घरांतल्या चल्यांचेर आनी तांच्या लग्नाचेर पुरायपणान आडनदर जाता. ह्याच कारणाक लागून आयज आमच्या भोंवतणी 35-40 ह्या पिरायेचे जायते चले आंकवार दिसता. घरच्यांनी पयली धुवेक खपोवप आनी चलो आपल्याक जाय तेन्ना जातलो अशें म्हणून ताका फाफडून उडोवप. जेन्ना ताची पिराय वाडटातेन्ना घरच्यांक खंय तरी जाग येता. पूण आतां ताची पिराय जाल्यान ताका ताच्या सपनांतली परी मेळपाक कठीण जाता. आनी खंय ना खंय ताचें लग्न लांबायेर पडट्टा. 'दुसरें घर' ह्या कथेंतलो बाबुश, जो घरच्यांची इत्सा पुराय करतां करतां आनी भयणुलांचे लग्न करून दिता म्हणल्यार स्वताच आंकवार उरता. घरचीं हुंडो बरो मेळचो म्हुण गरीबाची सोयरीगत मोडटा. एका चलयेवांगडा लग्न थरता, हुंडो बरो मेळटलो म्हूण पूण ते चली लग्ना पयलींच पळून वता. आपूण असोच दर एक गजाल बरीं मेळटली म्हूण वाट पळयत रावलो जाल्यार, आपूण शेणटलो हाची जेन्ना ताका दर्यादेगेर खेळपी भुरग्याकडल्यान जाणीव जाता, तेन्ना तो आपूण त्याच गरीब बापायच्या चलयेकडेन लग्न जातलो अशें थारायता. आनी आपले दुसरीं नवी जीण उबारपाच्या मार्गाक लागता.

दादल्याक संवेदना नासता अशीं जायतीं आमी ताच्या बद्दल चित्तांत. पूण तोय देवान तयार केल्लो एक मनीस हें आमी विसरतात. अशेंच तरेच्या दादल्याच्या भावनेक कथेंत

हाडपी ही कथा म्हणल्यार ‘दुख्खाची गजाल.’ आमकां दिसता दादल्याक कोणाचो आदार नाका मात ताच्या मुळाव्या गरजांक लेगीत तो बायलेचेर आधारून आसता. जो मेरन आपली लग्न जाल्ली बायल जिती आसा ते मेरेन तो खूब खोशी उरता कारण ताची काळजी घेवपाक, ताका कितें जाय नाका, ताचो राग सोसून घेवपाक कोण तरी आसता पूण जेन्ना ताची बायल मरता तेन्ना ताची अपुरबाय करपी कोण नासता, तो एकमुळो पडटा, ताचो मुळ आदार ना जाता. आनी देखून लेखिका आपल्या कथेंत म्हणटा,‘तो भितरल्यान ताचे नकळटां भावनांखातीर बायलेचेर अवलंबून आसता. आपले मोठेपण तो बायलेक कमी लेकून सिध्द करता’[7]

‘जाय तसली जीण’ ह्या कथेंत प्रो. वर्दो हो उकत्या विचारांचो दादलो. प्रो. वर्दो हाका देश विकसीत जाल्लो जाय आसता आनी त्या खातीर तो सगळ्यांत पयलीं ताका ताची बायल सुदारील्ली जाय आसता. तिणें खंयच्च्या सामाजीक बंदनांत घुस्पून रावनासतना, स्वताचे अस्तित्वाची जाणीव करून घेवन स्वतंत्र जगिल्ली जाय आसता. हे तो फकत चितना तर करूनय दाखयता. आपल्या बायलेन आदल्या बायलांवरी जीण जगनासतना आतांची आधुनीक जीण स्विकारपाक तो सांगता.ताणें आपल्या बायलेक आनी धुवेक तांका जाय तशीं जीण जगपाचां पुराय स्वातंत्र्य दिल्ले. अश्या तरेचो हो आधुनीक विचारधारेचो दादलो ह्या कथेंत दिसता. पूण जेन्ना ताचे चली आपल्या बापोलभावा वांगडा लीव्ह एन रिलेशनशीपांत रावपाक सोदता तेन्ना ते लग्ना बगर आनी तेय बी आपल्याच बापोल भावावांगडा घोव-बायलेसारकें रावप हें प्रो. वर्दोक पटना. आदल्या काळार एका चलयेन अशें दुसऱ्यावांगडा लग्न करीनासतना रावप हे वायट नदरेन सामाज घेतालो. आनी आतांय कांय प्रमाणांत घेता. स्वताक कितलेय विकसीत आनी आधुनीक विचारसरणेचे म्हणल्यार

लेगीत आदले विचार आमच्या भितर कितल्या मातल्यात हाची बरीं देख म्हणल्यार प्रो. वर्दो. अश्या तरेन 'चलये आवय' ह्या कथेंतलो लताचो बापूय लताक पयलीं आपलें शिक्षण पुराय करून ताका लग्न करपाचो हट्ट धरता. 'निर्शेणी' ह्या कथेंतलो बापूयलेगीत आपल्या धुवेक शिकपाखातीर प्रवृत्त करता तर'डॉली' कथेंत डॉलीची आवय ताचेर बंधना घालता जाल्यार डॉलीचो बापूय ताका मुक्त रावपाक दिवपाक जाय असो विचार घेवन फुडें वयता. ह्या कथेंतले बापूय पळयत जाल्यार आपल्या धुवेक ते समजून घेवन, आयच्या आधुनीक जगांत तांका वावुरपाक मान्यताय दिता. अशेंच्या विचारांचो शीलाबायचो बापूय आसलो आनी ताचे पडंबिंब ह्या कांय कथांनी दिसतात.

अश्या तरेन दादल्याची साबार रूपा शीलाबायन कथेंत हाडल्यांत. दादलो हो फकत वायट वा अत्याचारी दाखयनासतना ताच्या स्वभावाचो एक मोव कोनसो लेगीत दाखयलां आनी हाका लागून आमच्या समाजांत जें संतूलन आसा तें तिच्या कथांनी दिसता. शीलाबायन आपल्या कथेंत ह्या समाजांतलो सगळ्यांत म्हत्वाचो घटक बायल आनी दादलो हांका आपल्या कथेंत हाडून आमच्या भोंवतणचो समाज कथेंत उबो केला.

**संदर्भ** **वळेरी**

---

[1]कोळंबकार, शीला. कथाशील. 243, पाटो कॉलनी-पणजी गोंय: गोवा कोंकणी अकादेमी, 2007, 61.

[2] वयोच संदर्भ, 24.

[3]वयलोच संदर्भ, 77.

[4]कोळंबकार, शीला.*गॅर*. वळवय फोंडें गोंय: अपुरबाय प्रकाशन, 2007,164.

[5]कोळंबकार, शीला.*ओली सांज*. प्रियोळ, म्हाड्डोळ-गोंय: जागप्रकाशन, 1973, 38.

[6]वयलोच संदर्भ, 69.

[7]कोळंबकार, शीला.*गॅर*. वळवय फोंडें गोंय: अपुरबाय प्रकाशन, 2007, 115.

# प्रकरण– 6

## शीला कोळंबकार हांच्या कथांची लेखनशैली

दर एका थळ-काळाची परंपरां, संस्कृताय वेगवेगळी आसता हाका लागून दर एका समाजाक आपले वेगळें अस्तित्व लाबिल्ल. तशेंच ह्या वेगळयापणान भर घालता ती त्या समाजाची वा जाग्याची भास आनी हीच ताची विशेशताय थारता. भाशेंतल्यान लेखक जेन्ना आपलो सरभोंवतणचो वाठार उतरांनी मांडपाक सोदता तेन्ना, त्या भाशेचेर भुगौलीक, सांस्कृतीक आनी त्या काळाचो परिणाम जाल्लो दिसता. देखून दर एका लेखकाची आमकां हेरां पासून वेगळी लेखन-शैली दिसता. लेखनशैलींतल्यान अमक्याच लेखकाची वळख घडटा. लेखक भास वापरताना म्हणी, वाक्यप्रचार, लोकगीता, हांचो आदार घेता. हे सगलें मेळोन ताच्या साहित्याची भास तयार जाता आनी लेखक आपल्या साहित्यांतल्यान जो वाठार उबो करपाक सोदता तो बरें तरेन तयार जावन कथेचो हेतू स्पश्ट जाता.

शीलाबायन खाशेली लेखनशैली वापरून आपले कथेक एका वेगळया पातळेर व्हरून दवरलां. तिची लेखनशैली व्यक्तिरेखाक आनी घडणूकेक वाचकांमुखार उबी करता. निवेदन, वातावरण निर्मिती, संवाद रचना, म्हणी वाक्यप्रचारांतल्यान तिच्या कथेचो हेतू स्पश्ट जाता. तिची दर एक कथा वाचल्या उपरांत कळटा ते म्हणल्यार ती आपली कथा सहजतायेंत सांगून वयता, दीसपट्टे

आमी जशीं उलयता तशीं शीलाबायची लेखनशैली. शीलाबायन आपल्या कथेंत जंय जंय दुसऱ्या भाशेंतल्या उतरांचो वापर करचो कसो दिसलां थंय तांणी त्या भाशेंतली उतरावळ वापरलां. लेखीका ही पणजे सारक्या शारांत राविल्यान थंय क्रिस्तांव समाज चड तशेंच पुर्तुगेजांची घुरी सगळयांत पयली तिसवाडी वाठारांत पडिल्यान हांगाच्या लोकांच्या पुर्तिगेज उतरांचो प्रभाव चड दिसता. **ओली सांज कथासंग्रहांतली उतरावळ-** इसम, कारभारी, रिस्केर, फितूर, बुयांव, शोफेर, लुगार, कुझनेर, कोर.**गॅर्र कथासंग्रहांतली उतरावळ-** पराबेंश, आमीग, रेफोर्म, इस्तिमोसांव, प्रेज, ऑर्दिनार.

एक शिक्षीत, आधुनीक पात्र दाखोवपाक ताच्या तोंडांत इंग्लीश उतरां घातलां. 'बापूय, पूत आनी हांव' ह्या कथेंतलो मंदार, 'जुवें' ह्या कथेंतलो यश, वाट पळोवपाची ह्या कथेंतली कांय व्यक्तिरेखा हीं आयच्या पिळगेंतली म्हणल्यार कोंकणी आनी इंग्लीश उतरां वापरून उलयताना दिसता. *लाईफ पार्टनर, लव्ह मॅरेज, वर्कसांवांगडां, मॅन्टालिटीय, लिस्ट, ई-मेल, गीफ्ट, आयडिया, पार्टेक, ॲडजस्ट, सेंटिमेंटल फुल, पेटीसां, ड्रॉवर, बाथरूम, फ्रेंड, ग्रुप, वेल इश्टाब्लीशड, डिग्नीफायड* आदी अशीं उतरां वापरतात.तशेंच जशीं, *आण्टी, ऑफिस, ऍक्सिडेंट, क्रेडिट, डायरेक्टर, height of patience, सायन, ब्लॅक चेक. ब्ल्यू फिल्म, बॉस, प्लीज, शॉक, टिफीन, वॉटरबॅग, पेटीसां, ड्रॉवर, बाथरू,* अशीं उतरां कांय व्यक्तिरेखाच्या तोंडात आयल्यात. हेच पद्तीन तिच्या कथेंत हिंदी आनी कांय मराठी उतरावळ आयल्यांत पूण ती कमी प्रमाणांत आसात.

## 6.1 : **निवेदनशैली**

कथेंत निवेदक आनी निवेदन म्हत्वाचे. कथाकार जशीं आपली कथा सांगपाची एक भास थारयता तशेंच तो आपल्या कथेक आनीक कलात्मक पध्दतीन सांगपाक विशेश अशें निवेदन तंत्र

आपणायता. कथेच्या आशयाप्रमाण तो पयलो पुरूशी वा तिसरोपुरूशी अश्या निवेदन पद्दतीचो उपेग करता.

शीलाबायन आपल्या कथेंतआपल्याक योग्य अशीं निवेदन पध्दत वापरला.तिच्यो चडश्यो कथा पयल्यापुरूशी पद्दतीन आसा तर कांय मेजक्योच तिसऱ्यापुरुशी निवेदन पद्दतीन आसा. तिणें योग्य पद्दतीन निवेदन पद्दतीचो वापर केल्यान कथा बरी समजता.

पयलो पुरूशी निवेदनांत निवेदक आपलीच कथा सांगून कथानक फुडें व्हरताना कथावास्तविक दिसता देखीक,"तो भायर सरून वता आनी हांव एकलेंच उरतां. सामकें एकलें. हांव जनेलांतल्यान भायर पळयतां. तो वता तें दिश्टी पडटा. म्हणटा म्हणसर रस्त्यावेले गर्देंत तो नाच्च जाता. रस्त्यार इतलो लोक, इतल्यो गाडयो, इतल्यो बशी वतात...चोम्या चोम्यानी लोक वतात. हे इतले लोक खंय वतात, खंय येतात, खंय धांवतात कांयच कळना. आनी इतल्या लोकां मजगतीं हांव आसून हांव एकलें तें एकलेंच."[1] ह्या कथेंत निवेदीका स्वता कथेंतले मुखेल पात्र जाल्यान ती आपली व्यथा ह्या निवेदनांतल्यान मांडटना दिसता. निवेदीका ही मुळ गोंयची आशिल्यान लग्न करून जेन्ना ती मुंबय सारक्या भरगच्च शारांत पावता तेन्ना थंयसरल्ल्या लोकजीणेंत ती सामकी घुस्मट्टा. मुंबयंत तिका एकूच आदार म्हळयार तिचो घोव, पूण तो कामाक गेल्या उपरांत ती घरा एकटी उरता. मुंबयची ही धांवपळची जीण पळोवन तिका अजाप जाता. कारण गोंयकार इतले कश्ट करूनय सुशेगाद जीण जगता. पूण मुंबय हे धांवते शार आनी मुंबयंत रावपी लोक तर माशिनां जाल्यात. थंय दर एकटो दीस-रात आपल्या पोटा-पाण्याखातीर धांवता. शेजारी शेजाऱ्याक वळखना. अश्या वेळार निवेदीकेक आपलो गोंयचो सारसवळ कुटूंब याद जाता, थंयसरले लोक जे येता वयता सगल्यांक हडकीता, एकामेका वांगडा उलयता, खंयच कोणाक कसली ताकतीक ना.

“गोंया आयल्या उपरांत मंगेशा खातीर चलयो पळोवपाक सुरवात जाली. दोन दिसांत मंगेशान तीन चलयो पळयल्यो. त्यो तिनूय चलयो ताका आवडल्योना. पयली चली ताका पसंत पडली ना कित्याक तर तिगेल्या ओंठाकडेन मातशे चड केंस आशिल्ले खंय..दुसरी चली ताणे नापसंत केली कित्याक तर चलये आवय पिशी कशी दिसली खंय..चवथी चली ताणे नापास केली कित्याक तर तिका खूब नातेवाईक म्हणून दोन चलयांक होच पसंत पडलो ना कित्याक तर तो मातसो जाणटो म्हणून म्हाका तागेली कारणां आयकून इतलो संताप आयलो”[2] ‘न्हय न्हय न्हयकार’ ह्या कथेंत निवेदिका कथेंत मुखेल पात्र जावंक ना पूण ती त्याच कथेंत कुशीक रावन तिच्या भाच्याची पुराय लग्ना संदर्भांत घडणूक सांगता. देखीक घेतिल्या ह्या निवेदनांतल्यान, लग्नाखातीर सोयरीगत करपाक वयता तेन्ना चलो-चली एकामेकाक पसंत करताना कशीं बारीक बरीक कारणां वयल्यान नापसंत करता तें दिसता. ती त्या मनशाचो स्वभाव वा भाव-भावना, ताची आंतरीक सुंदरताय पळय नासतना, ताचे भायले सोबीतकायेर चड भर दिता. अशें जाल्ल्यान आयज आमचेकडेन अश्यो जायत्यो देखी आसात जांचे लग्न संबंध चड काळ उरना. कारण लग्न जीवन सुखांत उरपाक एकामेकाच्यो आवडी-निवडी, विचार हे लक्षांत घेवप चड म्हत्वाचें.

कांय कथेंची निवेदना अशीं आसा, जातूंतल्यान निवेदीका त्या मनशाचे वा गजालीचे वर्णन करून त्या मनशाक वा गजालीक आमच्या दोळयांमुखार हाडटा तेच्या फाटलो आशिल्लो अर्थ सुचयता.“दोनुच दिसां आदली खबर...तोरां विकूंक आयिल्लीं. सुपुल्लींच आशिल्लीं. म्हाकां रूच आयली तोर खावपाची...हांवें एक तोर घेतलें. मदी कापले. भीतर मीठ आनी हरवी मीरसांग भरली. ताका दारापोंदा चिडूडीलें आनी करकरा करून खालें. पूण दांत आंबट जालेना. अशी दोन तीन तोरां खाली हांवे तेन्ना शेजान्नीन विचारले, “कितें गे बाये? तोरांशी चाबडायता?"[3] वयर केल्ल्या पुराय

निवेदनांतल्यान ती निवेदीकेची गुरवारपणाची लक्षणां दिसता. तशेंच तें तोर कापून खावपाची कृती आसा ती पुराय दोळयामुखार उबी जाता.

शीलाबायन आपल्या कांय कथांनी तृतीय पुरशी निवेदन पद्दत वापरिल्ली दिसता. ह्या निवेदन पद्दतीन, निवेदिका पुराय कथा स्वता सांगिनासतना आपल्या मुखेल पात्राच्या तोंडांत संवाद घालून कथा फुडें व्हरपाचो प्रयत्न करता. "आनी ते रातीं. बरीच रात मेरेन तांच्या घरांतल्यान सतारीवेले सूर चान्यांत भिजत न्हिदिल्ल्या घरांचें आनी झाडापेडांचें काळीज चिरीत वतात"[4]'सतार' ह्या कथेच्या शेवटाक आयिल्लें हें निवेदन कथेक बरो शेवट दिता. ह्या कथेंतले मुखेल पात्र एक बायल, जी आपल्या सतारीचेर निस्वार्थ मोग करताली. पूण जेन्ना तिका कळटा की आपल्या घोवान आपल्याचेर फक्त त्या सतारीखातीर मोग केल्लो आनी आतां तो तिच्या आवडीक वेव्हारीक रूप दिवन तातूंतल्यान येवपी येनावळींतल्यान आपल्या भावाक शिक्षण दिवपाक सोदता तेन्ना तिका जाल्ले त्रास वा दुख ह्या निवेदनांतल्यान दिसता. ते सुर तिचे काळीच चिरता. तिच्यो अपेक्षा भंग जाता.

'मागीर मॅगी रांदता. इश्कोलांतल्यान येतकीच तें केनाच बेबीक रांदूक सांगना. सदांच शीत कोडी करता..मॅगी केन्नाच नुसतें विकूंक वचना केन्नाच कोणाकडेन केस्तावां करना. आतां तें त्या तांबड्या घरांतल्या जनेलार उबें रावलां आनी बेबीची वाट पळेता. हैं आनी इस्कोल... कितलो वोगोत जालो...सुटच ना.'[5]ह्या कथेंत निवेदिका ही कथेभायर रावन मॅगी हे शाळेक वचपी चली भुरग्याची कथा सांगता. घरांत आनी शाळेंत तेका मानसीकत त्रास जाल्यान ते आपले वेगळे काल्पनीक जग तयार करून, आपल्याक जे वास्तवांत त्रास जालां ते तें आपल्याक बेबीक दिनासतना ताका बरें तरेन दवरपाचो यत्न करता. हातूंतल्यान मॅगी स्वताचें दुख विसरपाक एक सोडवाट काडटा. ह्या निवेदनांल्यान निवेदिका त्या पात्राचे मनांतले विचार आमच्याकडेन पावयता.

“बाबू जावच्या वेळार अम्माक खूब त्रास जाले. ती साप्प बारीक जाल्ली. येदें व्हडलें पोट घेवन तिका रगड्यार वांटचें पडटाले. केन्नाय पुरो जालें म्हूण न्हिदूंक लेंगीत मेळनाशिल्लें. अप्पाक सगळे व्यवस्थित जाय आशिल्लें. माशें कितेंय आगळे उणें जालें जाल्यार अप्पा सगळें घर माथ्यार घेतालो. आनी तातूंत सुकी फोडणां घालूंक आजी आशिल्लीच. आज्जेक अम्मालो राग येतालो. कित्याक तर ती चलयां आवय म्हूण”[6]‘सावित्री’ ह्या कथेंत सावित्री ह्या मुखेल पात्राची कथा निवेदिका सांगता. सावित्री ही घरांत चवथी चली आनी ताच्या फाटल्यान ताची आवय परत गुरवार जाता तेन्ना तिका चलो जाता. पांचव्या फावटी ताची आवय गुरवार आसता तेन्ना तिका जाल्ले त्रास देखीक घेतिल्या ह्या निवेदनांत दिसता. भुरग्याक जल्म दिताना दर एके आवयन सोंशिल्ले हे त्रास. बायल जेन्ना चल्याक जल्म दिता तेन्नाच ते बायलेक बरें तरेन पळयतात नाजाल्यार तिका दर खिणाक खेपता. जशीं हांगा सावित्रीची आजी आपल्या सुनेक चार फावटी चलयेकूच जल्माक घातला हे चिंतून त्रास करता. ही आदल्या काळावयली विचारसरणी दिसता.शीलाबायच्या कथेंत अशें तरेन निवेदन तंत्र वापरिल्यान, खास करून जी पयलो पुरूशी निवेदनांतल्यान कथा आसा ती वाचकाक कथानकाकडेन बांदून दवरता. तशेंच कथानकाक गती दिवपाचे काम करता.

## 6.2 : संवादलेखन

हेर घटकासारको संवाद हो कथेंत म्हत्वाचो पूण कांय जाणकाराच्या मताप्रमाण कथा ही संवादाबगर वा फकत संवादांतल्यान घडपाक शक्ता. पूण संवाद कथेक गती दिता आनी वास्तवांत हाडपाक मदत करता. शीलाबायच्यो चडश्यो कथा मध्यम वर्गीय मनशाच्या जिणेचे चित्रण करता. आनी हे करताना एका पात्राक योग्य अशी भास ताच्या तोंडात घातलां. ‘विखाळयांतली व्यथा’ह्या कथेंतलो हो संवाद. लेखिका लग्न जावन गोंयांतल्यान मुंबय पावता तेन्ना थंयच्या धांवपळीच्या

जीणेखातीर तिका एकसुरेपण येता. थंय तिचो एकूच आदार आसता तो तिचो घोव. देखून ती आपलो कामाक गेल्लो घोव केन्ना येतलो हाची वाट पळयता. एकदीस अचानक तो बेगीन येता तेन्ना तिका खूब खोशी जाता. पूण तिचो तो प्रस्न तो वेगळ्या तरेन घेता.

*"अरे वा! आयज तूं इतले बेंगी कसो?"*

*"हांव बेगीं आयलों तें तुका आवडलें ना?"*

*"तशें न्ही रे.."*

*"मागीर कशें?"*[7]

हांगा दादलो बायलेक समजून घेवपाक कमी पडटाना दिसता. ती एकटी उरिल्यान तिका जावपी त्रास ताका दिसना. आनी अशे तरेन बायलेच्यो इत्सा, तिच्यो भावना ह्यो फकत भितर घुस्मटात.

'इल्लीं शीं, इल्लीं गर्मी' ह्या कथेंत लेखिका आपल्या घोवाक जेन्ना आपल्याखातीर सुटी घेवपाक सांगता तेन्ना तो एकूय दीस घेना पूण भुरग्यांखातीर मात रोकडीच घेता. ताच्या सुटयेच्या पयल्याच दिसा भुरगीं आपल्या आत्यागेर रावपाक गेल्यान, घरांत उरता ती फकत लेखिका आनी तिचो घोव. दुसऱ्या दिसा जेन्ना तो सुटी घेवन सुध्दा कामाक वयता हें पळोवन लेखिका विचारता तेन्ना तो सांगता,

*"हें कितें? तुमी सुटी घतिल्ली न्हय? म्हूण म्हाका दिसलें आज तुमी कामाक वचना म्हूण. तेन्ना उठपाक हांवे मातसो आळस केलो."*

*"ज्या भुरग्यांखातीर हावें रजा घेतिल्ली तीं भुरगीं म्हजे भयणीगेर. आतां हांव घरा रावन तरी कितें करूं?"*[8]

हांगा घोव परत बायलेच्या भावनांचेर आडनदर करताना दिसता. सुटयेंत भुरग्यांक भोंवपाक जाय म्हूण तो सुटी घेता पूण बायलेक जाय म्हूण केन्नाच घेना. हांगा बायल ही घरांत एक वस्तू, तिका कसल्याच अपुरबायेची मोगाची गरज ना अशें दादल्यांच्या मनांतले एक चित्र दिसता.

'बायलमनीस' ह्या कथेंत लेखिका आपल्या इश्टीणी वांगडा रिक्षेंतल्यान वयताली तेन्ना तांका एक झोपडपट्टी मेळटा. थंय एक दादलो आपल्या बायलेक ढबाढबा करून बडयतालो ते पळोवन ती उलयतात,

*"हें बरे बाये! हे झोपडपट्टींतले लोक आपल्या बायलांक बडयतात...जाल्यार हाय-फाय सोसायटींतले लोक आपले बायलेक जितीच मारून उडयतात..."*

*"आनी मध्यवर्गीय दादले आपल्या बायलांक उतरांनी मारतात."*[9]

हांगा आमकां समाजांतले एक कडू सत्य, एक वास्तव दिसता. अशें म्हणटात आदल्या काळार दादल्यांक बायलांचो म्हत्व खबर नासले म्हूण ते तांचेर अत्याचार करताले. पूण आतां जग सुदारला आनी बायलांचेर अत्याचार जायना. पूण हे फट जसो मनीस विकसीत जाता तशें आयज बायलेचेर चड अन्याय जाता. अन्याय करपाचे फकत रूप बदलां आनी आयची बायल ही मोन्यांनी सोसून वगी रावता.

निवेदिका आनी इश्टीण एकदीस बाजारांत गेल्ले कडेन, तिची इश्टीण एका हॉटेलांत वचपाक सोदता पूण निवेदिका थंय वचपाक आडखळटा. कारण

*"आगो, त्या हॉटेलालागीं पानविड्याचें दुकान आसा न्ही, तें आमच्या गांववाल्याचें."*

*"मागीर ?"*

*"तेवटेनच्या खंयच्या दुकानांत हांव वचत जाल्यार म्हज्या घोवाक रोकडेंच कळटा."*

*“तें आनी कशें गो?”*

*“आगो, म्हजो घोव सद्दां घरा येतना तागेर वचून सिगार घेता. तेन्ना तो मेलो ताका सांगता, तुगेली घरकान्न अमूक तमूक दुकानांत गेल्ली.”*[10]

एक भुरगें चली म्हण जल्मताच तेच्या वाट्याक येता ती सगलीं बंधना आनी जशें जशें ते व्हड जाता, लग्न जाता तशें तेची जीण आनीक कोंडाळून उरता. तिका तिचे स्वतंत्र मेळना, दुसऱ्यांचो तिच्या जिणेर हक्क गाजता. दादल्यान आनी समाजांत घालून दिल्या वाटेर तिका चलचें पडटा. लग्न जाल्या बायलेन समाजाक नाका जाल्लें कितें केल्यार ती चरित्रहीण जाता. आनी ह्याच भयान निवेदिका स्वताक स्वताच्या आवडी-निवडी, स्वतंत्र्यापासून पयस दवरताना दिसता.

## 6.3 : वातावरण निर्मिती

वातावरण निर्मिती ही कथेंत म्हत्वाची कारण लेखक कथेंत जे कितें सांगपाक सोदता तें वातावरण निर्माण केल्यार तें चड बरें तरेन करत, वाचकांक तें सुचयता आनी तांच्या दोळयांमुखार ती कथा जंय घडटा तो वाठार, आनी घडणूक उबी रावता.

‘सांजवेळ. पावसाची एक दडक येवन गेल्या. सगले नितळ करून पावसान न्हावन वोत आयलां, भांगराभशेन लखलखीत. आनी येवन बसलां तें दिस्त माडांचेर, माडांचे चकचकीत कळस करून......कळस हालतात धोलतात पळे, तसले... भायर सगलें ओलें जालां. मळब ओलें, झाडां-पेडां ओलीं... घरां ओलीं... सगलेंच ओलें.’[11]‘ओलीसांज’ ह्या कथेतच्या सुरवातेक लेखिकेन हें वातावरण उबें केलां. सांजवेळार पडपी पावस हो मात्सो खास आनी मनाक भूल घालपी असो आसता. तो नेटान जरी पडलो तरी पावस गेल्या उपरांत जें वातावरण तयार जाता ते खंवदळळील्या

मनाक शांत करपी आसता. ल्हव वांवपी तो वारो तोंडार आपसूक हांसो फुलयता आनी हे उमेदीन भरिल्लें वातावरण अशेंच उरचें कशें दिसता. अशीच अवतिकाय लेखिकेची जाल्ली दिसता. त्या वातावरणांत तिका मिरोवचें आसा, तिचें मन खोशयेन वोलें जाता. वयार आयिल्या चलयेची जीण अशींच आसता कांय खिणाखातीर ताच्या जिणेंत खोशी आसता पूण भोंवतणच्या राक्षेसांची नदर जशीं तांचेर पडट्टा तशीं ती उमेद नाच जाता. आनी निमणेक कथा अशींच सोंपता. उमेदीन ह्या सैमाक आपल्या दोळयांनी भरून घेवपाक भायर सरिल्ली लेखिकेक राक्षेस म्हणल्यार वायट हेतून पळोवपी दादले मेळटात आनी दुख्खांत ती घरांत परतता.

'सकाळचो वेळ. हॉटेलांत हीऽ रीग! गिरायकांचो बोवाळ, कपांबशयांचो किणकिणाट... रेडिओचो घरघर...पेपरांचो फरफर, जोत्यांचो चरचर...'[12]'घाय'हे कथेंतले गोंयदा हॉटेलांत काम करता हे दाखोवपाक लेखिकेन हे कथेच्या सुरवातेक वातावरण तयार केल्लें दिसता. सकाळच्या वेळार हॉटेल कशें गच्च भरिल्लें आसता तें दिसता. सकाळच्या वेळार हॉटेलांत दादलेच गिरायक म्हूण येतात. हॉटेलांत च्या पिता-पिता पेपर वाचप, खबऱ्यो करप, रॅडियो आयकप हे गांवच्या बेकार वा जाणट्या दादल्यांचो सकाळचो नेम कसो. आनी असोच बोवाळ, धांवपळ गोंयदाच्या जिणेंत पळोवपाक मेळटा आनी कथेच्या शेवटाक ती अचकीच बंद जाता. निमाक पळोवपाक ताची धांवपळ, ते दिसना जाल्यार ताची वाट पळोवप, ते आनीक कोणावांगडा उलयता जाल्यार तेंच्या लागसार फेऱ्यो मारप, कितें तें समजूच्या पयलींच नकळटा निमाची चीट व्हरून तें ज्या चल्याचेर मोग करता ताका दिवप आनी शेवटाक तें पळून वचप. हें सगलें हॉटेलाच्या वातावरणाकडेन जोडिल्लें दिसता.

'वैशाखांतले गाभणे दीस' हातूंत निर्मिल्लें वातावरण 'वोताचो कितलो रखरख! वारो दुस्मान कसो खंयतरी लिपून रावला. वारो नासून झाडा पेडां मोनी जाल्यांत. एक पान लेगीत हालना. दिसता, आतां कितेंतरी जातलें अशें समजून झाडां पानां आपले श्वास रोखून रावल्यांत. घामान आंग चिकचिकीत जालां. आयतार आशिल्ल्यान एकेतरेची शांतताय सगळयाक पातळया. मदींच एक कावळो काव काव करून आड्डता, तितलोच आवाज.'[13] पणजे सारक्या शारांत जंय झाडा कमी जाल्यान, दनपारच्या वेळार कशीं गर्मी जाता ते ह्या वातावरण निर्मितींतल्यान दिसता. झाडां नाशिल्यान सावळी ना आनी घरांत रावून सुध्दा तितलीच गर्मी जाता. शारांतल्या मनशाचो झाडांखातीर तळमळ दिसता.

'आयज तें खुब्ब खेळटा. आमोरी जाली तरी ताका कोण उलो मारना. मागीर सगलीं घरा वतकीच ताका आपशींच घरा येवचें पडटा. तें घरा येता. घरा येत जाल्यार आजो आनी बापूय व्हडल्याव्हडल्यान कितें तरी उलयतात... आजी रडटा... सुमी आत्या जलांतल्यान भायर पळेता. बेबीक पळोवन सगलीं वोग्गी रावतात. बेबीक बेठो भय दिसता. तें सुमीआत्या म्हऱ्यांत वता. जनेलांतल्यान ताजेभोनूच भायर पळेता... पुण ताका काळखाबगर कांयच दिसना.'[14] बेबीची आवय बेबीचे केस वळयता तेन्ना नकळत बॅबी हे ल्हान आशिल्यान, घरांत कितें सांगपाचे आनी कितें सांगपाचे ना हें ताका खबर नाशिल्यान ते आपल्या सुमीआत्याच्या मोगाची गजाल आवयक सांगता आनी ते खेळूंक वयता. परत घरा येता तेन्ना घरांत तयार जाल्लें हें गंभीर वातावरण. सुमीचो मधुचेर मोग आसा हें घरांत कळटा. आनी चलयानी मोग करप हें आदल्या समाजाक मान्य नासलें. घरांतल्यान येवपी व्हडाव्हडांत आवाज हो सुमीक तापोवपाचो. बॅबी जेन्ना जनेलांकडेन वयता तेन्ना ताका भायर पुराय काळोख दिसता आनी हो काळोख सुमीच्या आनी बॅबीच्या मनांतलो. सुमीचे प्रकरण घरांत कळील्यान फुडें ताचे जिणेचे कितें जातलें हें ताका खबर ना आनी घरांत कितें घडलां? हाची बॅबीक कांयच खबर ना. हें पुराय वातावरण कथेच्या शेवटाक गंभिरताय तयार करता.

## 6.4 :म्हणी आनी वाक्यप्रचार

कथाकार साहित्यांतल्यान व्यक्त जाताना तो ताच्या सदाच्या जिणेंतले घटना प्रसंग तो कलात्मक रितीन उबे करता. अशें करताना तो खंयच त्या घडणूकेचे मूळ शेणयना. आमच्या संवकळीची भास, संवाद तो वापरता आनी ताका वास्तविकतायेचे रूप दिता. ह्या आमच्या संवकळीच्या भाशेंत म्हणी, वाक्यप्रचार, ओपारींचो आस्पाव आसता आनी हें सगळें भाशेचे खाशेलेपण. शीलाबायच्या कथेंत अशीं खाशेलपणां दिसतात.म्हणी ह्यो परंपरेंन आमच्याकडेन चलून आयिल्ले भाशिक दायज. म्हणी म्हणजे मनशान आपले बरें वायट अनुभव वा दुसऱ्याचे मनशाची प्रवृची, आचार-विचार एका वाक्यांत सांगपाचो प्रयत्न केल्लो आसता.

**गॅर कथा झेल्यांतल्यो म्हणी**

1. वागूय म्हळयार खाता आनी वागोबाय म्हळयार खाता. (पा. 77)
2. रगत उदकापरस दाट. (पा. 109)
3. जाचे जळटा ताकाच कळटा. (पा. -114)
4. एका हातींत ताळी वाजना. (पा-162)
5. गजालींनी घोव सांडलो. (पा. 156)

**कथाशील कथा झेल्यांतल्यो म्हणी**

6. भटो भटो आपल्या वाटो (पा.39)

7. आपलेच दांत, आपलेच वोंट (पा. 53)

8. खांवचे दांत वेगळे आनी दाखोवपाचे दांत वेगळे (पा. 64)

9. काळाच्यो गती आनी मुयेन गिळ्ळो हती (पा. 73)

10. जाचे करचें बरें, तो म्हणटा म्हजेंच खरें. (पा. 120)

11. मनीस मोव पळोवन कोंपरान खणपी हो लोक. (पा.143)

**वाक्यप्रचार**

वाक्यप्रचार म्हणल्यार आमकां जेन्ना दुसऱ्याक कितेंय सांगपाचे आसा ते आमी कांय खाशेले शब्द वापरून सांगतात. ह्या उतरांचो अर्थ त्या त्या भाशेंत रूढ जाल्लो आसता. हो अर्थ सरळ नासून तो त्या उतराच्या फाटल्यान लिपिल्लो आसता.

**ओली सांज कथा झेल्यांतले वाक्यप्रचार**

1. दोळे न्हिवताले (पा. 6)

2. शीण झडटालो (पा. 6)

3. तोंड वळप (पा. 6)

4. वोत चडप (पा. 61)

5. गोम कळप (पा. 64)

**गॅरं कथा झेल्यांतले वाक्यप्रचार**

6. ह्या कानान आयकलें आनी त्या कानान सोडून दिलें (पा. 9)

7. पांखां फुटलीं (पा. 10)

8. बकच्छायांनी उलयतात (पा. 14)

9. ताच्या नांवान बोटां मोडप (पा. 16)

10. बस्कळ समज (पा.19)

11. रानांत पडप (पा. 100)

12. दुदांत साखर पडप (पा. 103)

13. थपकल मारप (पा. 108)

14. खोळंबून दवरप (पा. 112)

**कथाशील कथा झेल्यांतले वाक्यप्रचार**

15. शीताफुडें मीठ खावप (पा. 34)

16. कपडे करप (पा. 35)

17. हुमलो कसो वळवळप (पा. 39)

18. लांब जीब करून उलोवप (पा.54)

19. बाय नाचरी तांतूंत पायांक बांदल्या घागरी (पा. 56)

20. कपलार मिरीं वाटप (पा. 56)

21. तोंड काळें जावप (पा. 57)

22. जिबेक हाड योवप (पा. 58)

23. चण्याझाडार चडोवप (पा. 125)

24. फेय वचप (पा. 130)

भाशाशैली, निवेदन पध्दत, संवाद आनी वातावरण निर्मिती तशेंच म्हणी, वाक्यप्रचार हातूंतल्यान शीलाबायची कथा आकाराक येताना दिसता. भासाभास- भास ही फक्त एकामेका वांगडा संपर्क करपाचे वा व्यक्त जावपाचे माद्य न्हय तर, पात्र जशें उलयता वा जी भास ताच्या तोंडांतल्यान येता ती आमकां त्या पात्राच्या मनांत कितें चल्ला, ताचे विचार, ताचो स्वभाव कळटा. शीलाबायच्या कथेंतली भास पळयत जाल्यार दर एका पात्राक सोब सारकी भास तेका दिला. शीलाबायच्यो कथा वाचल्यार तिची भास ही सादी आनी सोपी आसा, वाचल्यार ती खंयच आडखळना अशें दिसता, लेखीकाच स्वता आपली कथा सांगता. शीलाबायच्यो कांय वेंचीक कथा घेवन तातूंत मेळपी भाशिक दायज, तिची भासशेलीचे विवेचन केलां. दर एका साहित्यप्रकाराची शैला वेगवेगळी आसता आनी ती समजून घेवन एक साहित्यरचना करप म्हत्वाचे आनी हे शीलाबायन बरेंतरेन केल्ले दिसता.

**संदर्भ** **वळेरी**

---

1कोळंबकार, शीला.*गॅरे*. वळवय फोंडें गोंय: अपुरबाय प्रकाशन, 2007,72.

2 वयलोच संदर्भ,133.

3कोळंबकार, शीला.*कथाशील*. 243, पाटो कॉलनी-पणजी गोंय: गोवा कोंकणी अकादेमी, 2007, 65

4 कोळंबकार, शीला.*ओली सांज*. प्रियोळ, म्हाड्डोळ-गोंय: जाग प्रकाशन, 1973, 50.

5 वयलोच संदर्भ, 89.

6कोळंबकार, शीला.*कथाशील*. 243, पाटो कॉलनी-पणजी गोंय: गोवा कोंकणी अकादेमी, 2007, 53.

7 कोळंबकार, शीला.*गॅरे*. वळवय फोंडें गोंय: अपुरबाय प्रकाशन, 2007,74.

8 वयलोच संदर्भ,136.

9 कोळंबकार, शीला.*कथाशील*. 243, पाटो कॉलनी-पणजी गोंय: गोवा कोंकणी अकादेमी, 2007, 75.

10 कोळंबकार, शीला.*गॅरे*. वळवय फोंडें गोंय: अपुरबाय प्रकाशन, 2007, 152.

11 कोळंबकार, शीला.*ओली सांज*. प्रियोळ, म्हाड्डोळ-गोंय: जाग प्रकाशन, 1973, 1.

12 वयलोच संदर्भ, 5.

13 कोळंबकार, शीला.*गॅरे*. वळवय फोंडें गोंय: अपुरबाय प्रकाशन, 2007, 126.

14कोळंबकार, शीला.*ओली सांज*. प्रियोळ, म्हाड्डोळ-गोंय: जाग प्रकाशन, 1973, 80.

# प्रकरण–7

# निश्कर्श

कथा हो असो साहित्यप्रकार जातूंत ल्हान एका घडणूकेंतल्यान व्हड आशय मेळटा. कथा कशी आसची हें अभ्यासकांनी दिल्ल्या व्याख्या अभ्यासून तिच्या आकाराचेर चड भर दिल्लो दिसता. कथेंत आयिल्ला विशयाप्रमाण कथेचे वेगवेगळे प्रकार जाता. ह्या कथेचे बीं कोंकणींत रूजतना जायत्या कोंकणी बरोवप्यांनी तिका सारें घालून वाडयल्ली दिसता. हातूंतली एक लेखिका म्हणल्यार शीला कोळंबकार. कथेंत कथाकाराक मेजक्याच उतरांनी खूब कितें समाजाक सांगपाची संदी आसता. आनी ह्या संदीचो फायदो शीला कोळंबकार हांणी घेतलां हें तांच्यो कथा वाचल्या उपरांत कळटा. शीलाबायच्यो कथा अभ्यासतना तिच्या कथेंतल्यान जें म्हाका जाणवलें तें हांवें सकयल मांडलां.

कोंकणी साहित्याक आपले मोलादीक योगदान दिवपी मनोहरराय सरदेसाय शीला कोळंबकार हांच्या कथे संदर्भांत आपले मत उकतायताना म्हणटा, "शीलाबायच्यो कथा म्हळयार निवळ नितळ केल्ल्या आंगाणांतली सोबीत रांगोळे भाशेन आसात. रंग पिठ्याची चिमटी घेवन ती नाजूक बोटांनी रांगोळी घालीत येता. एक एक चिमटी मेळून ल्हव ल्हव करून पुराय चित्र रूपाक येता. बचके भरीन ती पिठो नेटान शेंवटीना तर ती हात सांबाळून रंग घालता."[1]जाल्यार शीलाबायचे

मार्गदर्शक प्रॉ. एस. एस. नाडकर्णी शीलाबायची तुस्त करतना सांगता, “मनशाचेर शीलाचो मोग आसा. तांचीं दुखां जाणून घेवपाखातीर गरजेची आसलेली सहृदयताय ताचे कडेन आसा. ताचे वेव्हार बारिकसाणेन नियाळपाची तांक आसा. एकाद्रो मनीस ताच्या भायल्या आनी आंतरीक रुपान वचप्यांच्या दोळयांमुखार उबो करपाची तांक आशिल्ली शैलीय ताचे कडेन आसा.”[2]

शीलाबाच्यो कथा वाचल्यां उपरांत दोळया मुखार तिचें व्यक्तित्व उबें जाता. तिची आपल्यापणान आनी सरळ उलोवपाची शैली कथेंत पडंबिबीत जालां. तशेंच समाजाकडेन पळोवपाची बारीक आनी निरीक्षणात्मक नदर शीलाबायच्या कथेंतल्यान दिसता.देखूनच तिका समाजांत वा घरगुती जिणेंत मनशाक जावपी बारीकांतले बारीक त्रास तिच्या कथांनी दिसता. समाजांत मनीस हो महत्वाचो आनी ह्या मनशाचे दर एक रूप लेखिकेन आपल्या कथेंत आस्पावून घेतिल्ले दिसता. भुरग्यांचेर आधारीत ज्यो तांच्यो कथा आसा तातूंतल्यान ती बाल मनाचो थाव घेताना दिसता. भुरग्यांचे वेगळे विश्व तिच्या कथेंत दिसता. तशेंच ह्या कथेंतल्यान शीलाबाय जाणट्यांक भुरग्यांकडेन कशें वागचें, तांच्या फुड्यान कितें उलोवचें कितें ना ह्या बाबतींत शिटकायता. कारण भुरगीं भोंवतणच्या वातावरणांतल्यान घडटात.शीलाबायच्या कथांनी एक वेगळेपण दिसलें तें म्हणल्यार ती खंयच पुरायपणान दादल्याक कमी लेखना वा दादल्याची चूक करीना. दादल्यावांगडा बायलांचे खंय चुकता ताची जाणवाय ती करून दिता. तिच्या कथेंत दादलो बायलेचेर अत्याचार करताच वांगडा एक बायल बायलेचेर कशीं अन्याय करता ते दिसता. जे तिका आपल्या भोंवतणी दिसता तें तिणें कथेंत हाडिल्ले जाणवता.

जायत्या कथांनी चडशें तरणाट्या वयाच्या भुरग्यांक मोग जाता आनी जेन्ना तांचो मोग तुट्टा तेन्ना चली दुख्खांत पडटा, ती दुसऱ्या चल्या वांगडा लग्न जावपाक सोदीना अशें दिसता पूण

शीलाबायच्या कथेंतली चली आधुनीक विचारांची जाल्यान ती जिणेंत फुडें सरता, ती खंबीरपणान फुडल्या जीणेक तोंड दिता.तशेंच तिच्या कथेंतली सुरवातेक सोंशीक आशिल्ली बायल लेगीत निमाणेक आपल्या अस्तित्वाचो विचार करता. तिच्या कथेंतली चडशीं बायल पात्रा अन्याय सोंसतात. कांय पात्रा बंड करता पूण चडशीं सोशीक आसली तरी ती जरी उठून बंड करीना पूण तिका तिचेर जावपी अन्याय अत्याचाराची जाणीव जाता आनी बंड करपाचो प्रयत्न विचार करता.एक अस्तुरी लग्न जावन जेन्ना घोवा घरा वयता तेन्ना तिका जावपी त्रासांक शीलाबायच्यो कथा वाचा फोडट्टात. तशेंच चडश्यो तिच्या कथांनी ल्हान, वयार आयिल्ले तशेंच आंकवार चलयांक आपल्या सदच्यां जिणेंत जावपी त्रास दिसता. देखीक सावित्री, छाया, मॅगी, डॉली हेच तरेची आनीक कांय चलयो, आमकां एक वेगळो विचार दिता.

बायलेचेर मोग करपी वा बायलेचेर अन्याय करपी दोनूय दादले पात्र पळयत जाल्यार ते बऱ्या पद्दतीन घडयलां. ते उलोवपी दर एक शब्द कथेक वास्वता दिता.तिच्या कथेंत चल्याचोय निस्वार्थी मोग पळोवपाक मेळटा. देखीक, ‘वाऱ्यावेलें सपन’ ही कथा पळयत जाल्यार हांगा निवेदीकेचो भाव, जाका भाविणीच्या चलयेचेर मोग जाता पूण समाजाच्या वायट विचारांक लागून तांचें लग्न जायना. तरी आसतना तो निमणेमेरेन खंयच्याच दुसऱ्या चलयेकडेन लग्न जायना.

शीलाबायन कथा बरयताना वेगवेगळे तरेन बरोवपाचो प्रयत्न केला. तातूंत तिणें संवादात्मक कथा बरयल्या, ‘शील’ ही पत्ररूपान कथा बरयल्या तर ‘ओली सांज’ ह्या कथा संग्रहांतली ‘कोडवें सुख’ ह्या कथेंत सुरवातेक आनी शेवटाक निवेदन आसा आनी मदीं कथेचो विकास जाता तो फकत संवादांतल्यान. एका वेगळ्या तरेच्या साच्यान बसोवपाचो लेखीकेन प्रयत्न केला आनी तो सुंदर जाला.

शीला कोळंबकार हांच्या कथेंचो खाशेलो गूण म्हणल्यार, तिच्या कथेंत सुचकताय दिसता. देखीक, 'घाय' हे कथेंत जेन्ना गोंयदाक कळटा तो ज्या चलयेचेर मोग करतालो ते चली पळून गेले म्हणून तेन्ना तेच्या हातींत आशिल्ली सुरी चुकून ताच्या हाताक लागता आनी ताच्या हाताक घाव जाता. हो खरो घाय तेच्या काळजाक जाल्लो. ताचे निमा दुसऱ्या वांगडा पळून गेल्लें आनी हें दुख्ख ताका जल्मभर सतायतलें इतलो तो खर घाय आसलो. अशेंच आनीक जायत्या कथांनी सुचकताय दिसता.

शीलाबायन जें निवेदन करपाक पयलें पुरूशी निवेदन वापरलां तें निवेदन बरेंतरेन जाला. स्वता शीलाबाय उलयता कशी दिसता. कारण मनशां जशीं साद्या सोप्या उतरांनी उलयता, मनांत विचार करतात, तश्याच पध्दतीन तिची वाक्य रचना दिसता.कथांचे माथाळे कथेच्या आशय-विशयाकडेन जुळटात. माथाळ्यांतल्यानकथेक ताका न्याय मेळटा.  शीलाबायच्यो कथा नव्या आशयांक आनी विशयांक रूप दिवपी आसा. ज्यो एकदम मंद गतीन व्हांवता देखीक. न्युड चित्रां काडपाची सावित्रीची कला, 'नवी पिडा' ह्या कथेंतले सोरो पियोवपी ज्योती एक लग्न जाल्ली बायल. अश्या कांय कथेंतल्यान शीलाबाय बदलत्या काळावांगडा आपल्या कथेक व्हरपाचो प्रयत्न करता.

तिच्या कथेंत इंग्लीश, मराठी, हिन्दी उतरावळ वापरिल्ली दिसता. शीलाबायन कथेक सोबसारकी भास वापरला. तशेंच कथा सुदंर करपाक खंयच भाशेची मोडतोड वा जड उतरांचो प्रयोग केल्लो ना. खंयच उतर मुध्दाम घातिल्ले दिसना, जे येवपाक जाय ते सरळपणान आयलां. बारीक बारीक संवादांतल्यान, वर्णनांतल्यान, घटना प्रसंगांतल्यान शीलाबायची कथेची भाशा आकार

घेताना दिसता.कांय हेर लेखकांच्या कथेंत जे गंभीर विशय आयल्यात ते वाचकांचेर चड खरतायेन परिणाम करतात, ते वाचकाक असवस्त करतात. पूण शीलाबाय जेन्ना गंभीर विशय हाताळटा तेन्ना एक जाणवता ते म्हणल्यार ती गंभीर विशय सहजतायेन सांगून वता. त्या वेळार ताची खोलाय कळना पूण उपरांत ती कथा परत याद येवन तिची खोलाय समजता. तिची कथा विचार करपाक लायता.

तिच्यो कांय कथा तिच्या काळाचे प्रतिनिधीत्व करता. त्या वेळाचे समज, लोकांचे विचार, रिती-परंपरां दाखयता. जात-धर्म पळोवन लग्न करप, हुंडो दिवप, बायलेक दुय्यम स्थान दिवप, चलो घरचो आनी चली लोकांची, स्त्राप दिवप. आदी. गोंयची जिण दाखयतना शीलाबायन, मुंबयची जीण दाखयलां तशेंच वेगवेगळ्या जाती धर्माच्यो आनी समाजाच्यो चाली-रिती कथेंत आस्पावून घेतलां.अशें तरेन शीलाबान आपल्या कथांक काळावांगडा परिपक्व करून कोंकणी कथा साहित्यंत आपली खाशेली सुवात तयार केल्या.

**संदर्भवळेरी**

---

1कोळंबकार, शीला. ओली सांज. प्रियोळ, म्हाड्डोळ-गोंय: जाग प्रकाशन, 1973, पा. 13.

2कोळंबकार, शीला. भुंयचाफीं. प्रियोळ, म्हाड्डोळ-गोंय: जाग प्रकाशन, 1994, पा. 22.

# आदारावळ

## कोंकणी


1. केणी, चंद्रकांत (संपा).*कोंकणी कथा संग्रह*. साहित्य अकादेमी दिल्ली: साहित्य, 1985.
2. म्हांबरो, अना (संपा). *स्वतंत्र गोंयांतली कोंकणी कथा*. कोंकणी भाशा मंडळ, गोंय:कोंकणी भाशा मंडळ, 1985.
3. केणी, चंद्रकांत (संपा. आनी अणकारपी).*कथा भारती*. मडगांव, गोंय :कुळागर प्रकाशन, 2006.
4. गोमिश ओलिव्हिन्यु, *कोंकणी सरस्पतिचो इतिहास*. चांदर, गोंय : कोंकणी सरस्पत प्रकाशन, 1989.
5. गांवकार, भालचंद्र. *साहित्य एक भासाभास*. बेतोडें : मित्र प्रकाशन, 1998.
6. केणी, चंद्रकांत. साहित्य स्वाध्याय. गोवा कोंकणी अकादेमी पणजी: गोवा कोंकणी अकादेमी, 2007.


## इंग्लीश


1. Fenson, Herry. Kritzer, Hildreth. *Writing About Short Stories*. Collier-Macmillan Limited, London: The Free Press.
2. Shaw, Valerie. *The Short Story A Critical Inroduction.* United States of Americe:  Longman Inc, 1983.

**हिन्दी**

1. मांद्रेकर, वृषाली. मार्कण्डेय एवं पुंडलीक नायक का कथा साहित्य. गुजैनी कानपुर: विद्या प्रकाशन, 2010.
2. वर्मा, भगवतीचरण. *साहित्य के सिध्दांत तथा रूप*. नयी दिल्ली: राजकमल प्रकाशन, 1976.
3. कमलेश्वर. *कथा संस्कृत*. नई दिल्ली: भारतीय ज्ञानपीठ, 2006.